वर्णमुद्रा

वर्णमुद्रा

इ–नेमाळें
(मुद्रित प्रत,
फकत खासगी वितरणाखातीर)

अंक पांचवो / जुलै–ऑगस्ट–सप्टेंबर 2025

देणगी मोल : रु. 150/– (मुद्रित प्रतीखातीर)

संपादक : शैलेंद्र मेहता

अनुक्रमणिका

। भायलें चित्र ।

विराज नायक

। भितरलीं रेखाचित्रां ।

शैलेंद्र मेहता, माधव बोरकार

। सुर्वेचीं कांय उतरां ।

शैलेंद्र मेहता

। कविता (पावलां आनी नाद) ।

प्रकाश नायक, इंदू गेरसप्पे, अँड्र्यू एल. डी'कुन्हा, ऋषिकेश कदम, अमेय नायक

। स्मरणसुक्त ।

परीघ : शशांक सीताराम शिरोडकार

। कला, चित्रां, रेखाचित्रां, छायाचित्रां ।

उपरांत तो इतिहास जातलो : विराज नायक

– एल आल्तावोज

। कथा ।

परदेशी : फादर चेतन लोबो

सौंदर्यवती : विजया नवीन शेळडेकार

। भावपणाचो सोद ।

कार्लोस मारिया दुमिंगेज: पुस्तकां आनी शिमां मदलें जिवीत : शैलेन्द्र मेहता

। लेख/ ललित लेख/ टिपण/ मुलाखत ।

कोंकणीच्या निस्वार्थी वावराची एक केस –स्टडी – ग्लॅडिस रेगो : वल्ली क्राड्रस

घाण्याचो सोद : व्हिक्टर ह्यूगो गोम्स

एक मुक्त चिंतन जनेलां तल्यान : विशाल सिनाय खांडेपारकार

। गंभीर वा मजेशीर ।

मुखेल खबरो : मुकेश थळी

ये मेरा प्रेमपत्र पढकर: दासू भगत

काणीकणी : रीळकरी वारकरी : दादा हेगडे

। निर्मिती आनी वितरण साहाय्य ।

भाग्यश्री बनहट्टी, दिनेश मणेरकार

सुर्वेचीं कांय उतरां

वर्णमुद्रा एक वर्स सोंपोवन दुसऱ्या वर्सांत पावल घालता.

कोंकणी साहित्याचो पावंडो वयर सरचो आनी फकत राश्ट्रीय न्हय तर आंतरराश्ट्रीय पावंड्यार लेगीत आमच्या साहित्याचो पर्जळ पातळचो हो हावेस घेवन सुरु केल्ल्या ह्या तीन म्हयनाळ्याक कोंकणी साहित्य मोगी आनी वाचपी कसो प्रतिसाद दितले असो सुर्वेक प्रस्न पडिल्लो. वर्साभितर ह्या प्रस्नाची जाप मेळ्ळी. बरें, अभिजात साहित्य वाचप्याच्या मनांत सदांच तिगून उरता हाची प्रचिती आयली.

एक वर्सा आदीं ह्या प्रवासाक सुरवात करतना आमी एका आव्हानाच्या संवसारांत पावल घालतात हें आमकां कळ्ळें. लक्ष दिवपाची व्याप्ती आकुंचित जावपी आनी सदांच वेगान वचपी विक्षेपांच्या युगांत साहित्यीक नेमाळें निर्माण करप ही फकत एक प्रकाशनाची कृती न्हय, ती विस्वासाची कृती. भाशेचेर आशिल्लो विस्वास. विचारांचेर आशिल्लो विस्वास आनी बेगीन बेगीन वयलेवयर चाळपी वा फकत माथाळो वाचून स्क्रोल करपी लोकांमदीं आयज लेगीत खोलायेन वाचप्याची भूक तितलीच खर आसा हाचेर विस्वास.

ह्या बारा म्हयन्यांतल्या चार अंकांतल्या आमच्या पानांनी पुराय जिवीत मुठभर ओळींनी गाळून काडपी कविता, बऱ्याच काळा उपरांत लेगीत मनांत कोरांतून उरपी लघुकथा, आमी जियेतात तो काळ उक्तो करून दाखवपी करपी निबंद, टिपणां, विनोद आनी पयसुल्ल्या आवाजांचे अंतरंग लागीं हाडपी अणकार आमी सादर केल्यात. उदयाक येवपी प्रतिभेक आनी अजूनय प्रयोग करपाचें धाडस करपी म्हालगड्या लेखकांक आमी आस्पावन घेतल्यात. दर एक अंक म्हणल्यार जतनायेन विणिल्लो, योगदान दिवप्यांच्या विंगड विंगड पोतांनी घटमूट केल्लो एक गालिचो. अशा खंयच्याय उपक्रमाचो जीव ताच्या वाचप्यां मदीं आसता हें आमकां कळ्ळां.

भारतीय प्रादेशिक भासांच्या कॅलिडोस्कोपांत कोंकणी व्हड साहित्य परंपरेच्या वजनाक आडखळून आपली सुवात सांबाळपाक झगडटा. तरी लेगीत सांस्कृतीक राखण, भाशीक अस्मिताय कोंकणी भाशेच्या विंगड विंगड बोलयां वरवी आनी शैलीं वरवी अभिव्यक्त जाता. तातूंतली एक उल्लेखनीय बायल साहित्यिक स्मृतिशेश ग्लॅडिस रेगो. कवी, निबंदकार, कादंबरीकार, लघुकथा लेखक, प्रकाशक, कोंकणीची राखणदार आनी खर पुरस्कर्ती. ह्या अंकांत खास मंगळुरी शैलींत तिच्या समर्पित वावराचो घेतिल्लो नियाळ आमचे तरणाटे पिळगेखातीर स्फूर्तदिणो थारुं येता.

दुसऱ्या वर्सांत पावल दवरतना आमची वचनबद्धताय अखंड आसा. आमी अजापीत करपी, अस्वस्थ करपी आनी प्रेरणा दिवपी साहित्य सोदित रावतले. अजून आयकूंक नाशिल्ल्या आवाजां मेरेन

आमचो उलो पावयतले.

साहित्यीक नेमाळें छापून आयिल्ल्या प्रतींचे संख्येन न्हय, तर वाचप्यांच्या मनांत तातूंतल्यान निर्माण जावपी भावनांनी मेजतात. तुमचो सकारात्मक आदार आमकां असोच मेळटलो हाची म्हाका खात्री आसा.

प्रकाश द. नायक

व्यायाम : एक आयाम

आमी हातांक काम मागलें
तुमी हातांत फातर दिले

आमी म्हणलें – भूक लागल्या
तुमी हातांत कट्टी दिली

आमी दारानदार भीक मागली
तात्पुरतीच भूक भागली

तुमी शस्त्रां अवजारां दिलीं
आमी दरोडे घाले

तुमी हातांत तरसाद दिली
आमी कापीत सुटले

तुमी फस्क दिलें
आमी काडयो मारीत रावले

आमकां व्हरून भितर घाले
तुमीच आमकां सोडयले

आमकां जामीन मेळचे आदीं
चार दीस सुखान गेले

तुमी म्हणलें, अशेंच मंगल कर
आमी आयकलें दंगल कर

आमी भौजनी लाचार जाले
तेन्नाच तुमी सत्तेर पावले

तुमच्या सत्तांध बुटांपोंदां आतां
आमी सासणाचो व्यायाम करतात

♦♦

इंद्रधोणू

तिच्या दोळ्यांतल्या
एकेका दुकांत
आयजूय
इंद्रधोणूचे आभासी रंग!

पयस दोंगरार
एक सूर्य
सोडटा ल्हवूच आशेचें किर्ण
सूर्य अस्तंमता तसो
हाय...एकेक रंग
गळून पडटा!

उरिल्ल्या पाझराच्या
उदका थेब्यांत
एकेक इंधनाचो थेंबो घुस्पट्टा
जीव भितरले भितर घुस्मट्टा!

इंद्रधोणू सासणा खातीर विरता
जमनींत जिरता
खीणभर खिणाखातीर
ती तिकाच विसरता!

चल, हाडली पड
खाली पड!!
♦♦

इतस्तता

काल....
काजीची एक खांदी
पिक-अप घेवन गेली
दोन चंवरां
दोन फोकां
दोन बिबे
दोन काजू
दोन मुट्टे.....
इतस्तता

आयज....
घरांतली एक तरनाटी खांदी
पिक-अप घेवन गेली
आवय-बापूय
भयण-भाव
बायल-भुरगीं
ल्हानशीं पोरां....
इतस्तता!
♦♦

उदक

दर्या
बांय
टांकी
नळ
बालदी
कळसुली
तांबयो
बाटली
सिरींज....

एकेका घोंटा
गटागटा
तरशेंतां
तान
तानसोर
दोळ्यांतलीं दुकां.... पोल्यांर
घाम.... आंगभर!
.....

सिरींजाच्या अग्रायेदे थेंब
थेंब थेंब
ल्हेंवता जीब !!
♦♦

समूद्र

तुजी तान भागोवपाक
हांव समूद्र जालो
तूं म्हाका घटाघटा
घोटीत रावलें

तुजी रूच भागोवपाक
हांव मीठ जालो
तूं म्हाका अळणी खार
करीत रावलें

तुजी भूक भागोवपाक
हांव ल्हवो जालो
तूं म्हाका भितरल्यान
नितळ करीत रावलें

उदक, खारसाण, तळ
लीप्प, निवळ-नितळ
कावळ्याच्या दोळयां
फागुरता तुजें देवूळ!
♦♦

इंदू गेरसप्पे

तूं खंय आसा?

तूं खंय आसा?
सखया देवा, तूं खरेंच अस्तित्वांत आसा?
काय ना?
तुका कसलीच काळजी ना, हुस्को ना?
जगांत कितलो अधर्म अन्याय चल्ला
हाची तुका जाण ना?
काय तूं पर्वाच करीना?
इतलो निश्ठूर, इतलो निर्विकार तूं?
अरे, पतितपावन म्होणोवन घेता मु तूं?
अधर्माचे संहार करूंक येतां
म्हण सोपूत घेतिल्लो मु तुंवें?
खय आसा तर तूं?
चक्र घेवन कित्याक प्रकट जायना?
आनी एक सांग,

प्रामाणिक लोकांक कित्याक इतली यातना?
थोडे भाग्यशाली लोकांकूच
कित्याक सूपभर सुख?
एकाक चड , एकाक कमी,
हो रे कसलो न्याय?
कश्टाने गांजिल्ले जीव आमी
पायमुळांत माडयलें तरी
तुजेंच नांव घेतात
पुण तूं आसा खंय?
स्वर्गांत पक्कान खावन पान चाबडायत
लोडार लवंडला काय कितें?

एक शंका उदेता
तुवें मनशाक घडयलो
काय मनशान तुकां ?
अद्वैताचीं रुपां अनेक
आमी आमच्याच रुपांत
तुज्यो मुर्ती आकारल्यो
रुपें भांगर फातराच्या
तांकां केलो अळकार
घालें भांगर शिंगार
केलो तुज्या नांवाचो जयजयकार
पुण तुंवे दर्शन मात दिलें ना
इगर्ज मंदिर मशिदी बांदल्यो
अरे, तुज्या नांवान झगडी सुद्धांय झडयल्यो
रगताच्यो तांबड्यो न्हंयो व्हांवयल्यो
तरी तुजी खबरऽऽच ना
अरे सखया देवा
तूं आसा तरी खंय ?
तूं खरेंच अस्तित्वांत आसा
काय कितें ?

♦♦



यो

किोण तें भायर ?
काळखा चिन्कारांत ?
यो
भितर यो
जन्मभर वाट पळयली
जन्मभर नदर भिरीभिरी
तुकाच सोदताली, रे सखया
आतां आयलो तूं ?
जर्जर तन, चेंचिल्ले मन,
काळखा घुटके पीत पीत पडलां
तुंवें कितें चिंतलें ?
क्लेश दिल्यार हांव तुकां विसरतलीं ?
अरे, कशें विसरूं ?
फख आनी रस वेगळो ?
आनी कितलो अंत पळयतलो ?
तुजो खेळ रे
म्हजो मात छळ
असो लिपून छळूं नाका
धैर्य आसल्यार मुखार यो
त्या काळ्या निळ्या वस्त्रांत
कितें तें झगझगता ?
काळोख पांगरोवन कितें तें हाडलां ?
इतक्या वर्सांचे म्हज्या भक्तीचें फळ ?
आतां ह्या घडियेक
सांगात तुजोच रे सखया,
लागीं यो
एकदां नियाळतां तुजें मोहक रूप
सुर्वेचें आनी आखिरचें
आनिक कित्याक वेळ ?
काड तुजें खंजीर
लखलख खुसय काळजांत
आनी त्या उत्कट खिणांत
तुज्या निळ्या निळ्या दोळ्यांच्या

खोल खोल सागरांत
विलीन जांव दी हांव
जल्मभर म्हज्या मनासारकें जांव ना
रेऽऽ सखया,
तुज्या मनासारकें तरी जांव दी

♦♦

लय

कोण ते आमचेमदले नास्तिक?
जे देवच ना म्हणटात?
पळयलां ताणीं रातची
आकाशगगा?चमचमत्या नखेत्रांनी
खच्चून भरिल्लें मळब?
केदी ही विश्वरचना
केदें हें विलक्षण शासन
ही लय , हो ताल
शाश्वत सनातन
सूर्य चंद्र तारे गिरे
तनरींत तल्लीन मारतात फेरे
भरती सुकती ऋतूंचे घेरे
रुखाचो अंत थय रुजतात आंकरी
जन्म मरणाचे अनंत फेरे
काळचक्र तें
समांतर रेषेंत चलना
घुंवत रावता
युगांयुगांतर
अनेक संवत्सर
कोण ही शक्ती?
कोण ही उर्जा?
जी काळजाचो ठेको धरता?
सुरेल सुरम्य सैमसंगित रचता? रध्रांरध्रांत
हुंकार झंकार
आयक प्राणप्रवाहाचो ओंकार
म्हज्यांत तुज्यांत पूर्णपणे भिनल्या
ही लय, हो आदिताल
ही अज्ञात अद्‌भूत शक्ती ।।

♦♦

तृष्णा

सखया,
तुजी ही दुनिया भूलभुलैया रे ।।
ल्हानपणीं वेळेर शंखशिंपल्यो वेंचल्यो
रंगरंगित गुंडे पुंजायले
संचय करप, अपेक्षा धरप ,
साहाजिकच तें
तृष्णा ती
पुण इच्छा आकांक्षा वाढतात (वाडता = serve)
हावेस वाढता
तशी तृष्णाय वाढता
होमखणांत समिधा घालतात
तश्यो इच्छा भागयल्यार
अग्निज्वाळा भगभगतात
आनिकूय वयर सरतात
सहस्त्र मागण्यो, सहस्त्र कामना
आहुतींची गणतीच ना
तृष्णा आनिक वाढता
खजिनो भरिल्लो आसा
ताका आनिक लोभ
तळ्यांत उबो
पुण तानेन तडफडता
वासना व्यसनांच्यो लाटो उसळतात
ही तळमळ, ही उचांबळ,
ही वान्साच दुःखाक कारण
क्षणिक सूखाफाटल्यान धांवप व्यर्थ
खरस लागल्या रे देवा,
सखया,

हो मालकीचो हावेस सोडय रे
ही आसक्ती निवळाय
सत्याचो दिश्टावो घडूं दी
अज्ञानाचो काळोख आसोरूं दी
ल्हवू ल्हवू ज्ञानाचो उगम जातलो
पुंजायिल्ल्या शख शिंपल्यांचे
रंगरंगित फातरांचे
प्रत्यक्ष स्वरूप मोल कळतलें
जीणेंतले खंत खेद
आपोआप दूर सरतले
ह्या आसुसलेल्या जीवाक
तुज्या कृपेचो एकच थेमो पूरो
ही तृष्णा भागोवंक
♦♦

अद्वैत

बरें, मानलें रे सखया ,
तूं अस्तित्वांत आसा हें खरें
पुण तुका हांव खंय सोदूं?
खंय मेळटलो तूं?
पावसाच्या पयल्या शिंवरांत?
झाडांच्या पाचव्या चिगूरांत?
प्राजक्ताच्या केशरदेंठा म्होवांत?
धुंद व्हांवतल्या वारियाच्या छदांत?
बाळाच्या निर्मख हांश्यांत?
इंद्रधोणूच्या सप्तरंगांत?
खंय म्हण सोदूं तुका?
मान्य रे तूं आसा ,
पुण निराकार रे तूं
तुजो भास जाता चराचरीं
पुण तूं खंयच दिसना
अप्रूप रे तूं
सर्वव्यापी सर्वेश्वर
प्रत्येक खीण एक चमत्कार
प्रत्येक श्वासांतलो पंचप्राण तूं
प्रत्येक जीवांतलेःजीवन तूं
रंध्र रंध्रांतलें सळसळतें चैतन्य तूंच
अंतरंगांतलो साक्षात्कार तूंच
ही आदि अनादि अनिरुद्ध उर्जा
उत्कर्शाची अविरत उर्बा
असंख्य संवत्सरां कणान् कण
विशाल विश्वांत अविरत घुंवतात
लोप पावतात, पुन्हा रुजतात
एकजीव जातात
एकमेकांत
तुज्या म्हज्यांन
आदि ना अंत
परमात्मा वसता आत्म्यांत
अंतराळांत सोदीत रावलें हांव तुका
अंतरांतच तूं रे
अद्वैत आमी
♦♦



अँड्र्यू एल. डी'कुन्हा

खडपी सुवातेर पडल्लें बीं

फात्रांच्या उंडांतलो श्हेळो वोडून
आपलीं पिंपरी पाळां फात्रा फुटांतल्यान
मोव मोवाळ मात्येच्या गरबांत
हळूहळू सकयल गळवन

पिळग्यापिळग्यांचें त्राण आरवन
वेळाकाळाचें गिन्यान वाटवन
खडपाच्यो शिरोच चिरून
तकली उकलन उबें रावलें
खडपी सुवातेर पडल्लें बीं!

विज्मित्कायेच्या नेण्या दोळ्यांनी
वरतें नवल देकच्यार पडलें!

किर्णां धांवून आयलीं
येवकाराचे झेले घाल्च्या उल्लासान
प्रथवेच्यो सर्व वरत्यो सक्त्यो
पर्जळचो सूऱ्यो
जिविताचें उदक
पुस्पुसचें वारें
सकडां एक्तारांत मेळून
वेंगुंक राकोन रावल्यांत
मायामोगाचो सत्कार करुंक

इटाळ मात्येंतल्या झाडांक सयत
वारयान घुंवडायलां हेवशीन
अभिमानान मान बागवंक!

अपल्या उंडांत जीव घेवन
सूरयाचीं किर्णां चिंवच्या बाळ झाडाच्या

उमाळच्या मोगान
कडोन मुदो जालां
काळीज फात्राचें

♦♦

मांयन शिंवल्लें उशें

बाबाचे पिंजल्लें बंजाण
मांयचें झरल्लो कापदा तीर
दाट्टुचें चिरल्लें कल्सांव
बायेचें तुटल्लें आंगलें
थोडो कापूस सांगाता घालन
बुतांव हुकू जोगासाणेन सांबाळन
नवेंच उशें शिंवल्लें मांयन
तिच्ये उसक्या तसलें!

पात्ते मारल्लो मायपासा फोर
चिंदी कुडक्यांक नवेंच घर
चुरे सपणांक एकटांय करन
संभ्रमान निदल्लों सुशेगात....
कुटाम सगळें पोशेतालें मातें

उश्या फोरार लाळ सुखाचें

आज तकलेंत हजार वोजीं
व्हाववक एक्सुरों, खंय गेलीं म्हजीं?
अत्म्यालागीं पुस्पुसता ताळो मांयचो
‘‘धांवणेर थोडी पुर्सत कर रे
तुटल्ले बुतांव एकटावंक
सुटल्लीं सुतां मेटवंक,
जिविताचीं सतां गुंतुंक...’’

जिणिये गाडिये अवाजा मधें,
दोळें धांपून राकोन आसां
निदेच्यी वाट, सगळी रात!
पयणा पोत्याक तेंकलां मातें
मांयचें उशेंच असल्यार जातें!
♦♦

पावसाच्या अवाजा मधें

पावसाक ताळो कोण दिता?
तो जंय पडटा थंय
आप्सोच एक ताळो सुटता

रुकार एक गायान; पाक्यार भजन
रानांत एक गीत; फाल्क्यांत रंगीत
खडपार एक ताळ; उदकांत जळ जळ
पावसा ताळ्याक; वारयाचें संगीत!

हांगा, स्मार्ट सिटी बसस्टांडांत
आम्सरी पयण्यारयांच्या काळजांनी
नेगार केल्लो दुबळो एकलो
अपलेच हात उशें कर्न
सर्व अवाजांक कान धांपून
निदेंत पिंर्गता,..

पावस ताच्याय आंगांतल्या
समदिराक सोधून येता
देगेच्या तगडाचेर पडचे बड बड थेंबे
ताच्या पोल्यांचेर शिंवरतात
उबुंक तयार जाल्लो अत्मो
वोंटा हुंबरार पाकाटे हालयता तशें
वोंट ताचे बारीक कांप्तात
सुकणें एकलें ताच्ये उबेक
वोलीं पाकां फापुडता
पाकांनी लिपून आयिल्लो पावस
कांपच्या सुक्या वोंटांक भिजयता
पावस पडुनंच असता...

पावसा ताळ्याक कान कोण दिता?
तो जंय पडटा, थंय
मात्येची तान भूक थांबता
सळसळच्या धर्तरेच्या कणांकणांचो ताप निंवता
तो उकडता, जिवा तळमळ्यांचा थेंब्या थेंब्यांनी
मिसळोन..
थंय एक नवीच ताळ सोडटा..

पावसा ताळ्याक कान कोण दिता?
जिविताच्या ताळाक काळीज कोण दिता?
♦♦

ते नेणते घामा थेंबे

ताचो घाम ताणे
बोटांनी वोंदावन पुसून
हात वारयांत पापुडताना,..

उसळाल्लच्या थेंब्यांक वारयान आरवन
ताच्या पाटल्यान चमकून वेच्या
म्हज्या आंगार शिंवरायताना...
श्शी! हांव कांटाळून कद्वळतां!
(घामांत असा तरी कितें
अशेंय आंग हिवळांवचा तसलें!?)

घड्येन चाबूक जाली म्हजी जीब...
चार उत्रां सळसळीं
ताच्या भिजल्लच्या पाटीक अंर्दिताना–
चलत रावलो तो कान धांपून

दीस पाशार जाल्ले...
त्या धोनपारां,
एका कारान भुजांक हांडून,
माका खण्येक परतिताना
मोबायलगार मानाय हात लांबवन
अटेविट्यांचे विडियो काडुंक लागले!
म्हज्या पुन्यान
रसत्याचो एकलो कामागार
देंवलो खण्येंत

म्हज्या घामांत,
म्हज्या रगतांत,
म्हज्या दुकांत,
म्हज्या घायांत,
ताच्या घामा थेंबे
मिसळाताना.
भूरग्यापणार मूरया थावन पडोन,
हांव घायेल्यावेळीं
खोरें सोडन धांवोन येवन,
उकोलन वेल्लच्या म्हज्या बाबापरीं,

त्या मनज्यान जत्नेन उकलन...
हेर दोगां हातीं ओप्सिलें
हे मनीस म्हज्या बाबाचें रूप!
तांचोय मणियां हार म्हज्या अंगार!
घाम पवित्र पवित्र
बाबाच्या मोतियांचो सुंरगार!!

आतां
त्या वाटेन चमकताना,
वारयान आरावन म्हजेर शेणेल्ले,
म्हज्या चाबूक जिबेन अनाथ केल्ले
ते नांव नातल्ले
नेणते घामा थेंबे,
म्हजी कात, मास चिरून
चरतात म्हज्या काळजा शिरांनी !
मिटा हुलोप तडवानासतां
कवितेंतले सब्द जातात!

♦♦



दोरी

दोरी बांधुंक नातल्यारी
रुका भोंवतिंच भोंवाडो काडन
चरव सोदच्या गायराक जागयलें!

''दोरी बांधुंक ना–गो!
सुटका आसा पयस धांवुंक
आसा पळे पालो तण तेणें
अळे! त्येच कुशीन उबलें पळे सुकणें
आवकास आसताना सवकास कित्याक?
वोंयो उत्रून उडक्यो मार! मुखार धांव''

म्हाका पळेत रावलें गायरूं
आमूरपिक्या हास्यान
आनी भिर्मतेच्या दोळ्यांनी

''दोरियेचो एक वांटो म्हज्या गोमट्याक
आन्येक वांटो रेवडला पळे रुकाक
गांट घालुंक ना तितलेंच धन्यान
धन्याची नीत आनी म्हजी मीत
हांव जाणां जाल्यां खरयान!''

गायरूं गायरुंच! घर्‌चे वाटेक काडलीं मेटां
वाटे मात्येंत दिसलीं रगाळीं खतां
कोणाचीं? म्हाका कित्याक पडून गेलां?
पळेंवचेंच नाका,
हांवें वयर उबार्‌ली दीश्ट
तेणें उबोन गेल्लें सुकणें
पाटीं उबोन येंवचें दिसताना
गायराचे ते भीरमतिचे दोळे
म्हजेलागीं उलोवंक लागले मतिंत आतां

''अरे! सुटकेच्या गुलामा! सांग माका
सुटकेच्या रसत्यार रगतां आनी दुकां
गुड्डावन धांवताना दर्वडान
कोणे बांदल्यारे तुजी दीश्ट?
कोणे शिंवल्यातगा तुजे वोंट
कोणाच्या भिंयान आडव दवर्‌ल्यात तुजे सब्द?
फटीच वोरबोसान भकांवचे तुज्ये कूर्‌ड्े–मतीक
पेल्याच्या दर्कसाच्या पाल्याचोच आबलेस!
दिसत कशें तुका तुज्याच पांयांनी मसतिल्लें सत?
सुटकेकी आसागा दोरी लांब!
कूर्‌ड् मतीक कशी ती झळकत?
उडकाणांनी नीत मीत मीरवताना
दोरियेक गांटी पडून,
गांटीक गांट कुडसून
मुड्डून अर्नून सोडतीत गोमटी तुजी!
कयदी मतीक तुज्या सुटका न्हय रे
सोडवण, खरी सोडवण जाय!''

गोर्वालागीं आतां पाटिंच आयलों
रुका भोंवारीं खेळून आसल्लीं
तें गोरूं आनी पाटीं उबोन आयिल्लें सुकणें!

♦♦



ऋषिकेश कदम

1

विकली खंय काकणां तुजीं
भांगराची सपनां तुजीं
त्या निश्काळजी हातानी

हांवे आयकूंक नासलो
त्या काकणांचो खळखळ
म्हाका आवडटा ती
शांतताय...
तुवें दिल्ल्या गुलाबाची...
म्हजे डायरेच्या कुरकुटांत
अजूनय सुस्त न्हिदला तो
राजकुंवरावरी
♦♦

चायेचो कप

रस्त्या कुशीच्या
मोडक्या बांकावेलो चायेचो कप
दर घोटाक आयकता हजारांनी काणयो
काणी कडकडट्या हातांची
काणी थरथरत्या ओंठांची

काणी पातळ पाकिटाची
काणी नवीन जाकिटाची
काणी तुटिल्ल्या लग्नाची
काणी सुटिल्ले गाडयेची

कोणाचे नोकरेची
कोणाचे छोकरेची

हजार चितनांची
हजार जैतांची

दर सुखाक
दर दुकाक
जजमॅण्ट करिनासताना
हून ऊब दिवपी
काळजी घेवपी
तोखणायेची पर्वा करिनासताना
असंख्य लाकांचो इश्ट जावपी

रस्त्या कुशीच्या
मोडक्या बांकावेलो चायेचो कप
♦♦

3

जनेला सरीं बसून
डिस्कांवटाचो पावस पळयतालों
दर दिसा येता तो
केन्ना रेडबसीचो तर
केन्ना मेक माय ट्रिपीचो

कोण शिर्डी व्हरता..
तर कोण बाली..
हांव आसां थंयच आसां
नवी ताल्ल सॉक्सांची जोडी
करकरीत पासपोर्ट
ना भरिल्ली बॅग
ना कसलो प्लॅन
फक्त कामाची धांवपळ
आनी डॅडलायनी...

सध्याक जमना...
म्हूण फोन फुडें स्क्रोल करतां,
आयचें सपन फाल्यांर धुकळटां
आयचें जुवानपण फाटल्यान वडयतां
एक डिस्कांवटेड सो सुस्कारो सोडीत
♦♦

4

कितलो तेंप
कितले तप
चलतां ती वाट..

सोडले लोक
सोडल्यो यादी
फाटीं उरलीं सगळीं नातीं
ते वाटेक करून इश्ट
चलत रावलों...

वर्सांचीं वर्सां दिलो साथ,
ते वाटेन म्हाका दीस रात
सांगातान हांसली – रडलीं
माड्डिले कांटे, धाडायलीं दारां
वडयल्यो वणटी...
एकरूप जाली म्हज्या प्रवासांत

प्रवास ते दिगंत वेळेर पावपाचो
अनंत रुपाक मेळपाचो
स्वता अनंत जावपाचो

जिणेच्या निमण्या खिणांक
जेन्ना मेळ्ळो वेळेक
दिगंत म्हाका दिसलो ना
अनंत म्हाका गावलो ना

वाटेन म्हाका फटयलो
मृगजळ दाखोवन भुलयलो
आतां फाटीं वचूंक त्राण ना
कितें सांडलें ताचें कोंत ना
हांव शेणिल्लों अश्वथामा
♦♦

5

इश्टीणीगेर बऱ्याच तेंपान
वापरली गोदडी
ताचे आईच्या कापडाची

वेंगायता तू,
काय, तुका वेंगायता
ती गोदडी ?
कुवाडें केन्ना सुटले ना
ते उबेंतलें सपन
शिवणेंतल्यान केन्नाच सुटलें ना

भरल्यात गोदडेंत वेंचून
गाठींतल्यो त्यो यादी
उळंग पोल्याक चिमटो केन्नाय
वेंगेतल्यो त्यो रातीं

गोदडी गायता आल्लय अजून
दितां सपनांक पाखां
पदर अजून पुसता घाम
ही थाकाय कोणाक नाका ?

आई जरी न्हय म्हजी
गोदडी तशी संवकळीची
आवयपण गुथलां अळंग
कितली तुजी, कितली म्हजी ?

♦♦

अमेय नायक

1

गिता, कुराण, बायबल
म्हाका एक समान

हावें आजून तीं वाचूंक ना

♦♦

2

कोगळाच्या आवाजाक
तुमी दितात
दाद
कोगूळ दिसलें काय
घालपाक लागतात

साद
कावळ्याच्या आवाजाक
तुमचो विरोध
वाद

कित्याक ?

अरे सभाग्या!!
तुवें पळयलां !
कावळ्याच्या घोटेरांत
कोगळान राज्य केलां.
♦♦

3

सुकिल्ले बांयंत
झडलो पावस.
.
भरिल्ले बांयंत
तिणें घेतली उडकी.
.
लोक म्हणटात...
अंदू पावस बरो पडला.
♦♦

4

मनांतल्यो भावना दोळ्यांत येतात
म्हण
घट्ट करून दवरल्यात.
आतां त्यो
लिखणेंतल्यान व्हांवतात
कागदार...

...भंय दिसता,
केन्नाय लेखणीय घट जाली जाल्यार !
♦♦

5

सोदूया आमी शेणलां तें,
पुरुया सबंद खणलां तें.

अधीर पावलांक नासता खबर,
मुखार कितें मांडलां तें.

घामेल्ली कुराड कडेक दवर,
पळय कितें हाणलां तें.

नात्यां गांठी सैल सोड
सुटूं एकदाचें ताणलां तें.

नाका जाल्लें सोडून दी
कित्याक पळयता साणलां तें.

सोदूया आमी शेणलां तें,
पुरुया सबंद खणलां तें.
♦♦

परीघ

शशांक सीताराम शिरोडकार

नारायणबाब सोप्यार ऑल्तेरांत पडिल्ले. मोन्यांनी दोळे बंद करून. ऑल्तेराचे वयले दांडयेर दोनूय हात उडोवन. सुकोवंक घाल्ले वरी.

तांणी कुशीचो पेपर उखल्लो. ओक्ल दोळ्यांर चडयलें. पुणून वाचिल्लें तकलेंत वचना जालें. ते उठले. पांयांत व्हाणो लकोवन भायर सरले.

आंगणा मुखार तांचें कुळागर. कुळागरा सकयल पातळिल्लीं शेतां आनी शेताच्या मुखार पाचवी निळी दोंगराची रांग.

नारायणबाब शेता मेरेर येवन बसले. झुमझुमी वारें व्हांवतालें. खळार कांय कांय गुडवे आजूनय तशेच आशिल्ले. कांय मेकळ्या कुणग्यांनी भुरग्यांलो खेळ रंगांत आयिल्लो. गोरवां चरतालीं. गोरवां पांयां कुशीक साळो नाचताल्यो.

नारायणबाबाल्या जिवाक थाकाय मेळिल्ले वरी जाली.

बांयेंतल्या दांड्यांनी तितल्याच कुडक्याक घुंवत रावचें तसो तो विचार तांचे तकलेंत घुंवत आशिल्लो.

– तें तशेंच कित्याक घडचें. वेगळेय घडुं येता. घडूंक जाय. कित्याक घडना? पळय, मनीस दिसता तसो नासता, चिंतता तशें घडना हेंच खरें. तुजे विशीं हांवें हें चितूंक नाशिल्लें... तुवें न्हयकार कळयलो म्हूण म्हाका वायट दिसलें ना. तुवें सांगिल्लें कारण –

.... तुवें तें कारण फुडें करपाचें न्हय. आवयबापायचें कारण सांगून तुवें अनूक न्हयकार दिवप हें पटना... तुजेकडेन पळोवपाची म्हजी नदर वेगळी आसली. तुजें लेखन, तातूंतले तुजे विचार... तुज्या स्वतंत्र विचारांची तांक तातूंत दिसताली. हांव तुजेकडेन साहित्य, नाट्य ह्या विशयांचेर उलयतालों, चर्चा करतालों. म्हजे बरोबरचो अशें समजून वागतालों. कित्याक? तुजे आनी म्हजे विचार खंय तरी जुळटाले... पुणून आतां दिसता, तुजे विचार हे सोबेच्या प्लास्टिकच्या गणपती वरी. पुजपाचे न्हय. आपणावपाचे न्हय. मनशान स्वताकडेनच असो व्यभिचार करप न्हय...

तीन – चार पतंग मळबांत धोलताले. नाचताले. अचानक एक पतंग लगाट मारून सकयल आयलो आनी रोखडोच सरसर वयर चडत गेलो. किरकिऱ्या वरी.

तुका याद आसा, सुधाकरान बायलेक सोडिल्ली तेन्ना– तुज्या विचारांचे म्हाका कवतूक दिशिल्लें. – आमी सुवार्थी. खूब सुवार्थी. आमच्या सुवार्था मुखार आमकां दुसऱ्यालें दुख्ख अजिबात दिसना. दोंगरा येदें आसलें तरीय. सुधाकरान बायलेक सोडल्या. तिच्या आंगार धवे दाग उदेल्यात म्हूण हाच्या घरांत फुडें कोणाच्याय आंगार, कोणाच्याय कित्याक? हाच्याच आंगार हे दाग उदेवचे नात म्हूण हो सांगूंक शकता? तेन्ना हो कितें करतलो? तूंच उलयिल्लो हें. आनी आतां अनू तुमकां पसंत आशिल्लें, हांवें ताच्या दागां विशीं सांगमेरेन. आतां ना. तुका ना. तुगेल्या आईबाबाक ना... हें अशेंच घडटा. अशेंच घडपाचें.

नारायणबाब आपलेकडेनच खिन्न हांसले.

– अनूकडेन कितें ना? सगळें आसा.

दुख्ख अनूक न्हयकारिल्याचें न्हय. दुख्ख वेगळेंच? मळबांत आजुनय पतंग धोलताले. मदींच कांय सरसर वयर चडटाले. माकडांनी माडार चडचें तशे. कांय धळमळत सकयल देंवताले.

मळबांतल्या पतंगांचे खेळ पळयत नारायणबाब बरोच वेळ बसले. आपलें मनच मळबांत खेळिल्ले वरी तांकां दिसूंक लागलें.

आदले चार दीस आपले अंधश्रद्धा निर्मूलन कार्यावळी निमतान नारायणबाब फिरतेर आशिल्ले. त्या कारणान त्या चार दिसांचीं दिसाळीं तांकां आपले संवयेनुरूप बारीकसाणेन वाचूंक मेळूंक नाशिल्लीं. फाटल्या चार दिसांचीं दिसाळीं घेवन नारायणबाब वाचत बशिल्ले. एका दिसाळ्यांत तांचें अंधश्रद्धा निर्मूलन कार्यावळी विशीं एक आर्टिकल छापून आयिल्लें. श्री. नारायण वाघ हे एक सेवानिवृत्त प्राध्यापक, एक कलाकार आनी ताकदीचो दिग्दर्शक म्हूण हाचे आदींच तांणी बरेंच नांव मेळयिल्लें आसा. सद्या तांची कार्यावळ घेवन शाळा – कॉलेजींनी वतात. ती एक अभिनव कार्यावळ नारायणबाबाचें कलात्मक तितलेंच प्रभावी दिग्दर्शन आनी तरूण कलाकारांनी तांकां दिल्लें सहकार्य हाका लागून ही कार्यावळ पळयतल्यांच्या स्मरणांत बरोच तेंप मेरेन उरता.

खंयचेय गजाली कडेन शास्त्रशुद्ध नदरेन पळोवपाचो विचार आनी अंधश्रद्धा पयस करपाचें एक गरजेचें काम नारायणबाब हे कार्यावळीच्या रुपान करतात. खूबशा प्रस्नांचेर ते पळयतल्यांक विचार करूंक लायतात. ग्रहांचो कोप चुकोवचे खातीर होमहवन घालप, गळ्यांत तावजां बांदप, जल्मपत्रिकेच्या आदारान फलज्योतिश मांडप आनी ताचेर आदारून रावप, आपल्याक त्रस्त करपी समस्यांच्या निवारणा खातीर साधु बुवांच्या भजनांत लागप, यल्लम्मा जावं देवी माथ्यार घेवन भोंवपी बायलांनी, बंटिणींनी भार काडप, भाराचेर हवेंतल्यान बिबूत काडप आनी ते बिबूतीचो खंयच्याय दुयेंसाचेर वखद म्हूण श्रद्धेन उपेग करप, देवाकडेन कौल लावप आनी तो खरो म्हण श्रद्धा दवरप अशा

कितलेशाच गजालींतलें फटिंगपण ते लोकां मुखार, विद्यार्थ्यां मुखार दवरतात.

15-16 चले – चलयांचो पंगड कसलोच गोंदळ करिनासतना हें सगळें दाखयता. पुराय प्रायोगिक पद्धतीन. स्पॉट आनी संगीत हांचो नदरेंत भरपा सारको वापर, 15-16 जाणांचें सोबीत, आकर्शक टीमवर्क. ही कार्यावळ प्रायोगिक पद्धतीन चलता आसली तरी समजावपाक खंयच आडखळ येना. उलट खूब परिणामकारक जाता. अंधश्रद्धेक लागून आमी आमकां कशे सर्वनाशा कडेन व्हरतात, समस्या सुटना आसतना कशो नव्यो समस्या निर्माण जातात हाचें जिवंत दर्शन ही कार्यावळ ल्हान ल्हान प्रसंगांतल्यान घडयता.

नारायणबाबाली बायल च्या घेवन आयली.

'च्या घेयात पयलीं.'

'हं.' नारायणबाबालें वाचन चालूच आशिल्लें.

'न्हिवन वतली.'

नारायणबाबाली दिसाळ्या वयली नदर हालली ना. तांची बायल कांय वेळ तशीच बसून रावली. मागीर वाट पळोवन आवाज चडयत ती उलयली. 'पयलीं पियात पळोवया.'

नारायणबाबान कप उखललो.

'कार्यावळ बरी जाली मूं?'

नारायणबाबान एक हुंकार दिलो आनी ते वाचनांत गुल्ल जाले. आतां बायलेच्यान रावंक जालें ना. विशय काडुंकूच जाय आशिल्लो.

'ती यलम्माई दागांचेर वखद दिता खंय.'

नारायणबाबान पेपर सकयल केलो. 'कोण यल्लम्माई?'

'ती यलम्मा घेवन भोंवपी गाबितवाड्या वयली.'

'कोणें सांगलें तुका?'

'तीच आयिल्ली काल. अनू कुकूम घालूंक गेल्लें. म्हणूक लागली तुजेर यल्लम्माचो राग आसा, म्हूण लग्नाक आडखळ येता.'

'आनी कितें कितें सांगलें?'

'केन्ना तरी ताणें यल्लम्माचो अपमान केला म्हूण, आनी खरें हो तें.'

'कोणें सांगलें तुका?'

'अनू सांगता. एक फावट खेळटना अशीच यल्लम्मा घेवन आयिल्लेक 'कुशीन वच गे' म्हूण धेंगसो घाल्लो खंय ताणें. भुरगेपणांत हो. आनी पळयल्यार तेच सुवातेर तें पडिल्लें. तेच दाग ते.'

'भुरग्यांचे करणेचेर राग धरपी ही देवी कसली तर गो?'

'कितेंय उलयल्यार तुमगेलें हें असलें. रोखडेंच आडवेंतिडवें उलयतले.'

'पूण असल्या दागाची खबर यल्लम्माईक कशी कळ्ळी तर गो? ते काय कोणाक दिसपाचेशे नात आनी आमी सांगले बगर कोणाक कळचेय नात.'

'आमीच सांगलें तिका मागीर. दोन वर्सां करपाचें खंय वखद.'

'हांव जाणां गो तें. खंयच्याय दुयेंसाचेर वखद जावपी बिबूत ती भार हवेंतल्यान काडटा. पुणून वखदाक गूण आसल्यार गांवांत असो रोग आशिल्लो कोणूच उरपाचो नाशिल्लो. कितें?'

'कितेंय करात तुमी. एक सांगल्यार दोन आयकुची पडटात. केन्नाय कोणेंय सांगिल्ले आयकलें

म्हूण ना. देवधर्म म्हूण कितेंय मानूंक जाय मनशान,' नारायणबाबाली बायल फरफरत भितर गेली. 'अनूवांगडाच्या सगल्यांक दोग दोन भुरगीं जालीं. तरीय हांकां कांय ना. काय बरी दोन तीन कडेन सोयरीक जुळिल्ली. हे व्हडले धर्मराजाचे अवतार! चलयेक अशें आसा आनी तशें आसा. खंयय वचून देवधर्माचे पळोवया म्हळ्यार हांकां नाका, तशें तरी केल्यार येन्ना पोराक गूण पडटलो आशिल्लो. हांगेलो हो दोतोर आनी तो दोतोर. दोतोराल्या वखदांनी कितें कमी पडलां? मागीर कित्याक तें? नाजाल्यार झाडापाल्याचीं वखदां. झाडापाल्याक गूण आसता आनी देवधर्म नाका. आतां ल्हान आसा तें?'

नारायणबाबांक हीं उतरां नवीं नाशिल्ली. म्हयन्याक एक दोन फावटी तरी वाजंत्र वाजतालेंच. बायल तशें उलयली म्हूण तांणी बायलेक केन्ना दोश दिलो ना. तिचे तकले वयलो पेंच ते जाणा आशिल्लें पुणून तरीय आपणें सांगूनय तिका खरें कितें हें कळना म्हूण किडयिल्ले वरी जातालें.

नारायणबाबान परते पेपरांत लक्ष घालें.

– पंजाबांत 15 जाणांक मारले.

– पंजाबांत 4 आकांतवाद्यांक धरले.

– बिहारांत व्हडें उमथून 200 बुडले.

– इराण इराक पेंच आजून तस्सो.

– वास्कोत बलात्कार, तरणाट्याक धरलो.

– आंकवार चलयेची आत्महत्या.

– काल हांगा ३१ वर्सां पिरायेचे चलयेन बांयंत उडकी घेवन जीव दिलो. ती शाळेंत शिक्षिका आशिल्ली.

– पयलीं एक फावटय तिणें असोच यत्न केल्लो म्हूण कळटा. थारिल्ले लग्न मोडिल्ल्यान हे चलयेच्या मनाचेर परिणाम जाल्लो अशें लोक उलयतात.

नारायणबाबान पेपर वाचून कुशीक दवरलो. ओक्ल काडून हातांत घेतलें.

'आनी कितलो तेंप वाट पळयतले? चली ती'. इतल्यांत उतरां येवन तांचे कानार आदळ्ळीं.

सरळ ओळीन वचपी मुयांचेर पांय पडटकच मुयांनी काचाबूल जावन फाफसचें तशें तांचें जालें. तांचे तकलेंत विचार काचाबूल जावन फाफसले.

पेपरांतली चली तांचे तकलेंत आदळत रावली. ते आंगणांत देंवले. अचानक आयिल्ली अस्वस्थताय. ते तशेच सकयल शेतांत देंवले. थंयच बांदार बसले.

मळबांत पतंग धोलताले. अचानक एक तुटलो. हेळपटत सकयल देंवंक लागलो. एक भुरगो पतंगा फाटल्यान धांवत आशिल्लो. ताणें तो निमाणे मेळयलोच. नारायणबाब पळयत आशिल्ले.

भुरग्यान पतंग परत वयर सोडलो. सरसरत वयर गेलो. परत मळबांत पतंगाची लडाय जाली. परत तो पतंग तुटलो.

परत पयलीं वरीच जालें.

त्या भुरग्यान पतंग परत वयर चडयलो. कांय वेळ मळबांत नाचलो. परतो तुटलो. पतंग धळमळत, बेबद्या वरी सकल देंवलो. तो भुरगो जाग्या वयल्यान हाललो ना. थंयच बसून रावलो.

नारायणबाब बशिल्ले कडल्यान पळयताले.

…

टी. व्ही. चालू आशिल्ली.

एकाच फॅनाक गोळ लावन जीव दिल्ल्या तीन भयणींचो फोटो टी. व्ही.चेर दिसतालो.

'ऐसा कुछ होगा, यह सपनेमें भी नहीं सोचा था.' दोंगरा येदें दुख्ख पचोवन स्थितप्रज्ञ जाल्लो बापूय.

प्रस्न उलटेसुलटे. आडवे तिडवे, जाप दिवपी उतराउतराक न्हिन्हळटालो. इसके पिछे दहेज की प्रथा तो थी ही। इसके अलावा और कुछ भी था।

पांच हजार बरसोंकी परंपरा।

मातापिता के विचारों में संतुलन की कमी। स्वतंत्र विचार आत्मसम्मान आत्मविश्वासकी कमी.

नारायणबाबाल्या विचारांच्या रुळा वयल्यान हो निश्कर्श वतालो. पुणून तरीय तांचे तकलेंतल्यान तो बापूय वचना जालो. आपणाकूय चार जाणां मुखार जाप दिवपाक हाडिल्ले वरी ते नर्व्हस जाल्ले.

''ऐसा कुछ होगा यह सपनेमें भी नहीं सोचा था।''

कानाच्या पड्चार चणे मोखून मारिल्ले वरी तांकां जालें. एक अनवळखी अस्वस्थता तांकां बेजार करूंक लागली.

दुसऱ्या दिसा लेगीत नारायणबाबाले तकलेतल्यान तो बापूय वचना जालो.

'कालची टी. व्ही. वयली कार्यावळ पळयली मगो?' नारायणबाबांनी मुद्दामच अनू कडेन विशय काडिल्लो. मनीस कितलो अविचार करता पळय. सामको अविचार हो. इतलीं शिकिल्लीं सवरिल्लीं मनशां अशीं वागतात म्हूण चड वायट दिसता. बापायचेर उपकार करूंक गेल्ले वरी तीं दाखयतात. बापायक केदी ख्यास्त ही! तो उलयतना कसो घुसमट्टालो पळयिल्लो तुवें?

'शिकिल्ल्यो चलयो ह्यो. एकलेक तर नोकरी आशिल्ली. लग्नाचेंय वय जावंक नाशिल्लें. विचार करूंक तकलीच चलना.'

''बाबा, आत्महत्येचेर कोणेंय उलोवप न्हय. जीव वचपी मनशालें दुख्ख त्या मनशा बगर आनी कोणाकूच कळना आनी कोणूच तें अणभवंकय शकना.''

नारायणबाबान दुबावीं नदरेन अनू कडेन पळयलें. ''तें खरें पुणून जीव दिवप हो अविचार. भिजूडपण. हो कित्यावयलोच उपाय न्हय. विचारांची आनी कर्तृत्वाची तांक नाशिल्लो मनीसच जीव दिता.''

''तें खरें बाबा. पुणून तो खिणूच असो आसता की मनीस फाटलें फुडलें कांयच चिंतना. चिंतपाची शक्तच तो वगडावन बसता.''

''आसूं तें भोंगू, हय गो, आई यल्लम्माईली कसली खबर सांगताली मगो. ती वखद दिता खंय!'' नारायणबाबान मुद्दामच अदमास घेवपाच्यो यत्न केलो.

'हय बाबा.' झरांव फुटिल्ले वरी उलोवंक तोंड उगडिल्लें अनू मदींच थांबलें.

.... खूब जाणांक गुणाक पडलां खंय तें.'

व्हांवतें उदक तळयेंत देंवतकच संथ जावचें तशें निमणीं उतरां तें उलयलें थंडसाणेन. उतरां फाटली उमेद दाखयना आसतना.

'वखद जाय जाल्यार आपल्या घरा, गाबिवाड्यार यो म्हळां तिणें.' कांय वेळान पांयांच्या बोटां कडेन नदरेक खेळयत अनू उलयले.

नारायणबाब कांयच उलयले नात. हुंकारत रावले.

अनूनय फुडें विशय वाडयलो ना.

नारायणबाबाक घुस्मटिल्ले वरी जालें. ते येवन भायर तेळ्यार बसले.

–अनू फाल्यां म्हजेकडेन यल्लमाईच्या वखदाचो विशय घेवन परतें येतलें. कोणाकोणाक तें वखद गुणाक पडलां तें सांगतलें. आपूणय तें घेवन पळयतां म्हूण आडवळपणान सुचयतलें. बशिल्लेकडेन नारायणबाबांक अटळ भविश्य दिसलें.

त्या वेळार हांव ताका नाका म्हूण आडावंक शकतलों ?

नारायणबाबांक प्रस्नाची जाप मेळना जाली. ते चडच अस्वस्थ जाले.

बशिल्लेकडेन हातांत मेळिल्लो वांकडो खिळो ते तेळ्यार फिरयत रावले. कांय वेळान तांचें थंय लक्ष गेलें. तेळ्यार कांय वर्तुळां उदेल्लीं.

वर्तुळां... केंद्रां... परीघ.

तांच्या दोळ्यां मुखार केंद्रां आनी परीघच येवंक लागले.

–आपलो परीघ. अनूलो परीघ.

–आपलें केंद्र अनू. अनूलें केंद्र लग्न.

परीघच परीघ, आपआपलें स्वतंत्र केंद्र आशिल्लें... कांय ल्हान... कांय व्हड.

– ते आपले कडेनूच दीन जावन हांसले.

❑

उपरांत तो इतिहास जातलो : विराज नायक

एल आल्तावोज

रूप, भावना आनी कथन हांचो कुशळटायेन प्रयोग करपा खातीर नामना मेळिल्लो विराज नायक गोंयचो एक नामनेचो चित्रकार. शास्त्रीय तंत्र आनी समकालीन संवेदनशीलतेचो एक वेगळो मेळ घालून ताचो वावर मनशाचे स्थितीची मानसीक आनी भावनीक खोलाय सोदून काडटा. संवसारभरांतल्या प्रतिश्ठीत गॅलरींनी जावपी प्रदर्शनांनी आनी समीक्षक, कला इतिहासकार तशेंच संग्रहकर्त्यां कडल्यान तोखणाय जाल्ल्यान विराज नायकान फिगरेटीव्ह आर्ट, म्हळ्यार अळंकारीक कलेच्या मर्यादेची परत व्याख्या करपाचें काम चालूच दवरलां, जी पळोवप्यांमदीं खोलायेन प्रतिध्वनीत जावपी आकर्शक दृश्य कथा सादर करता.

कुशळ आनी प्रिंट मेकर म्हूण नामना मेळयिल्लो विराज नायक, जलरंग तशेंच ॲक्रिलिक रंगांनी आपल्या चित्रांतल्यान सैमीक आयाम दाखवयता. ताच्या कृतींनी मंत्रमुग्ध करपी आकृतीबंधांचो आस्पाव जाता, जातूंतल्यान ताचें ग्रीक पौराणीक कथांविशींचें आकर्शण दिसून येता आनी त्याच वेळार तातूंत एक वेगळी थळावी गोंयची भावना दिसता, जो ताच्या घटमूट मुळांचो प्रभाव हें स्पश्टपणान जाणवता.

विराज नायकाचो जल्म गोंयांत 1975 वर्सा पेन्य द फ्रांस ह्या गांवांत जालो. 1998 वर्सा ताणें गोवा कॉलेज ऑफ आर्टांतल्यान चित्रकलेंत पदवी मेळयली, आनी उपरांत 2000 वर्सा हैदराबाद विद्यापिठाची पदव्युत्तर पदवी मेळयली. ताणें जायते एकल आनी हेर चित्रकारां वांगडा शो केल्यात. तातूंतले कांय खास उल्लेख करपासारके म्हळ्यार, त्रावणकोर पॅलेस, नवी दिल्ली ; पुंडोले आर्ट गॅलरी, मुंबय; ललित कला अकादेमी, नवी दिल्ली; म्यूजियम गॅलरी, मुंबय; एम्पायर आर्ट आनी श्रायन

गॅलरी, नवी दिल्ली; द ताज बंगाल, कोलकाता; गॅलरी सोल फ्लावर, बँकॉक; गिल्ड गॅलरी, न्यूयॉर्क आदी. 2001 वर्सा ताका संस्कृती मंत्रालयाकडल्यान तरणाटो कलाकार शिश्यवृत्ती मेळ्ळी आनी 2005 वर्सा ताणें नवी दिल्लीच्या अनवंतिका पुरस्कारांत रुप्याचें पदक जिखलें.

दर एका कलाकाराच्या प्रवासाच्या मुळाक एक प्रेरणा खीण आसता. केन्ना अचकीत जाल्यार केन्ना मंद आनी गूढ. ही प्रेरणा सदांच जाणीवपूर्वक वा रोखडीच समजूंक येना, पूण ती एक आकर्शक शक्त म्हूण वावुरता, जी व्यक्तीक सृजनाचे कृतींत ओडून घेता. आपले प्रेरणेविशीं सांगताना तो म्हंटा, ''हजेभीतर सगळ्यांत आदली प्रेरणा गांवच्या जिणे भोंवतणच्या आनी लोकपरंपरे भोंवतणच्या प्रादेशिक संस्कृतीक कार्यावळींनी रुजली. हाका लागून धुंवरान काळी जाल्ले रांदचे कुडीचे वण्टीचेर हांव कोळशान रेखाटन करपाक लागलों.' हे भुरगेपणांतले प्रेरणेन ताका झपाटून उडयलो आनी ताणें चित्रकला हें आपले जिणेचें मिशन करपाचो निश्चेव केलो; आनी हो निश्चेव ताका गोवा कॉलेज ऑफ आर्ट मेरेन घेवन गेलो.

प्रेरणा कलाकाराच्या काळजांत ज्योत पेटयता जाल्यार प्रशिक्षण ते ज्योतीक आकार, आशय आनी दिका दिता. कला म्हाविद्यालय सगळ्या कलाकारांक एकसारके शैलींत घडयना – तांकां विचार करपाक, प्रस्न विचारपाक आनी विकसीत जावपाक तयार करता. कला म्हणल्यार फकत ते कितें तयार करतात तेंच न्हय, तर एक कलाकार संवसार, प्रेक्षक आनी विकसीत जावपी स्वता कडेन कशेतरेन संबंदीत आसता हें शिकयता. कला म्हाविद्यालयांतलें प्रशिक्षण कलाकाराक तयार करपाक परिवर्तनकारी भुमिका करता – फकत तंत्रीक कुशळटाय उदरगतीक हाडपाक न्हय, तर विमर्शीक विचार आनी वेवसायीक शिस्त पोसपाक. प्रतिभा आनी प्रेरणा कला प्रवासाक स्फुरण दिवंक शकता, पूण संरचीत शिक्षण ताका परिष्कृत करता आनी ताका व्हडले इतिहासीक आनी संस्कृतीक चौकटींत दवरता.

गोवा कला महाविद्यालयांतल्या आपल्या अणभवा विशीं उलयतना तो सांगता, 'तें एकदम प्रेरणादायक आशिल्लें, सगळें नवें आशिल्लें. लिथोग्राफी, एचिंग्स आदी उतरां हांवें पयलेच फावट आयकलीं आनी हीं उतरां सामकीं आकर्शक आशिल्लीं. म्हाका तांचो अर्थ कळनाशिल्लो, पूण म्हजी उमळशीक वाडली आनी त्या खाशेलपणांनी सामील जावपाचो हांवें विचार केलो. कॉलेजीचें जिवीत शिक्षणीक आशिल्लें आनी थंय जे जे स्कुल ऑफ आर्ट, शांतिनिकेतन आनी बडोद्याच्या महाराजा सयाजीराव गायकवाड विद्यापीठांतल्यान पदवी आनी अणभव मेळयिल्ले शिक्षक आमकां शिकयताले. तांचो म्हजेर प्रभाव पडलो. थंयच्या वातावरणांत म्हाका अतिरिक्त आवड निर्माण जाल्ल्यान हांव आधुनिकतावादाकडेन पळोवंक लागलों, जो उण्या प्रमाणांत थंय शिकयताले. देखून त्या मळावयले व्हडले मास्टर आनी तांच्यो कलाकृती समजून घेवपाक, तशेंच अतिरिक्त पोर्टफोलियो निर्माण करपाखातीर हांवें यत्न केले.'

कला एक एकांतांतली कृती आसूं येता, पूण कलाकार जावपाचो प्रवास एकसुरेपण सोडून हेर खूबशें आसता. कला शाळेच्या वा सृजनशील संस्थेच्या वण्टीं भितर सहपाठी आनी शिक्षणतज्ञां कडेन जावपी संवाद ही एक बळिश्ट शक्त, जी कलाकाराची नदर, आवाज आनी दिका घडयता. समवयस्क इश्टागती परस चड कितें तरी दितात–ते विंगड विंगड नदर हाडटात, पूर्वकल्पित कल्पनांक आव्हान दितात आनी अनपेक्षीत विचारांक स्फुरण दितात. समिक्षेच्या सत्रांतल्यान, सहकार प्रकल्पांतल्यान वा स्टुडिओ कॉरिडोरांतल्या निमण्या संवादांतल्यान लेगीत कलाकारांक संवसार पळोवपाच्या आनी अर्थ





लावपाच्या वेगवेवेगळ्यो पद्दती उक्ताडार येतात.

दुसरे वटेन, शिक्षणतज्ञ विमर्शीक रचणूक दितात. इतिहासीक संदर्भ, तत्वगिन्यानी चौकट आनी विचार आनी कार्यान्वयन ह्या दोनूय गजालींक धारदार करपी चवकशेची शिस्त हाडटात. विश्लेशण, सैद्धांतिक चर्चा आनी मार्गदर्शना वरवीं ते विद्यार्थ्यांक कलेची भास समजून घेवपाकच न्हय तर ती स्पश्टपणान आनी खात्रीन कशी उलोवंक जाय तें शिकपाक मदत करतात.

विराज नायक सांगता, 'उपचारीक शिक्षणा वांगडा हांवें म्हज्या हेर वर्गांतल्या सहपाठ्या वांगडा अस्तंती कला, भारतांतलो पुरोगामी कलाकार गट म्हळ्यार प्रोग्रेसिव्ह आर्टिस्ट ग्रुप आनी शिक्षणीक पद्दती हांच्या संदर्भांत विमर्शीक संवादांचें आदान-प्रदान केलें. हातूंतल्यान म्हजी पयली प्रेरणा म्हणल्यार एफ. एन. सौझा, आल्ब्रक्त ड्यूरर, लिओनार्दो दा विंची आनी उपरांत हैदराबाद विद्यापिठाच्या सरोजनी नायडू स्कूल ऑफ फायन आर्टांत म्हजो गुरू आशिल्लो के. लक्ष्मा गौड. काळ सरलो, तेप्रमाणें राश्ट्रीय आनी आंतरराश्ट्रीय मंचाचेर व्हड प्रमाणांत सराव करपी कलाकारांकडेन पळोवन हे सुरवेचे प्रभाव समृद्ध जाले.'

खंयच्याय कलाकाराचो वा चित्रकाराचो प्रवास हो एक थारावीक मार्ग न्हय तर काळ, अणभव आनी आत्मनिरीक्षण हांणी आकार दिल्लें, सतत उक्तें जावपी कथन. सुरवातीच्या काळांत कलाकार चड करून तन्न्या भावनांनी आनी वृत्तीन सुरवात करता. दरेक ब्रशस्ट्रोक, ओळ वा हावभाव सोदपाची ताकतिक दवरता. पूण जशीं जशीं वर्सां वतात आनी कलाकार परिपक्व जाता तशें तशें कितें तरी बदलता. तंत्र परिष्कृत जाता, नदर धारदार जाता आनी अभिव्यक्ती चड थारायल्ली आनी हेतान जाता. हे उत्क्रांतींत कला म्हाविद्यालयां आनी मार्गदर्शनाची म्हत्वाची भुमिका आसता. फकत कुशळटाय न्हय तर कला मोट्यान आनी स्पश्टपणान उलोवंक शकता अशी भास आनी संदर्भ प्राप्त जाता.

विराज नायकचो एक चित्रकार म्हूण सुरु जाल्लो प्रवास आयज एक अळंकारीक चित्रकार म्हळ्यार, फिगरेटीव्ह आर्टिस्ट म्हूण उत्क्रांत जाला. अळंकारीक चित्रकार म्हळ्यार शुद्ध अमूर्ततायेंत काम करचे परस वास्तव जगांतल्या आकृतीबंधांचें-खास करून मनशाच्या रुपाचें, पूण जनावरां वा वळखूंक येवपी वस्तूंचें प्रतिनिधित्व करपी कृती तयार करपी कलाकार. देखून मनशाचीं विंगड विंगड स्वरूपांतलीं मुखामळां विराजाच्या चित्रांनी परत परत दिश्टी पडटात. संवसारीक चित्रकलेच्या इतिहासांत व्हिट्रूव्हियन मॅन, मोनालिसा सारकीं गाजिल्लीं चित्रां पितारपी लिओनार्दो दा विंची, अपक्व आनी मानसीक चित्रां खातीर वळखतात तो लुसियान फ्रॉयड, स्वताचीं प्रतिकात्मक पूण अळंकारीक चित्रां रंगोवपी फ्रीडा काहलो, विकृत आकृतीबंध मनशाच्या रुपांत रुजोवपी फ्रांसिस बेकन हांचो आस्पाव जाता. 'हांव अळंकारीक कलाकार, म्हजी कला म्हणल्यार, चड करून अंतर्ज्ञान, समाजीक आनी राजकी प्रभाव. हांवे प्रतिमा वळखुपाक जाय आशिल्ल्या खासा मनशाची प्रत्यक्ष टिप्पणी चित्रीत करूंक सोदीना पूण पळोवप्याखातीर स्वताचे अणभव व्यक्तिगत रितीन सांगपाचो तो अप्रत्यक्ष मार्ग. मनीस हो प्राणी राज्याचो भाग, तीच वृत्ती दर एका मनशान पोसवण आनी उक्ती केल्ली आसता. म्हणल्यार, म्हज्या व्हिज्युअल आत्मचरित्राची ही सगळी पद्दत अजूनय वेव्हारांत आसा,' विराज नायक सांगता.

आपले सद्याचे सृजनशीलतायेचे प्रेरणेक कितें चालना दिता आनी नवें चित्र सुरू करतना आपले प्रक्रियेविशीं तो सांगता, 'हांव स्वताचेर जबरदस्ती करिना. खंयचीय मुक्त व्हांवपी रेखा म्हज्या संमोहित मनाचेर आपलो आकार घेवन अंतर्ज्ञानान प्राणी वृत्ती आनी हुस्को तयार करता. हें कलाकारांचें पडबिंब

म्हूण फाट भुंयेचेर अपवर्तित जाता. तें समाजाक कसलोच संदेश दिना. म्हज्या दृश्य आवाठांतल्यान शेणिल्ल्या पात्रांक निर्धारान आनी समर्पीत पद्दतीन चित्रीत करपाखातीर मानसीक स्थिरतायेन समजून घेवपाचो यत्न हांव करतां. हाका लागून प्राणी-मनशाचे वागणुकेच्या भायल्या प्रभावांतल्यान स्वताक समजूं येता.'

पूण अशें करतना केन्ना केन्नाय 'रायटर्स ब्लॉक' म्हणटात तशी परिस्थिती जावन बरेच फावट सर्जनशीलतायेंत खण्ड पडूं येता काय? वा प्रयोगशीलतायेंत बादा येवंक शकता काय? ह्या प्रस्नाची जाप दितना तो एक वेगळोच विचार मांडटा. 'हांव दर एक दिसा सराव करतां. हांव ब्लॉक, आव्हानां, प्रयोग, प्रभाव आदी उतरां मान्य करिना, कारण हांव दिसपट्ट्या वेव्हारांत स्वता व्हांवता.ती विचारांची कागदाचेर वा मनाचेर प्रक्रिया आसूं येता, जे परीन शिरांनी फकत रगत व्हांवता, जाचे बगर हांव जियेवंक शकना. कामाचो निमाणो परिणाम फकत एक भायलें आवरण आसता, जें भोंवतणच्या वातावरणाप्रमाणें फीकें पडूं येता आनी बदलूं येता.'

कला अभिव्यक्ती आनी वेवसायीक कार्यक्षमताय हांचे मदीं समतोल दवरप हें कलाकारामुखावयलें एक सदचें आनी किचकटींतचें आव्हान. हो ताण म्हळ्यार फकत अर्थीक वा वेवसायीक दुविधा न्हय-तो चड करून कलाकाराची अस्मिताय आनी प्रामाणीकपणाचेर लेगीत घाय करता. पूण वेवसायिक येस आनी सृजनशीलताय हांचे मदलो संघर्श हो एक दोश न्हय-तो एक काम करीत रावपी कलाकाराचो एक अंतर्गत वांटो, विराज सांगता, 'कसलेय परिस्थितींत जियेवपाची गरज आसा हें म्हाका समजता. म्हाका वारसाहक्कान मेळिल्लो कसलोच अर्थीक आदार ना. उरफाटें, कुटुंबातल्या पांच वांगड्यांक आदार दिवचो पडटा. चित्रकलेच्या मळार म्हजो प्रवेश सगळेंच आपशींच जाल्ल्यान, म्हाका दिसता, ती पद्दतच जिणेंत निर्माण जाल्ल्यो समस्या सोडोवपाच्या सगळ्या तरांच्या परिणामांची चावी. म्हाका याद आसा, फामाद कलाकार अकबर पदमसी कडेन हांवें संवाद सादलो तेन्ना ताणें म्हाका म्हणलें, 'सगले नेम मोडून तुमकां नवें मेळटलें' (हो कलाकार जावपाचो गुरू मंत्र). हांगा हांव मनीस समाजाच्या नेमाचो उल्लेख करीना. चित्रकलेचे पारखी, गॅलरीस्ट, मिडिया आनी कला संग्रहकर्त्यांनी म्हाका वेवसायीक कार्यक्षमताय दिल्या. हें म्हज्या वावराक म्हज्या समर्पणाक लागून जालें आनी हेर सगळें ताच्या फाटोफाट आयलें.'

आयज विराज नायकाक ताचे आगळे शैलीक लागून संवसारभर नामना फाव जाल्या. काळाप्रमाणें आपली स्वताची एक वेगळी शैली कशी निर्माण जाली हांचेविशीं उलयतना तो म्हणटा, 'जशें हांवें आदीं सांगलां, म्हजीं कामां म्हळ्यार दृश्य आत्मचरित्र. हांव शैलीचो विचार करिना आनी एके खाशेले दिशेन वचपाखातीर स्वताचेर दबाव हाडीना. म्हजीं चित्रां पळोवपी प्रेक्षक, 'तीं विराजाचीं', अशें म्हणटात. म्हणल्यार हें एक सतत सराव करून स्वता तयार केल्लें काम, जें म्हजे खातीर उलयता. एक व्हिज्युअल आर्टिस्ट म्हूण म्हजीं कामां समजावपा खातीर म्हाका बोवाळ करचो पडना. पळोवपी लोकांनी तीं मान्य करप ही तांची निवड. सद्या जें करपाक जाय तें हांव तयार करतां आनी उपरांत तो इतिहास जातलो.'

प्रतीकवाद, सहानुभूती, समिक्षा आनी पौराणीक कथा हांचेवरवीं अनेक चित्रकारांनी मनीस आनी प्राणी हांचेमदल्या शिमांची सतत नवी व्याख्या केल्या. हें प्रतिनिधीत्व स्थलांतरीत वृत्तीचें पडबिम्ब दाखयता, जें आदरपूर्ण, शोशणात्मक, मोगाळ वा तत्वगिन्यानी आसूं येता आनी तें प्रतिनिधित्व जिणेच्या जाळांतले आमचे सुवातेर परत विचार करपाक आव्हान दिता. विराज नायकाची चित्रकला

वैश्विक. स्वातंत्र्य आडावपी समाजीक मर्यादा, परिस्थिती आनी वेवस्था, सक्तीन लायिल्ल्यो संवयो आनी जिणेची पद्दत. ती सदांच गूढ. देखून सगळ्या उत्कृश्ट कलाकारां प्रमाणें तो लेगीत अर्थ लावपाचें काम पळोवप्याचेर सोडटा.

❑

परदेशी

फादर चेतन लोबो

''हाव तुका विसरन तर, (जेरुजलेम), म्हजो उजवो हात घट जावं (कीर्तन 137...4)

''तिनशीं सत्तर आनी तीन दीस..'' वॉचाक पळोवन उदगारलें अनिता.

वरां रातचीं धा वाजून पंचवीस मिनटां जालीं. आकासार चंद्रेम शीतळ पूर्ण प्रसारून सोबतालो. फालक्यांतल्या पायन आनी ओलीव रुखां संगीं चंद्राच्या किर्णांनी आपालिपा खेळ आरंभ केला तसो दिसतालो. घरच्या टेरेसा थावन दिसच्या दृश्याक अनिताचें मन पिसवलें.

कितलें सोबीत! तें हुसकारलें. भायल्यान इतलें सोबीत दिसचें हें शार भितरल्यानूय तितलेंच सोबीत आशिल्लें तर.... एक लांब सुवास सोडलो ताणें.

नितळ आकासार, तीन चार विमानां लागशिल्या फ्यूमिचिनो आनी चांपिलो विमानळार देंवूंक तयाराय करून आशिल्लीं. फ्यूमिचिनो धावन सुटिल्लें एक विमान वेग आरावन[१] तकले वयल्यान पाशार जातना प्रयत्ना विणें अनिताचो हात विमानाक आदेवस मागचे भशेन वयर गेलो. गांवाक भायर सरलें जायचे... आपणा इतल्याक उलयलें तें, दोळां खांचींनी भरिल्लीं दुकां पुसून.

ह्या शाराक पांय दवरिल्ले उपरांत ही ताची सदांची दीसपटी न्हाय आशिल्ली तरी, कितले पावटीं अशें मळबाक दिश्ट घाल्ली म्हळ्ळ्याचें लेख ताचें लागींच नाशिल्लें.

तें शार, सगळ्या संवसाराक मोगाचें शार, पवित्र शार, सुच्यो बुडनासलें शार, क्रिस्ती काथोलीक समडतीचो[२] मायगांव... आनी हेर विशेशणां घेवन फामाद जाल्लें.

अस्तंतीचें सेम!! इटलीचे राजशार

ह्या शाराक पांय तेंकिल्ले दिसा धावन अनिताक सुशेग नाशिल्लो. कारण सोंपेंच, हेर लोक, प्रवाशी, भक्तीक, यात्रीक, सोयरे म्हळ्ळ्यां नांवान ह्या शारा भितर रिगतना, अनिता 'हावसमेड' म्हळ्ळ्या नांवान आयिल्लें!!

.... आयिल्लें न्हय, परिस्थितीन ताका येशें केल्लें...

बी.ए. सनद उंचल्या अंकांनी न्हय तरी, धारायिल्ले अवधे भितर सोंपोवन कामाचे बोंटेक[3] लागिल्ल्या अनिताक मेळिल्ल्यो जापी जडटाव ह्योच : ''रँक मेळिल्लींच आतां शिंवणे काम वा आया काम करतात...''

येदोळूच यशुरोपांत उंचल्या कामार आशिल्ल्या अनिताच्या अंकलान राखण भडव्या परीं अनिताक जोखतें काम भासावन आपले कंपनीच्या बॉसा तर्फेन, फॅमिली विसाचेर व्हरून फ्यूमिचिनो विमानथळार देंवयिल्लें त्या दिसा अनिताचें आंग निजायकी मिरमिरिल्लें, रोमाच्या विपरीत हिंवाक लागून मात न्हय, ह्या शारा फाटल्यान आसच्या विशेशणांक लागून.

काम खंयचें जाल्यारूय कितें फरक पडदा? सांबाळ[4] बरा मेळटो ने? अंकलान ताका बूद बाळ सांगिल्ली, एकलेंच घरा भायर वचनाका म्हळ्ळी जागोवणीय दिल्ली.

अनिताचें जोखतें काम ताच्या अंकलाच्या बॉसाच्या नव्वद वर्सांच्या एकसुऱ्या बापायची चाकरी करची. इटलींत पिरायेस्त आवय बापांयक आपले उतार पिरायेर भुरग्यां सांगाता जियेवचें भाग नाशिल्लें!!

अंकलाचें उंचलें कामूस ह्याच वर्गाचें जावन आशिल्लें.

अनिताक अंकलाचेर विपरीत राग आशिल्लो, फट मारून आपोवन हाडिल्ले खातीर.

नव्या शाराचो अनभोग अनिताक रोमाक पांय दवरिल्ल्या दिसाच जाल्लो. अनिताक एके सुवातेर रावोवन, टॉयलेटाक गेल्लो अंकल फाटीं पावजे तर, अनिता आपल्या साटले पोटलें संगीं नपंयच जाल्लें!! ऍरपोर्ट पुलिसांनी ताका आपोवन व्हरून ऑफिसांत बसयिल्लें. तांणी इतालियन भाशेंत उलयिल्लें कितेंच ताका समजलें ना.

ऑफिसा थावन भायर येतना अंकल उलयलो, ठगोरी कात युरोपियनांची, काळी कात आफ्रिकनांची. पूण इतालियन पुलिसांक आमची कात चड मोगाची, शीदा व्हरून भितर कुडायतात,[5] कारण नासतनाच...''

ऍरपोर्टात विशेश गर्दी नाशिल्ली. भायर टॅक्सीचेर बसतना अंकलान आन्येक जागोवण दिली, तुज्यो वस्तू सांबाळ, पिक पॉकेटींगाच्यो धोशी आसात.

प्रयत्ना विणें अनिताचो हात बगलेक गेलो. खांदाक हुमकाळायिल्लें वॅनिटी बॅग नपंयच जाल्लें. बॅगांतल्या पॉकटींत मुंबंयत चेंज केल्ले शंबर युरो आशिल्ले.

अनिता रडलेंच !!

''नव्या शाराक पांय दवरिल्ले फरा रडचें न्हय, हें सक्कड सदांचें'' अंकल सत उलयतालो.

त्या पवित्र शारांत हरेकल्याच्या तोंडार दुबावाचो धुंवरूच आशिल्लो. आपल्या बोल्सांचे सुरक्षितायेची खात्री करुनूच हरेकलो परक्यां लागीं उलयतालो. थोडे हेरा लागीं उलोवंकूच भियेताले !!

..एका आयतारा, वातिकानाच्या सां पेद्रूच्या आंगणांत पापसायबाचे आमोरींत भाग घेवंक गेल्ल्या अनिताक, लोका जम्यांत मायगांवच्या एका जोड्याक पळोवन, पापसायबाक पळोवची उरबा न्हिवून गेली. ''तुमी इंडियाचीं?'' अनितान स्त्रियेक सवाल केलें.

''व्हय, व्हय, आमी हैदराबादचीं''.. स्त्री उरबेस्त जाली, ''युरोपाचे भोंवडेक आयल्यांव...''

तितल्यार त्या दादल्याची दिश्ट अनिताचेर पडली, ''नो, नो, वी आर नोट इंडियन्स'' कोडकारा थावन पयस सरचे परी स्त्रियेचो हात धरून ओडून पयस सरलो तो.

कारण उपरांत समजलें अनिताक टूर वेवस्थापकांनी, लोकाच्या तकलेंनी एक फटकिरी गजाल खंचयिल्ली, ''रोमांतले भारतीय, प्रवाशी भारतीयांक आनी हेरांक कुमक[6] करच्या निबान ठकयतात[7]'' म्हळ्ळें,

अनितान काम करच्या जैत बांदपांत[8] लगभग चाळीस फ्लॅटां आशिल्लीं. ह्या चाळीस फ्लॅटांनी आशिल्लीं फकत तेगां परदेशी. ऍस्त्रा कोमुनितारी इतालियन सरकारान हांकां दिल्लें नांव. हेर दोगां फिलिपिनो. कात गोरी म्हळ्ळे खातिरूय तांकां रियायत नाशिल्ली. परदेशी म्हळ्ळे खातिरूच तेगांयनी येदोळूच तीन पावटीं पुलिसांचो सतकार चाकिल्लो.

बांदपाच्या खंयच्याय फ्लॅटांत चोरी जाल्यार, पुलिसांची पयली दिश्ट पडची हांचेर, कारण, एस्त्रा कोमुनितारी – परदेशी.

अनिताक आपल्याच बांदपाच्या चवथ्या माळयेर आसच्या फिलिपिनो आमेलियाची वळख एका म्हयन्यानूच जाल्ली. आमेलिया हफ्त्याच्या सुटये दिसा नपंयच जातालें. दोन तीन पावटीं ताका वेगवेगळ्या दादल्यां संगीं बांदपा सकयल पळयिल्लें अनितान. हे विशीं विचारिल्ल्याक ताची जाप मार्मीक जावन आशिल्ली.

हो परगांव. हांगा कोणाचें भें? पळोवचीं कोण आसात? तशें पळोवंक गेल्यार गांवाक फाटीं वेतना परगांवांत कितें केलें म्हण कोण विचारता? बदलाक कितें हाडलां म्हण विचारतात.

त्या दीस थावन अनितान आमेलियाचो सांगात सोडिल्लो,

एका काळाचें पवित्र शार आज कितलें कमर्शियल जालां म्हळ्ळ्ळ्याचो अंदाज अनिताक वेगींच जाल्लो. रोमा शारांत दुबळ्या आनी मध्यम वर्गाच्या लोकाक जियेवंक बिलकूल साध्य नाशिल्लें. संवसाराचें भोव म्हारगायेचें शार जावचे वाटेर आशिल्लें रोमा शार!!

हो वेपारी सभाव समडतिकूय सोडून नाशिल्लो.

वातिकाना भोंवतीं पवित्र वस्तू, कोंतां, पिंतुरां, रेलिको, पापाल बेसांवांची विक्रो भरान चलतालो.

आयिल्ले सुरवेर आमेलिया सांगाता पवित्र वस्तू विकच्या एका दुकानाक गेल्लें अनिता. लोका मोगाळ सांताची एक ल्हानशी रेलीक ताणे ं मोलायली. मोल आयकून दुकानाचीं मेटां देंवून दुसऱ्या दुकाना भितर सरलीं. दोन चार दुकानां भोंवले उपरांत कळ्ळें की तेच रेलिकेक वेगवेगळ्या दुकानांनी वेगवेगळें मोल आशिल्लें.

येदोळ मेरेन ओगेंच आशिल्लें आमेलिया हासून म्हणालें, ''आठशीं वर्सा आदल्या सांताच्या लोबाची रेलीक आज पर्यंत विकूंक जाय तर, सांता लागीं उण्यार उणे शंबर लोब तरी आशिल्ले कोण्णा. हांगाचीं कोणूय हे रेलिके फाटल्यान वचनात. हो रोमाच्या वहिवाटाचो एक वांटो.''

त्या दिसा आपल्या विळासाक आयिल्लें एक पत्र पळोवन तें अजापलें.

उकतें करून वाचतना ताका संतोसान उडी मारुंयाशें भोगलें रोमांतल्या गांवकारांच्या सहमिलनाक ताका आपोवणें आयिल्लें. तांकां आपणाचो विळास कसो मेळ्ळो, कोणे दिलो हें एक नवलूच दिसलें अनिताक.

सहमिलनाचे आदले रातीं ताका न्हिदूच पडली ना.

त्या आयतारा सकाळीं वेवेगीं काम तिरसून[9] बरें न्हेसून सहमिलनाक पावलें. एका नव्या संवसाराक

पांय दवरिल्ले भशेन लांब सुवास घेतलो ताणे. आपणाची माय भास आयकून ताचें काळीज संतोसान उडलें. साबार गांवकार भाव भयणी ताचे लागीं उलयलीं.

साबार तेंपा उपरांत माय भाशेन मीस आयकलें.

मिसा वेळार एक विशय ताच्या गुमानाक गेलो आशिल्ल्यां पैकी व्हड संखो याजकांचो. सिस्टरांचो संखोय उणो नाशिल्लो.

सहमिलनाचो सुरविलो वांटो एकामेकाची वळख करची... एका पोंता थावन आरंभ जालें..

''हांव फादर... गांवान... चो, बायबलांत डॉक्टरेट करून आसां.''

''हांव सिस्टर... गांवान... चीं, ग्रॅगोरियनांत लायसनशियेट करतां.''

वळख अशीच मुखारली.

अनिताची सर्ती येतना, उबे रावूक ताका कितेशें भोगलें.

''हांव अनिता... गांवान.. चीं, घरकाम करतां.....''

उपरांतल्या कार्यक्रमा वेळार अनिता एकसुरेंच उरलें. चड लोक ताचे कुशीन घुंवलो ना!!

फाटीं वेतना, नव्यान वळख जाल्लें, ताचे बरीच घर काम करच्या आयरिनान ताका समजायलें, ''तू कित्याक सत सांगूंक गेल्लेंय, ऑफिसांत काम करतां म्हळ्ळेंय तर व्हड पातक आदारतेंय?''

पूण अनितान निर्धार करून जाल्लो, ''आयरी, आनी मुखार हांव असल्या सहमिलनांक पांय दवरचीं ना.''

आज आपूण चड एकसुरेशें भोगलें ताका.

ताचें एकसुरपण दिसान दीस चडुनूच गेलें.

मायगांवचो उगडास खळनासतना आयलो तें स्वतंत्र वातावरण, एकामेकाक वळखूंचें मनशापण, शांती समाधानान वांटून जेवचो नीस पेज.... हजार आनी एक बन्यि संगती[10] उगडासाक आयल्यो ताका.

पयशे एक न्हय तर, कोण हुंगतो आशिल्लो ह्या परगांवाक. आमगेर सर्व आसा, पयशे एक सोडून. हांगासर पयशे मात आसात, हेर कितेंच ना..

तकले वयल्यान पाशार जाल्ल्या आन्येक विमानाच्या आवाजाक अनिता वास्तवाक फाटीं आयलें.

वॉचाचे कांटे रातीचीं साडे इकरा दाखयतालीं.

एक हजार अयशीं आनी सात दीस.. तें गुणगुणलें, चार वर्षांचें काँट्राक्ट अखेर जावंक.

उजळ्च्या चंद्राक एक घडीभर तदेक[11] नदरेन पळयिल्ल्या ताका इस्कोलांत वाचिल्ली ''कैद्याची'' कविता उगडासाक आयली :

मसर[12] जाता तुजो चंद्रेमा भोंवताय संवसारभर हरेके रातीं आशेतां घडायेचे एके दिश्टीक सोबीत म्हज्या मायगांवा खातीर.

❑

---

1. आराय – एकठांय, जमय
2. समडत (स.मडत) – भावार्थ, धर्म
3. बोंटेक – शिकाराक (हांगा कामाचे सोदनेर हाय अर्थान)

4. सांबाळ – पगार, पाग
5. कुडाय– अटक कर, बंदखणींत घाल
6. कुमक – आदार, मजत
7. ठकय – फटय
8. जैत बांदप – व्हडलें बांदप
9. तिरसि – सोंपय
10. संगत – गजाल
11. तदेक – एकाग्रत, केंद्रीत
12. मसर – मत्सर, दुस्वास

सौंदर्यवती

विजया नवीन शेळडेकार

Believe you can and you will.

''पापा म्हाका इंजिनीयर जावपाचें आसा'' नेहा परत परत आपल्या पालकांक पटोवन दिवपाचो यत्न करतालें. पूण कोणच ताजीं उतरां कानां मनार घेवंक तयार नाशिल्लीं.

दिसान दिस ताजेकडेन दर एकटो दुर्लक्ष करता. हें तर ताका मनांतल्यान पटुंक लागिल्लें.

पूण करतलें कितें!? आवय बापायचें आयकले बगर दुसरो पर्याय नाशिल्लो.

निमाणें आपली इत्सा अशीच उरतली.

''हांकां कोणाक म्हजें कांयच पडून वचुना.'' अशें निश्चीत जातकच. तांणें आपल्या काकाच्या कानार ही गजाल घाली. आनी तें जैतीवंत जालें.

काका गडगंज सगळेच बाबतींत.

''तुमी ताजो कॅरीअर वाट लावची ना. ताका जाय तें मळ गांठुनी.''

नेहाक नवी पांखा मेळ्ळी. तें मळबांत उडुंक लागलें. काकाच्या उतराच्या पेजाक लागून नेहा इंजिनीयर जालेंच.

खरें म्हणल्यार सगळ्यांक खोस जावंक जाय आशिल्ली पूण तशें जालें ना.

''हें आनी नावाडगें इंजिनीयर जावंक फुर फुरलें. कितें दिवे लायतलें कोणाक खबर?''

''आमकां सोबता तेंच करूंक जाय''

''हीं आयची भुरगीं चडच सुदारल्यांत, नांवा काडटात.''

''हय, दादल्याची बरोबरी करपाक सोदतात.''

कांय घरांतले ओगी रावन समंती दिताले. घरांतल्या बायलांची मात तोंडाची वाफ कशीच थांबली ना.

''कर्माक घेतात इतलें शिकप. फाल्यां परां लग्न जालें म्हणटकच सगळें मिठा मारून दवरपाचें नेहाचे मन विरूस जालें. इतलें शिकप घेतलें तरी सगळें उमथे कळशार उदक.''

''खंय आसा ह्या लोकांची मानसिकता?''

''अशीं कशीं हीं इतलीं अळणीं?'

घरांतल्या कांय जाणांनी ताका कुंडेकुस्तुराची वागणूक दिवपाचो यत्न केलो.

''इतले शिकप फुकट, पयशे उदकांत वडोवप.''

बायलांचे तोमणे, खुटले खायत नेहान आपल्याक पोस्ट मेळटा थंय 'एप्लाय' करपाक सुरू केलें.

'पूण नो रिप्लाय' अशें जावंक लागलें. केदें 'चॅलेज' घेवन ह्यो कांय चलयो आपल्या स्वबळार फुडें वतात. पूण कात्रींत सांपडटात. कश्ट घेतिल्ले सगळे फुकट वतात काय, अशेंय जायते जाणांक दिसता. कांय निर्शेतात. नेहान यत्न चालु दवरले.

''आपल्या मनशांचो सहकार मेळ्ळो ना.''

घरच्या मनशानी ताजे मन वळोवपाचो यत्न केलो.

''आगो काय बरें सुंदर दिसता तुमचें नेहा. खूब शिकलां खंय, न्हय?''

''आमच्या नरेशाक सोबून दिसताशिल्लें.''

''केन्ना करता गे नेहाचें लग्न?''

''नेहाच्या मनांचो विचार, ताजे हावेसा सगळे घरच्या आनी शेजाऱ्या पाजाऱ्यांनी विरजण लावन वडयलें.''

समाज मानसिक छळ कसो करता ताजें बेस उदाहरण.

''आयकून कानांर केंस काडप.''

''चलयेक स्वताचे संकल्पाचेर ठाम रावंक दिवप ना.''

''नेहाच्या मनाची तिच अवस्था जाली.''

''कोणाक सांगु, कितें? कशें?'' येवजीता येवजीता कांय वर्सा सहज धांवली.

''आगो नेहाचें लग्न केन्ना करपाक रावलां?''

''पळया, आतांच्यो ह्यो चलयो गर्रर करून वाडटात.''

''ओदुंच जमता जाल्यार पळयतलें ''

''हांवे चलो पळयला ताका तुमचें नेहा पसंत आसा.''

''ताजी आवय तुमचे चलयेच्यो तोखणायो सांगता. तुमचे नेहाची गोरपाण, लांब केस, सौंदर्य... खरें तर 'ब्युटी क्वीन' जावपाची.''

''हय, खरें तुमचें. ''

पूण इतली बरी सोबीताय, मागणी... ताका सट्कन 'हयकार' दिना तर फुडें कोण वासपुशेक येवचो ना.

''हय नेहा आयकुवपाक तयार ना. मातशें राव म्हणटा आपल्याक इंजिनीयरच चलो जाय म्हणटा.''

''आगे ताका इंजिनेर खंय सोदपाचो?''

''कोण सोदून हाडटलो खंय ताका?'' शेजारी, सोयरी, आपली घरांतलीय ताज्या लग्नाक नेटान 'हयकार' सोदपाच्या उपक्रमांत लागिल्लीं.

''केन्ना एकदा नेहान 'हां' म्हणल्यार पूरो. फट्कन लग्न करून मेकळी जाता'' असो तांचो सूर आशिल्लो.

''ताजे परस चड मार्कानी पास जाल्लो! हो बाये कसलो कायदो? काय अट?''

''कितें म्हणपाचें ह्या आयच्या चलयांक? सुदारल्यांत खंय न्हय हीं?''

घरांतलें, लागसारच्या वातावरणाच्या विळख्यात नेहा हाराच्या विळख्यावरी सांपडिल्लें. झाडाक विळखो मारचो आनी ताजे हावेस मातये भरवण जावन वच्चे.!? !?

''कितें करचें? फडफडत नेहा दिस सारतालें. पूण तारूं तडीक लागपाची मातुय चिन्हा दिसना शिल्लीं.''

''फकत वादळ, सुमार भायर वारें आनी पावस, व्हडली व्हडलीं ल्हारां पिसाविल्लेवरी ताज्या कुडीचेर आपटताली. प्रचंड कुपां तकलेर आपटतात अशें दिसत पसून तें बुचकळ्यांत पडिल्लें.''

आवयक चिंता जाल्ली लग्नाची आनी नेहा फकत आंखतालें 'फुडार' रियल इस्टेट... हांव घरां, बिल्डीगो बांदतलें. आमचें स्वताचें घर उबारतलें.

अशा ह्या सपनांतल्या गांवांतले वाटेंतल्यान चलतना प्रथमेशा कडेन ताजी वळख जाली. मॉडर्न विचारांचो, बायलांक फुडें सरपाक तेंको दिवपी अशें ठाम मत जालें.

कामाच्या निमतान एकामेकाक मेळप जालें. आनी एक दीस ताका धतरेर आपटलें अशें दिसलें.

दोगांय हॉटेलांत बशिल्लीं. जेवण येवंक मातसो कळाव जालो.

''घरांतल्या बायलांनी रांदपाचो आपलो मूळ उद्दोग सोडला म्हूण असो हॉटेलांनी वेळ फुकट वगडावचो पट्टा.''

''कितें?'' म्हणलें नेहान.

''आज तुवें ना जाल्यार हांवे घरचें जेवण हाडिल्लें तर अशें....''

''पूरो पूरो, समजलें नेहा उलयलें.''

''सकाळीं उठून तुवें स्वता जेवण करूंनुय हाडुं येतालें.'' नेहान स्पश्ट सांगलें.

''तें तुमचें बांयलांचें काम.'' प्रथमेशान आपलें मन उकतें केलें.

''तुजें हें मत मात, म्हाका मातुय बरोबर दिसना.''

''कित्याक, पिळग्यांच्यो पिळग्यो हेंच तुमकां जमला हेर फिल्डांनी येवन बेठेच नखरे दाखोवन वतात.''

''इतल्या बायलांचो त्याग म्हणल्यार तुका खेळ दिसता.?''

''आरे! तुमचे कांय जणांची मानसिकता तशीच वृतीच तशी... गुन्यांव ना तुमचो. मुळावणच तशें पडलां.'' नेहा उलयतालें तें आयकून प्रथमेशाच्या उतरांचो तोल सुटलो.

''तुका कितें आपुण इंजिनीयर जालें म्हूण जग जिकलें अशें दिसता? तुमका खरी तकली ना. खंयच्याय कामांत दादल्यांची गरज पडटाच.''

जेवण येवचें आदिच प्रथमेश तरा तरा करून उठून गेलो. नेहा बसुन रावलें. जेवलें, दोगांयचे पयशे दिवंनुय शांतपणान मन स्थीर दवरपाचें चिंतत रावलें.

दुसरे दिसा अजापाची घडणूक घडली. प्रथमेशाचो इश्ट नेहाक अकस्मात घरा मेळपाक आयलो. सरळ येवन नेहाच्या आवयक लेक्चर झोडून गेलो.

कितें समजता तुमचे नेहा स्वताक. हें पळयात ताका बेगीन लग्न करात. ना तर तें फकाण जातलें. चलयांक असलीं कामां जमनात.

''हय जाणा रे बाबा. पूण आयची हीं भुरगीं आवय बापायचें खंय आयकतात?''

''सगळे जाणाचो विरोध... आनी तातूंत उज्यांत पेत्रोल घालुंक हो आयला?'' नेहान मनांत म्हणलें. सपणार ताका काका उबो दिसलो. घडिल्ली घडणूक काकाक सांगून तें मेकळें जालें...

'अशें बरें आसा' म्हणलें काकान. सडसडीत भितर गेले. प्रथमेशालो इश्ट नेटान आपल्यो व्हडल्यो बढायो मारतालो. जणू आपणें हें जग जिकलां अशेंच तो भासयतालो.

''तूं प्रथमेशालो इश्ट, तुज्या बापायक वळखता हांव. पूण तो अशा विचाराचो न्हय. तूं सुदारला, मॉर्डन म्हणटा. हें कितें उलयता.''

'तशें न्हय' म्हणत तो बेगी बेगीन उठलो, आनी मातशें काम आसा म्हूण सटकलो.

नेहाच्या आवयकुय बरो समज दिलो.

''नव्या विचारांची ही पिळगी. तुमी त्या चल्याच्या विचारांक, म्हणण्याक सारें, उदक घालता. ह्या आमचे अपुरबायेचे चलयेच्या म्हणण्याक मातये भरवण करून ताज्या आत्मविश्वासाक वेर हाडटा?''

''मतींत दवरात एकदां हारसो फुटलो तो परत जोडप जावचो ना. लग्नाचो विशय कुशीक दवरया. ताका जाय तें करूंनी ताजे इत्से प्रमाण हांव घेतां ताजी सगळी जापसालकी.''

नेहा काकाच्या तोडांक पळयत उरलें. ताजे हावेस वाडले.

'निदान काकाच्या अभिमाना खातीर कितेंय तरी करचेंच पडटलें.' तांणे सामके मनांतल्यान थारायलें.

Some people want it to happen, some wish it would happen, others make it happen.

सगळ्याची बारीकसाण घेवन आपली बुन्याद घट करपाक नेहान यत्न सुरू केले. आपले कॅरिअराची पूराय बांदावळ बांदून घेतली. एक एक पावल न चूकता घालपाचें थारायलें. कश्ट करीत रातीचे दीस करून धडपडत रावलें.

''हीं आयचीं... नव्यो चलयो बेट्योच! येध्यो येद्यो डिग्री घेवन रडत बसतात.''

''खरें, डिग्री काडून उज्याक लायतात.'' अशें तरेची तोकासावांची उतरां आयकली तरी नेहा मातुय हाललें ना.''

''नैराश्य कशें हाडचें, दुसऱ्याची 'मोरल' कशी 'डावन' करची हें काय आपल्या मनशांक कोणे शिकोवपाची गरज पडना.'' मनांतल्यान खंतीची मूळां नेहान हुमटून काडली.

नेहा आतां चड आनी चडच नेटान वेले सपणाचेर चडपाचे यत्नात रावलें. अदी मदीं.. आगो सुंदऱ्या तुका मागणी घाल्या त्या नरेंद्रान... आतां पूरो तुजी तीं कॅरीअराची नाटकां, नेहान मात पळयतां.... पळयतां.... सांगता... दिस धुकलत व्हेले. म्हयने आनी वर्सांय अशींच गेली.

नेहान एका खात्यांत अभियंत्याच्या पदाचेर बसलें. पगारूय बरो, उंचेलो पांवडो, हेर वेळांत आपलें बांदकाम, घरां, बंगले बांदपाचे येवजणेत मुखारूय पावलें.

अशे वेळार सगळ्यांची तोडां तांणे स्वता जावन शिंवली.

''पापा इंजिनीयर आनी फुडें कितें करपाचें तें थारायलां हांवे. पूण एक हांव लग्न जावचें ना.''

''कितें लग्न जावचें ना?''

''ही आनी कसलीं पिशेपणा !?'' पापा आनी मम्मा उद्गारली.

''नेहा लग्न जावचें ना म्हणटा.'' घे... सगळ्याक फां फां जालें. वता थंय कार्यावळी, लग्नां, समारंभानी व्हडलें 'गुन्यावकारी' दंड भरपाक तयार राव अशें तरेन कांय जाणाच्यो नदरो गिळपाक तयारूय दिसल्यो.

एक एक वर्स म्हणल्यार खोर्नात उंडे भाजचे तशे ताजे हावेसाक दागताले लासताले. देखूनच 'आपुण एकटें पडलां' अशेंय ताका दिसतालें.

Don't watch the clock. Do what it does. Keep going.

'लग्न' ह्या बंधनाक अडकूवचे बदला, म्हाका जाय जाल्यार भुरग्याक पोसकें घेतलें. ताजें हें म्हणणे तर पटलेंच ना कोणाक.

''दुसऱ्या रगताचो भुरगो? ना नांव, ना गांव, खंयची कोण, कोणाली भुरगीं आमच्या घरांत.''

'स्त्री मुक्ती' बायलो मळबांत पाखांटे लावन उडटात.' हाचें उत्तम उदारण म्हळ्यार 'नेहा'.

'ह्यो इतल्यो बायलो आप आपल्या मळार 'नामना' मेळोवक फुडें सरल्यो. इत्सा बाळगुन ध्येय गांठूक धांवल्यो तांकां 'आडमेळी' आयिल्लीं आसतली. पांयानी तीं चेमणां मारीत पांयाक तोपिल्या कांट्यानी रक्तान माखत अशेंच मानसिक, सामाजीक, कौटुंबीक 'वज्रघात' सोशीत काबीज केलां आसतलें 'ध्येय'.

''म्हाकाय तशेंच... सुंदरताय 'मनांची दाखयत' सौंदर्यवतींची पदवी घेवपाक मनां काळजाची नितळ, निवळ 'उंचाय' खरेपणान तिगोवपाची आसा. हेंच तर म्हजें ध्येय 'सौंदर्यवती' म्हणत गुणगुणत, मुमुरखें हांसलें नेहा.

❑

कार्लोस मारिया दुमिंगेज : पुस्तकां आनी शिमां मदलें जिवीत

शैलेन्द्र मेहता



पुस्तकां आनी यादींची नाजूक शाल विणपी, ब्युएनॉस आयरेसांत जल्मल्लो कार्लोस मारिया दुमिंगेज लॅटीन अमेरिकेंतलो एक आकर्शक साहित्यीक आवाज. पत्रकार, समिक्षक आनी लेखक आशिल्ल्या दुमिंगेजान पुस्तकां, यादी, निर्वासितपण, कल्पना आनी वास्तव हांचेमदले धूसर शिमेचेर बारीकसाणीन केल्ल्या ध्यानान समकालीन स्पॅनिश भाशेच्या साहित्यांत म्हत्वाची सुवात मेळयल्या. आंतरराश्ट्रीय पांवड्यार ताची नामना घडये 'द हावस ऑफ पेपर' (ला कासा द पापेल) हे कादंबरी खातीर आसली तरी ताच्या साहित्यीक वावरांत जायत्या प्रकारांचो आनी विशयांचो आस्पाव जाता. पुस्तकांचो तीव्र मोग आनी अशांत संवसारांतली तांची विशादपूर्ण जागृताय हो ताच्या साहित्यांतलो म्हत्त्वाचो घटक.

ताचो जल्म राजकी नदरेन अस्थिर आशिल्ल्या आर्जेन्टिनांत जालो. हुकूमशाय आनी लोकशाय हांचे मदीं धोलपी देशाच्या किचकटीच्या वास्तवांत ताचीं सुर्वेचीं वर्सां गेल्लीं. आर्जेन्टिना आनी उरुग्वायच्या दिसाळीं आनी नेमाळ्यांनी योगदान दिवन पत्रकार म्हूण ताणें आपले कारकिर्दीची सुरवात केली. उरुग्वायांतल्या मॉन्टेव्हिडियो हांगा ताच्या साहित्यीक वावराक पिकाळ जमीन मेळ्ळी.

आर्जेन्टिनाची हॉर्हे लुईस बोर्जेस, आदोल्फ बीयोय कासारेस आनी हुलियो कोर्टाझार हांची साहित्य परंपरा तशेंच उरुग्वाय साहित्यांतल्या विशादपूर्ण कथनांचो दुमिंगेजाचेर प्रभाव पडलो. युरोपीय

पुस्तक संस्कृतायेचोय तो सदांच एक उत्सुक विद्यार्थी आशिल्लो आनी लॅटीन अमेरिकेची संवेदनशीलताय आनी युरोपीय साहित्य दायज हांचो हो मेळ ताच्या लेखनाचें एक खाशेलपण जालें.

दुमिंगेजाचें साहित्य वाचक, ग्रंथालय, ग्रंथप्रेमी आनी पुस्तकांच्या संवसारा भोंवतणी घुंवता. ताचीं कथानकां फकत नॉस्टॅल्जिक वा रोमान्टिक न्हय; तांकां झुज, राजकी उलथापालथ, निर्वासितपण आनी लुकसाण हांचो स्पर्श जाता. ताच्या पुस्तकांनी चड करून अर्थाची आध्यात्मिक तळमळ दिसून येता, जी विस्मरणाच्या थरां सकयल खोल मेरेन पुरल्या. ताचें गद्य बारीकसाणीन, काव्यात्मक आनी खोलायेन उमळशीक वाडोवपी.

ला कासा द पापॅल (कागदाचें घर, 2002)

दुमिंगेजाचे कारकिर्दीतली व्याख्यात्मक साहित्यकृती म्हळ्यार 'ला कासा द पापॅल,' हातूंत दुबाव ना. वीस परस चड भाशांनी अणकारीत केल्ली ही कादंबरी पुस्तकांच्या संवसाराक बरयिल्लें मोगाचें पत्र आनी एक थाकाय दिवपी खबरदारीची कथा. निक कॅस्टर हाणें ह्या पुस्तकचो 'द हावस ऑफ पेपर' ह्या नांवान इंग्लिशींत अणकार केला.

ही काणी एके गूढ घडणूकेन सुरू जाता : केंब्रिजांतले एके बायलेक एक पार्सल मेळटा, तातूंत एक पुस्तक जोसेफ कॉनराडाचें द शॅडो-लायन तातूंत काँक्रीटाचो एक कुडको गुंथिल्लो आसता. हें पुस्तक साहित्याचो प्राध्यापक ब्लूमा लेनन हाचें. ताका पुस्तक वाचत रस्तो हुंपतना गाडयेन धपको दिल्ल्यान मरण आयिल्लें आसता.

नांव नाशिल्लो कथानकाचो निवेदक काँक्रीटचे दाग पडिल्ल्या त्या पुस्तकाचे उत्पत्तीचो सोद घेता तेन्ना तो पुस्तकांचें पिशें आशिल्ल्या कार्लोस ब्रावर ह्या मनशाच्या विचित्र संवसारांत पावता.

पुस्तकां आमच्या जिविताक कशीं आकार दितात आनी केन्ना केन्नाय तें जिवित कशीं उक्तें करतात, हाचेर एक ध्यान म्हळ्यार 'ला कासा द पापॅल'. ब्रावर पुस्तकांचें अक्षरशा घर बांदता, तो पुस्तकां पुजता पूण त्याच माध्यमान ताचो नाश जाता. हें झपाटून सोडपी रूपक दुमिंगेजाची साहित्याविशीं दुविधा खोलायेन उक्ती करता: पुस्तकां मुक्ती दिवंक शकतात, पूण जीण काबारुय करूंक शकतात.

ही कादंबरी वाचपी, ग्रंथप्रेमी आनी अभ्यासकांकडेन थेट उलयता. मनीस आनी पुस्तकां मदल्या विचित्र मोगाचो, तशेंच तातूंतल्यान निर्माण जावंक शकता तो आनंद, पिशेंपण आनी एकसुरेपण हांचो ती सोद घेता. ह्या रूपकांतल्यान तो व्हड अस्तित्ववादी विशयांचेर संशोधन करता: आमी जें वाचतात तातूंतल्यान अस्मिताय कशी आकार घेता, याद कशी सांबाळटा वा पुसता आनी कसलेय गजालीचो ध्यास कसो एक नशा हाडटा आनी नश्ट करूंक शकता.

विंगड विंगड संकेत, दुख्ख आनी हजरजबाबीपणा हांचो उपेग करून दुमिंगेज एक भव्य, बोर्हेसाचे परंपरेंतलें कथन विणटा. कादंबरींत कथानक उणें पूण वातावरण आनी तातूंतल्यान निर्माण जावपी तत्वगिन्यानी प्रस्नांचेर चड भर आसा: पुस्तकां आमच्या जिविताक आकार दितात? मनीस गिन्यानांत बुडून वचूंक शकता काय? अशे प्रस्न विचारपी शम्बरां परस कांय चड पानां आशिल्लें 'ला कासा द पापॅल' पुस्तकांचें पिशें, याद आनी मरण हांचेविशीं एक संकुचीत, उत्कृश्ट भाश्य.

एल कास्तिलो द पापॅल

एल कास्तिलो द पापॅल (द पेपर कॅसल) ही 2004 वर्सा उजवाडाक आयिल्ली ताची कादंबरी 'ला कासा द पापॅल' चो एके तरेचो फुडलो वांटो. तातूंत साहित्य, याद, अस्मिताय आनी भावुकतेचो अतिरेक हांचे मदलो संबंद सोदून काडला. 'ला कासा द पापॅल' ग्रंथसंवादाच्या विध्वंसक स्वरुपाचेर भर दिता, जाल्यार एल कास्तिलो द पापेल मनशाच्या संबंदांच्या नाजूकपणाचेर लक्ष केंद्रित करता, खास करून कथा सांगपाचे आनी निर्वासितपणाचे भावनेंतल्यान.

चड करून उरुग्वाय आनी आर्जेन्टिनांत घडिल्ल्या ह्या कथानकांत राजकी अस्थिरताय, वैयक्तीक विश्वासघात आनी सत्याच्या दुर्लक्षीत स्वरुपा उपरांतच्या परिणामांकडेन झगडपी बुदवंत, कलाकार आनी मोगी हांची काणी हातूंत सांगल्या. मुखेल थीम एक गुंतागुंतीचो मोगाचो त्रिकोण, जो थारायिल्ल्या कथन आनी तत्वगिन्यानी चिंतनांतल्यान उक्तो जाता, कारण दुमिंगेज आमी स्वताक आनी हेरांक सांगिल्ल्या कथां वरवीं आमचें जिवीत कशें बांदतात हाची तपासणी करता.

कादंबरीक आकर्शक करपी गजाल म्हळ्यार दुमिंगेजचें गीतात्मक गद्य आनी ताची गिरेस्त, आंतरपाठ्य परिदृश्य तयार करपाची तांक. तो काल्पनिक साहित्य यादी, इतिहास मिथकांत भरसून, एक नाजूक रचणूक तयार करता–कागदापसून तयार केल्ल्या किल्ल्या सारकी–जी सदांच कोसळपाचे वाटेर आसा अशें दिसता. तातूंत लॅटीन अमेरिकन वाठारांतले राजकी आनी संस्कृतीक अंतर्प्रवाह प्रतिध्वनीत जातात.

हॉर्हे लुईस बोर्जेसकडेन तुळा

कार्लोस मारिया दुमिंगेजची तुळा चड करून हॉर्हे लुईस बोर्जेस हाचेकडेन करतात, जरी दोगूय वेगवेगळ्या पिळग्यांचें प्रतिनिधित्व करतात. बोर्जेसचो जल्म 1899 तलो, जाल्यार दुमिंगेजचो 1955 तलो. अशी तुळा जावपाचें कारण मुखेलपणान पुस्तकां, ग्रंथालयां, ग्रंथसंग्रह आनी साहित्यांतल्याच तत्वगिन्यानी आभासाविशीं तांचो अभ्यास आनी निरीक्षणां. बोर्जेसियन विशय आनी शैलीगत गूणधर्म हांचे कडेन खोलायेन प्रतिध्वनीत जावपी दुमिंगेजच्या 'ला कासा द पापॅल' हे कादंबरीचेर भासाभास करतना ही तुळा चड म्हत्वाची दिसता.

बोर्जेसच्या साहित्यावरी दुमिंगेजाचें बरप चड करून वास्तव परत स्वताचेर गुठलायता. पूण बोर्जेस अमूर्त जाल्यार दुमिंगेज भावनीक आनी स्पर्शशील ताचीं पात्रां वास्तववादी, प्रत्यक्ष सुख –दुख्ख अणभवतात. दुमिंगेज फकत पुस्तकां विशीं उलयना; तो तातूंत रावता आनी तांकां शोकांतिका निर्माण करपाक वाव दिता. बोर्जेसच्यो ला बिब्लिओतेका दे बाबेल (बेबल ची लायब्ररी), एल लिब्रो दे आरेना (रेंवेचें पुस्तक), द आलेफ सारक्यो कथा लायब्ररी, अनंत पुस्तकां आनी साहित्याची गूढ शक्त हांचे भोंवतणी घुंवतात. बोर्जेसाच्या साहित्यांतलीं पुस्तकां खोलायेन तत्वगिन्यानी प्रस्न आनी तत्वीक दुविधा हांचेर भाश्य करतात. वास्तव आनी काल्पनीक ग्रंथ, काल्पनीक लेखक, तळटीपो आनी आविश्कार केल्ले संदर्भ हांचो मेळ घालपाखातीर नामना मेळिल्लो बोर्जेस वाचप्यामुखार काल्पनीक आनी वास्तव हांचेमदले शिमेचेर प्रस्नचिन्न उबें करता.

ला कासा द पापॅल ह्या पुस्तकांत दुमिंगेज अशेच तरेचीं काल्पनीक तंत्रां वापरता. कथानकाचो निवेदक खऱ्या आनी आविश्कार केल्ल्या साहित्यीक संवसारांत सोद घेवपाक वता आनी दुमिंगेज तथ्य

आनी काल्पनिक साहित्याक बोर्जेशियन पद्दतीन धूसर करता.

बोर्जेसा खातीर पुस्तकां हें अनंत गिन्यान, विश्व, अज्ञात आनी पुराय म्हायतीचो धोको हांचें प्रतीक. ला कासा द पापॅल कादंबरींत पुस्तकांची प्रतिकात्मक शक्त पुरायपणान दिसता. ही एक बोर्जेसीयन कल्पना, दुमिंगेज ती चड दुखखाची आनी भावनीक करता. बोर्जेसाची शैली बौद्धिक, पांडित्यपूर्ण, चड करून विडंबनात्मक आनी मेंदूकडेन जोडिल्ली जाल्यार दुमिंगेजचो स्वर चड विषादपूर्ण, कोमल आनी भावनीक आनी गीतात्मक. बोर्जेसच्या विश्वांत वास्तव आनी कल्पित हांचेमदलो भेद अप्रासंगीक आसा. ताच्यो कथा बरेच फावट शिक्षणीक निबंद वा खरो-फट इतिहास कशो वाचूं येतात, जंय कथा सांगपाची कृती ज्ञानशास्त्राच्या संशोधनावरी आसा. देखून, कार्लोस मारिया दुमिंगेजाक बोर्जेसाचो साहित्यीक वारसदार म्हूण अनुकरणांत न्हय तर विशयात्मक नदरेंतल्यान पळयतात.

हुकूमशाय उपरांतच्या यादींचें नीतीशास्त्र

डोमिंगेज बरयता ताची फाटभूंय समजले बगर ताचें साहित्य समजप सोंपें न्हय. लॅटीन अमेरिकेंतल्या शासनसंस्थांचो आतंकवाद, सेंसरशिप आनी निर्वासितपणाचो इतिहास ह्या सगळ्यांची सावळी ताचे बरपावळीचेर पडिल्ली स्पश्ट दिसता. ताच्या साहित्यिक वावराक लागून ताका राजकी घडणुकांक थेट तोंड दिवचें पडलेंना तरी हेरांचे हाल आनी उतळताप तो वाचप्यांमुखार दवरता. ला कॉस्ता सीएगा (2009) ही ताची कादंबरी हुकूमशायेच्या काळांत गायब जाल्लो आसूं येता वा मारून उडयिल्लो आसूंक शकता अशा मनशाचेर पत्रकारान केल्ल्या चवकशींतल्यान आर्जेन्टिनाच्या यादवी झुजाच्या काळांतल्या मौनांचो सूक्ष्मपणान अभ्यास करता. हातूंत स्मृती म्हळ्यार स्पश्ट भिंग न्हय तर धुकें आशिल्लो आरसो. नायकाचो प्रवास एक सत्य सोदून काडपाचो आसता, ताका आच्छादीत करपी मौनाचे थर तो मान्य करीना. हांगा दुमिंगेज आपलो साहित्यीक प्रकल्प ग्रंथप्रियताये भायर प्रत्यक्ष प्रासंगिक तोंड दिवपी पात्रांमेरेन वाडयता, जंय बरोवपाची कृती सामुहीक यादी पुसून उडवपाच्या यत्नांक तोंड दिवपाची एक पद्दत जाता.

दुमिंगेजाक हिंसाचाराच्या सनसनाटीपणाची न्हय तर हिंसाचारान फाटीं सोडिल्या अवशेशांची चड ओड आसा. देखीक, उलोवंक नाशिल्ल्यो गजाली, यादींनी रित्यो जाल्ल्यो कुडी, अर्दकुटो, पुसून उडयिल्लो आनी चुकीचे तरेन बरयिल्लो इतिहास. ते नदरेन ताचो वावर मारियो बेनेडेट्टी, रॉड्रिगो रे रोझा, आंतोनियो ताबुची ह्या हुकूमशाये उपरांतच्या हेर लॅटीन अमेरिकन लेखकांकडेन जुळटा.

अनेक थरांचें बरप

कार्लोस मारिया दुमिंगेजचें गद्य अलंकारिक ना. ताचीं वाक्यां ल्हान, समतोल आशिल्लीं आसून तातूंत चड करून दुखख वा विनोद आसता. ताच्या कथात्मक आवाजांत संयम आसा. गरजेपरस चड सांगपाक वा कथानक भावार्थी करपाक तो न्हयकार दिता. मरण, पिशेंपण वा अस्मिताय कोसळपा विशीं बरयतना लेगीत तो अंतरंग स्वाभिमानाचो स्वर सांबाळटा. ताचें बरप अनेक थरांचें, जें पिशेंपण आनी विवेकबुद्द, याद आनी विसरप, अंतरंग आनी इतिहासीक तथ्य हांचे मदले विरोधाभास उक्ते करता. ताचीं पात्रां चड करून मर्यादीत जाग्यार रावतात, ज्या सुवातीनी जंय भूतकाळ तिगून उरता. देखीक पोरनीं वाचनालयां, शिमेवयलीं शारां, जुंव्यावयलीं घरां वा पुस्तकांचो रास आशिल्ले पोरने

अपार्टमेंट आदी.

उथळ प्रदर्शन आनी वस्तूकरण हांचो चडांत चड शेक आशिल्ले जागतीक साहित्य संस्कृतायेंत दुमिंगेज एक पर्याय दिता: एकांत, याद आनी नैतिक चिंतन हांचे साहित्य. तो वेगान बरयना; तो खोलायेन बरयता. आनी ताच्या विश्वांत भितर सरपी लोकां खातीर इनाम मेळटा तें फकत बौद्धीक न्हय, तर भावनीक.

कार्लोस मारिया दुमिंगेज वाचप म्हणल्यार फकत पुस्तकां विशीं वाचप न्हय, तर तांचे मदीं रावपाची विचित्र, दुख्खाची सोबीतकाय याद करप.

❑

संजना पब्लिकेशन्सचीं नवीं प्रकाशनां

मोल : ₹ 250/-

मोल : ₹ 600/-



मोल : ₹ 300/-



मोल : ₹ 250/-



मोल : ₹ 300/-



मोल : ₹ 350/-

आमचीं पुस्तकां

• संजना पब्लिकेशन्स, 39, दत्तवाडी, सांगें, गोंय. 403 704

sanjanapublications2@gmail.com मोबायल : 9552551425

• गोवा कोंकणी अकादेमी

आनी • Amazon.in चेर मेळटात

कोंकणीच्या निस्वार्थी वावराची एक केस –स्टडी –

ग्लॅडिस रेगो

वल्ली क्काड्रस

ऐक पाव्टिं एका फोटोग्राफराच्या पन्नासाव्या वरसुगेच्या संभ्रमार, मीडियाच्या एकल्यान ताका प्रश्न केलें;

''पन्नास वरसां थाव्न फोटो स्टुडियोंत तुवें काम केलांय, तुज्या पसंदेचो फोटो खंचो म्हण सांग्येत?''

क घडी चिंतुन त्या फोटोग्राफरान जाप दिली;

''म्हज्या पसंदेचो क फोटोयी हांवें अजून काडुंक ना.''

मीडियाचो परत विचारी; ''तर तुजी पसंद कसली म्हणुन सांग्शी?''

जाप दीव्न तो फोटोग्राफर म्हणालो; ''अजीक पन्नास वरसां–धिं हो फोटो स्टुडियो सुरु कर्ताना हांवें क बर्ड लायिल्लो; हांगासर दन प्रकारांचे फोटो मेळ्तात;

पय्लो: आस्चो आसा तसो दिस्चो फोटो – फकत धा रुप्यांचो.

दुस्रो: पळेंव्क सोभित/आकर्षक दिस्चो (कृतक/बनावटी) – फकत वीस रुप्यांचो.

पुण ह्या पन्नास वरसांनी ह्या स्टुडियोंत यव्न फोटो काडय्लेल्या सर्वांनी पसंद केल्लो; दुस्रो प्रकार शिवाय एकल्यान लेगुन पय्लो प्रकार विंच्लोना. म्हाका पय्लो प्रकार पसंदेचो.

ही काणी ह्या म्हज्या बर्पाक ताळ पड्ता. आय्चो संसार, आम्ची समाज, आम्कांच आमी बार्कायेन पळेलें तर आमीं जियेंव्चो संसार सय्त दुस्र्या प्रकाराचो. देकुन आम्कां पाळुंक क जिणी आनी

दाकंव्क अन्यक जिणि. आमी पाळ्ची जिणी कित्लिय म्हेळी आसुं, बुर्शी आसुं, खोटी आसुं पुण आम्ची दाकंव्ची जिणी भागेवंत, आदर्श, आनी आकर्शक. देकुन जाव्येत आम्चेच पय्किंत्ले असल्याच दाकव्पाचे, आकर्षक दिस्चे, मंतनाचे आम्चे लाग्शिले म्हणुन आमीं गाजंव्क पेचाड्तांव, तांचेसवें सेल्फी काड्तांव. आम्च्या सशियल मीडियांनी तांचिच तस्वीर घाल्न आम्कांच आमी तांचे बराबर मेज्तांव. पुण आम्चेच पय्किंत्लो एकलो पड्लो तर, अस्कत, गरीब, सादो दिस्लो तर तसल्यांक मेळ्चें सोड, तांची ओळोक्च नात्लेपरिं कर्तांव.

साहितिक स्थरांत 'निस्वार्थि' म्हळ्ळ्या सब्धाक कांय महत्व आसाकाय? कित्याक म्हळ्यार 'फुल/फळ' दिंव्चें क झड सय्त अप्ल्याच फाय्द्याक तें दिता म्हळ्ळें निर्णायक (judgemental) चिंत्पांत भरोन गेल्ल्या अभिप्राय्वादी (opinionistic) समाजेंत ग्लडिस रगो तसल्यांनी जल्म घेंव्चेंच क गुन्यांव्कारी घटन म्हण्च्यांत चूक जांव्चिना.

संसारांत जेराल रितिन सांग्चें तर 'जल्म, जिवित आनी मरण' हिं तीन हंतां सर्व जीविंक लागु जाता. कितेंच थिर/शाश्वत म्हळ्ळें ना, कोणाक पय्लें वचोंक आसा आनी कोणाक तडव करुन पुण आयिल्ल्याक वचोंक आसा; जांव्क पुरो पाटिं फुडें. ह्या तीन हंतांपय्किंत खंच्याय हंताचेर कोणाय्क्यी नियंत्रण आसुंक असाध्य; जांव तो रायाळ कुळियेचो वा गरीबांत्ल्या गरीबांत्लो पुण जल्म जांव मरण तशेंच जिविताची वाट जांव, कोनाय्च्याय नियंत्राणांत ना.

च्यार दिसांच्या ह्या जिवितांत एकेकल्याक एकेक शेवोट आनी इरादो. कोणाक दुडु कमांव्चोच शेवोट तर आनी कोणाक नांव कमांव्चोच इरादो तर आनी कोणाक पुंजांव्चो; आस्त-बदिक, गाडि-बंग्लो, भांगार-शृंगार; पुण हें कितेंच स्थिर/शाश्वत न्हय, हें सोपें तत्व सर्वांक सम्जता तर्यी ही धांव्णि, आनी पड्णे/उड्णेंत खर्शेव्णी कित्याक? हें मात्र अधुरें प्रश्न. पुण ह्या पय्किंत कांय क-दोगां अथ्वे चिंत्पाचिं जल्मोन येतात. तिं चिंतात हेरांविशिं, तांचें जिवित समर्पितात हेरां पासत. आप्ल्या जिविता आव्देंत कितें तर्यी हेरां पासत करुन वेतात. फकत दिवुन वेतात शिवाय कितेंच पाटिं अपक्शा करिनांत. ह्या संसाराचें 'दिंव्चें-घेंव्चें लक' तांच्या मतिक सम्जनात्लें लिसांव.

बाय ग्लडिस रगोचें नांव हांवें कोंकणी नेमाळ्यांनी वाच्ताना ती पय्शिल्या अमेरिकांत काम कर्न आस्लि. तिचिं बर्पां; कथा, कविता, लखनां तशेंच अभिप्राय तवळ तवळ नमाळ्यांनी पर्गटोन येतालें. ती चडित शिक्पी न्हय पुण जिण्येंत आण्णायिल्ल्या अन्भगांक लाग्शिल्यान सम्जोन अप्ल्या लिखणेंत अभिव्यक्त कर्न आस्लि. अशें खोलायेन पळेल्यार शिकप म्हळ्यार कितें? 'कोलेज/युनिवरसिटिंनी वेचें, वरसां खर्चुंचिं, आनी डिग्री म्हळ्ळें क कागद जोड्चें मात्र?', खरें शिकप म्हळ्यार अप्ल्या जिण्येंत आमी कित्लिं बरिं आनी हेरांची सहानुभूतेन मन्शापणाचें जिवित जियेतांव म्हळ्ळें. पुण संसाराचें व्हड विपर्यास म्हळ्यार 'शिकप म्हळ्यार दुडु कमांव्ची वाट' जाल्या. देकुन कमांव्ची वाट कस्लीय जांव, पुण त्या वाटेर धांव्णी कर्चि. समाजेंत स्थान-मान मेळ्चो सौय कित्लो दुडु आसा, कित्ली आस्त आसा, न्हेसप-अंतस्त पळेव्न शिवाय एकल्याथंय आस्च्या जाण्वाय-मन्शामोलांक न्हय. ह्य दिशेन पळेल्यार कोंकणींत म्हाका जे कोण 'शिक्पी वर्गाचे' बरव्पी आसात, तांच्याकी शेंबोर वांट्यांनी बाय ग्लडिस रगो तसलिं आंवड्तात.

अमेरिकांत काम कर्न आस्चे पय्लें तिणें बोंबोंय्त, कुवेय्टांत काम केलां. तिणें काम कर्न आस्लेल्या सर्व प्रदशांनी तिणें चड आनी चड मग केल्लो जाव्नासा 'कोंकणी वाव्राचो'. च्यार गांवांनी भंव्ल्ली ति, बांय्त्ल्या माण्क्याचें चिंतप तिचें न्हय. कोंकणी पुस्तकां, कोंकणी संगीत

केसेट्यो/कोव्ळ्यो (सिडि) घेव्न लोकांलागिं वेतालि. गल्फांत काम केल्ल्यांक कळित आसा; फिसांनी काम कर्तेल्यांक चड करुन सुक्रारा रजा मेळता तर घर-कामाच्यांक फकत आय्तारा अर्दो दीस रजा मेळता. आनी ह्या अर्ध्या दिसा सग्ळिं इगर्जेक यव्न मीस आय्कतालिं. मीस संप्नच गांव्च्या हेर भाव-भय्णिंक, सभ्यांक मेळ्चो संधर्भ. ह्या थोड्या वोरांनी कोणें गांवाथाव्न हाड्ल्लिं काग्दां, पुस्तकां, वा वस्तु एकामेका वांट्चें जांव, वा एकलो गांवाक वेचो आसा तर ताचेलागिं काग्दां, वस्तु दीव्न धाड्चें सदांचें. ताचेसवें गांव्ची खबर एकामेका उलंव्ची रिवाज आस्लि. चड्ताव जाव्न लक इगर्जेलाग्शिल्या एकाच जाग्यार जम्तालीं; जांव मंग्ळुर्कार, गोंय्कार, वा हेरां.. कांय हजार-हजारांनी लक जम्तालो. बाय ग्लडिस रगो ह्या लोकांलागिं वचोन कोंकणी पुस्तकां, कोंकणी संगीत केसेट्यो/कोव्ळ्यो पावय्तालि. पर्गांवांत कोंकणी मग अजून जिवाळ आसा देकुन पर्गांवांत काम कर्न आस्च्यिं जाय्तिं (चड्ताव जाव्न घर-कामाचिं) कोंकणी नेमाळिं, कोंकणी पुस्तकां मोलाक घेंव्क सोधुन वेतात. एकामेका सुक-दुक वांटुन घेंव्क मेळ्यिं थोडिं वोरां संपव्न धर्तेचेर काळोक पड्तच सग्ळिं आपाप्ल्या काम कर्न आस्च्या घराक पार्टिं वेतालिं.

2020 इस्वेंत कुवेय्टाक पाव्ल्ल्या हांवें 2004 इस्वेंत म्हजे तसल्या थोड्यांक घेव्न 'कोंकणी अभियान समिति' घड्ल्. हाचो प्रमुक इरादो जाव्नास्लो, कोंकणी नेमाळ्यांक वर्गण्दार चडंव्चो. ह्या पासत थोड्याच तेंपान पां-पांच वरसाच्यो कांय दोन्शिं-तिन्शिं वर्गण्यो जमय्ल्यो. चड्ताव गांव्च्यो वर्गण्यो. हें एका निर्दिश्ट काळांत चल्चें वेवस्तित काम. देकुन आमीं ओळोक आस्च्यांक मेळोन तांच्या घरा वचोन ह्यो वर्गण्यो एक्टांय्ल्यो. हेच संधर्भार ग्लडिस रगोचो उडास लोकांनी काड्न, तिणें कर्न आस्ल्या कोंकणी वाव्राची थोक्णाय केल्लि. पुण विज्मित्कायेची गजाल म्हळ्यार हिच्या वाव्राचेर चिल्लर उलंव्चिंय आस्लिं. 'तिणें केल्लो वाव्र महान न्हय, तिं पुस्तकां, केसेट्यो विकुन दुडु कमाय्तालि'. हांगासर विशस खंय्चें म्हळ्यार हें आल्बें उतर न्हय, बगार हें उचार केल्लिं चड्तावां 'कोंकणी बरव्पि' वर्गांत्लिं. ह्या अशीर चिंत्पाच्या 'बरव्पि' वर्गांत्ल्या बांय्त्ल्ल्या माण्क्यांच्या चिंत्पांत भरोन गेल्ल्यांच्या मधें निरंतर वाव्र कर्न थक्ल्ली बाय ग्लडिस रगो जुलाय 21 तारिकेर हो संसार सांडुन गेलि. तिच्या वाव्राची मोट्टी झळक दिंव्चें पासत हें बरव्प.

(कुवय्टांत हांव काम कर्न आस्ताना रजेर आयिल्ल्येवेळार बाय ग्लडिस रगोसवें काड्ल्ली तस्वीर)

बाय ग्लडिस रगोन काम कर्न आस्लेवेळार चडुणें सर्व कोंकणी नेमाळ्यांक तिणें साहितिक सेवा तशेंच आर्थिक रितिन सय्त कुमोक केल्या. तिच्याच मजतेन नेमाळ्यांनी साहितिक स्पर्दे चलव्न वेल्यात. सभार बरव्प्यांनि, थोड्या प्रकाशकांनी सय्त अप्लिं पुस्तकां पर्गटुंक तिणेंच आर्थिक कुमोक दिल्या. जोडुन अप्ल्या भुर्ग्यांक दिल्ल्या तिणें अण्णाखातिर म्हणुन कितेंच पुंजाव्न दवरुंक ना. उप्रांत तिचेथाव्न आर्थिक कुमोक घेत्लेल्यांनी सय्त तिका ओळ्कोंचें रावय्लें म्हळळें अड्हूक सत थोड्यांक तर्यी कळित आसा.

2013 इस्वेंत हांव स्वीडनांत काम कर्न आस्लों पार्टिं बोंबोय पाव्तच ग्लडिस बाय़ेलागिं फोनार उलंव्चें आस्लें तशेंच मंग्ळुराक आयिल्लेवेळार म्हाका मेळुंक ती येतालि. आशावादी प्रकाशनाचिं प्रकाशित जाल्लिं पुस्तकां एका नेमाळ्यान अप्ल्या वर्गण्दारांक धाड्न, बाकी उर्लिलिं पुस्तकां ग्लडिस बायेक दिल्लिं. तशेंच म्हजिं हेर सत्तावीस पुस्तकांच्यो पन्नास प्रतियां लेकार आस्लिलिं पुस्तकां सय्त ती व्हरुन विख्तां म्हणाली आनी व्हरुन गेलि. पुस्तकां कोलो व्हरुंदि, पुण तिची भलाय्की तेद्रां भिग्डोन

तिका कापितानियो लाग्सार आस्च्या सैंट आन्स कोवेंताच्या बग्लेन आस्च्या आश्रमांत आस्ची विशय कळतच तिका यव्न मेळ्ळों. उप्रांत केद्रांय मंग्ळुर आय्लेल्यावेळार तिका म्हजी क भेट खायम आस्लि. तिणें आशावादी प्रकाशनाचिं सर्व पुस्तकां व्हरुन कलांगणांत्ल्या लैब्रेरिक दिल्यांत म्हणुन तिणें उचार्ले. म्हाका पुस्तकाच्याकी चड तिच्या भलाय्केची काळ्जी आस्लि.

2015-16 इस्वेंत जिय आग्राराच्या घरा क कविगश्टी आसा केल्लि, आनी त्या कविगश्टिक हांव येताना 'खंच्याय होटेलांनी रावानाका, र्‍पोर्टाथाव्न शीदा घरा य' म्हणुन मित्र जिय आग्रारान सांग्ल्लें देकुन हांव र्‍पोर्टाथाव्न शीदा आग्रार वेच्या वाटेर ''म्हाका मेळुंक यनांय्गी?'' म्हळ्ळ्या ग्लडिस बायेच्या उत्रांक मान दीव्न हांव सैंट आन्स आश्रमाक गेलों. तिच्या पेंक्टार बेल्ट भांद्ल्लें आनी ती चलुंक कस्टताली. पुण तिकायी म्हजेसवें आग्रार यंव्क मन आस्लें. हांवेंच तिका सम्जाय्लें 'बाये तुजी भलाय्की बरी ना, देकुन तुं पय्ली बरी जा' अशें म्हणुन हांव म्हजें पय्ण मुखारुन बि.सि.रड पाव्ताना तिचें फन आय्लें. हांवें रिसीव कर्ताना तिचें उतर तयार आस्लें ''जाव्येत.. तुं म्हाका सोड्न गेलोय ने?'' हांवें तिका मोवाळायेन जाप दिली; ''बाये, तुज्या पेंक्टाक बेल्ट भांद्लां आनी तुका पय्ण केल्यार तुजी दूक चडोंक आसा देकुन तुका आपव्न व्हरुंक ना.''

ती म्हजें उतर आय्कुंक तयार नास्तां म्जणाली ''पुरो... सोड.. म्हाका पय्ण करुंक कांय त्रास नांत. तुजेसवें म्हाका आपव्न व्हरुंक तुका मन नात्लें देकुन सोड्न गेलोय म्हण..''

हांवें जाप दीव्न म्हळें ''बाये.. तशें भिल्कुल न्हय, तुका यंव्क जाता आनी यजेच तर हांव गाडी धाड्तां.. तुं आय्ती राव'' अशें म्हणोन म्हाका जिय आग्राराच्या घरा पावयिल्ल्या टेक्सेगाराक परत वचोन ग्लडिस बायेक आपव्न हाडुंक धाड्लो, आनी ती आय्लि, म्हजेसवें जिय आग्राराच्या घरांत दन दीस रावोन तिस्र्या दिसा म्हाका मंग्ळुराक पावंव्क जियन अप्लें जीप स्टार्ट केलें. जिपार जियसवें विल्सन कटील, ताचो पूत आनी ताची पतिण, ग्लडिस बाय आनी हांव आस्ल्यांव. त्ये दिसा कर्नाटक बंध आस्लें देकुन वाटे-वाटेर पर्निं टयरां हुल्पतालिं पुण म्हाका बोंबोय वचोंक आस्लें जाल्ल्यान स्वता जिय आग्रार ड्राय्व कर्न मधें मधें रावव्न कशेंय आमीं मंग्ळुर पाव्ल्ल्यांव.

हांव बोंबोय पाव्तच ग्लडिस बायेक फन कर्ताना ती फन रिसीव करिना. उप्रांत म्हाका कळोन आय्लें कि, आग्रार थाव्न मंग्ळुराक जीपार यव्न तिची पेंक्टाची दूक चड्ल्ली आनी तिका फा। मुल्लसांत भर्ती केलां म्हणोन.

थोड्या तेंपान ती थंय्ची सुट्टिल, आनी 'आतां हांव कल्याणपुरांत्ल्या ओझोनाम आश्रमांत आसा' म्हणालि. हांव सय्त बोंबोय थाव्न येताना वाटेर पय्लें तिका वचोन मेळोन उप्रांत मंग्ळुराक वेचें आस्लें. ओझोनाम आश्रमांत तिका बरी सव्लताय आस्लि. तिचें म्हळ्ळें क नितळ रूम तिका दिल्लें. तिची जतन बरिच कर्न घेतालिं. कोंकणी नेमाळिं तिच्या कुडांत आस्लिं, नवे बूक सय्त तिच्या खट्ल्यार आस्ले आनी ती तेदाळा वाच्तालि. तिची क कविता तिणें म्हाका दिली आनी तें हांवें पय्णारिचेर पर्गट्टिल. भव्शा हिच तिची निमाणी कविता. तिच्या शिरां शिरांनी कोंकणी मग व्हाळ्तालो. मिलाग्रिस कोलेजिंत आसा केल्ल्या कार्याक अण्णाक व्हरुंक तिणें म्हाका आदस दिलो आनी हांवें तो आदस पाळ्ळो. हातिं चल्चें बत घेव्न ती वेदिक चड्ली आनी कार्यांत सक्रिय रितिन हाजर जाल्लि. तिका पाटिं आश्रमाक पावव्न वेच्यादिं तिणें म्हजेलागिं क ल्हान विनती केलि. ''तुं सर्वांचें बूक पर्गट्ताय, म्हज्या धुवेचो विल्माचो (कलाराणी कुल्शकर) बूक काड्सिवे?'' म्हणालि. तिची ओळोक जाल्ल्या थाव्न केदिंच तिणें कोणाय समोर हात उदारे केल्ले नांत. कठीण स्वाभिमानी ती जाव्नास्लि. म्हाका अण्णाचोच ल्हान

भाव म्हण तिणें केद्रांगी मांदुन घेत्ल्लें देकुन तिणें म्हजेलागिं ही विनती केल्लि. आनी हांवें जाप दीव्न म्हळें ''तुं बर्पां म्हाका पावित कर्शें पळे, उप्रांत्लें म्हजेर सोड.'' पुण तिं बर्पां तयार जालिंच नांत, आशावादी प्रकाशनाथाव्न बूक पर्गटोन आय्लोच ना, ग्लडिस बायेची विनती म्हज्यान सुफळ करुंक सय्त जालिना.

जिण्येची अन्यक घुंव्डी तयार आस्लि. हांव सय्त कामार मेतेर जाव्न आस्ताना सय्त तवळ तवळ तिका फोनाचेर उलय्तालों. अशें कांय तेंप पर्यांत तिचें फन चलानात्लें. हांवें फन केल्यार तिचें फन बंध आसा वा नेट्वर्कार ना अशें मेसज येता देकुन हांवेंय कांय तंप असोच बोंबोय उर्लों. ग्लडिस बायेलागिं फोनार उलांव्क वा तिका मेळुंक सय्त वचानास्तां कांय वरस उत्रल्लें. अशें क पाव्टिं तिचेविशिं खबर घेंव्क सभार बरव्य्यांक, संपादकांक फन केलो पुण एकल्याकी तिची खबर नात्लि. अख्रक हांवें ओझोनाम आश्रमाच्या बग्लेन आस्च्या डो।जेरी निड्डुडिक फन करुन ''दयाकरुन ग्लडिस बायेची खबर काड्न म्हाका कळय्शिगी?'' म्हण विनती केलि. ताणें खबर काड्ताना कळोन आय्लेंकी 'ग्लडिस बाय आतां ओझोनाम आश्रमांत ना, कंय गेल्या म्हण कोणाय्की कळित ना.' आय्कोन क पाव्टिं हांव शेर्मेलों. दुस्रेच दिसा फांत्यार साडे तिनांक बोंबोय थाव्न गाडियेर गांवाक आय्लों. सांजेर चडुणें साडे तीन जातित. हांव शीदा ओझोनाम आश्रमाक गेलों. तिच्याक कुडासमोर हांवें म्हजी गाडी पार्क कर्ची आस्लि. पुण ग्लडिस बायेच्या कुडाक भीग घाल्लें. अशें म्हाका पळेव्न थोडिं ओळ्कतालिं. तिच्या कुडाच्या बग्लेन क उतर प्रायेची बाय्ल आनी तिचो घोव आस्लिं. त्य बाय्लेन म्हाका विचार्लें ''तुं खंय थाव्न आय्लोय? ग्लडिस बाय आतां हांगा ना म्हण तुका खबर ना? भोव्शा सांत आंतोनी आश्रमांत आसा.''

हांवें जाप दीव्न म्हळें ''हांव बोंबोय थाव्न आय्लां, म्हाका खबर नात्लि, तिचें फन चलानास्तां तिचेलागिं उलय्नास्तां कांय तंप जालो.''

तिणें म्हाका क नंबर दीव्न म्हळें ''हो नंबर तिच्या नातिचो, तुं तिचेलागिं फन कर्न विचार, पुण तो नंबर आमी दिल्लो म्हणानाका.'' हांवें तो नंबर मोज्या मोबाय्लाचेर फीड कर्ताना तिचो घोव दारा भाग्र यव्न बाय्लेक कितेंगी हिशारे कर्तालो. तक्षण तिणें म्हाका म्हळें ''ती खंय आसा म्हळ्ळी आम्कां कितेंच खबर ना. दयाकरुन आम्चें नांव कोणाय्की सांगिनाका.'' हांवें तिका समाधान केलें ''बाये, भियेनाका, म्हाका तुम्चें नांव वा ओळोक सय्त ना. आनी तुम्चेविशिं कोणाय्की सांगिना.''

हांव गाडियेर बसोन तिणें दिल्ल्या मोबाय्लाचेर फन केलो. एकल्या चेड्वान तें फन रिसीव केलें, हांवें म्हजी ओळोक दिली ''बाये, हांव वल्ली क्राड्रस, बोंबोय थाव्न आयिल्लों. ग्लडिस बायेक मेळोन तिका दन बूक दिव्यां म्हणुन कल्याणपुर आयिल्लों पुण ती आतां हांगासर ना म्हण कळोन आय्लें, देकुन दयकर्न म्हाका ती आतां कशी आसा आनी खंय आसा म्हण सांग्शी?''

तिणें म्हाका जाप दिली; ''व्हय, ती आतां कल्याणपुर ना, मंग्ळुरांत आसा.'' हांवें परत विचार्लें ''मंग्ळुरांत खंय आसा? तिका मेळाजय म्हाका.''

तिणें म्हाका विचार्लें ''कितें काम आसा?''

हांवें जाप दिली; ''कितेंय काम ना बाये, फकत तिका दन बूक दींव्क आस्ले देकुन हांव तिका मेळोंक आशेतां, दयाकरुन ती मंग्ळुरांत खंय आसा सांग. सांत आंतोनी आश्रमांत पुणी आसा?''

तिणें जाप दीव्न 'व्हय'

हांवें तिचो उप्कार बाव्डुन शीदा मंग्ळुराक पाव्लों. सांत आंतोनिच्या आश्रमाक रिग्लों, गाडी पार्क कर्न शीदा एकल्या दोगांलागिं विचार केलो ''ग्लडिस बाय... ग्लडिस रगो... हांगा आसा कंय.. खंय

आसा म्हण सांग्शात ?''

पुण कोणाय्की कळित नात्लें देकुन ताणिं म्हाका पाद्र्याबालागिं विचारुंक सांग्लें.

हांव पाद्र्याबाक मेळ्ळों आनी ग्लडिस बायेचो विचार केलो. तो जाप दीव्न म्हणालो; ''ग्लडिस बायेक एका मय्न्यादिं हांगा हाड्ल्लो व्हय, पुण आतां ती हांगा ना.''

परत म्हज्या आंगार शेळें उदक वोत्ल्लो अन्भग जालो ''फादर.. आतां खंय आसा ती ? तिका कोणें हांगा हाड्लो ? तें पुणिं सांग्शात ?''

पाद्र्याब जाप दीव्न म्हणालो ''म्हाका एकी कळित ना, तिका कोण हांगा हाड्न आयिल्लेगि, ताणिंच वेला, खंय म्हण म्हाका कळित ना''

आय्कुन एका वाटेन निरास अन्यका वाटेन राग यव्न परत हांवें त्या मोबाय्लाचेर फन कर्न सांग्लें; ''अळे, हांव सांत आंतोनिच्या आश्रमांत आय्लां, ग्लडिस बाय हांगा ना म्हण्ता पाद्र्याब..''

म्हजिं उत्रां आय्कोन तें चेडुं सय्त विज्मित पाव्लें, आनी जाप दीव्न म्हणालें ''ना, ती थंय्च आसा...''

आय्कुन हांव म्हजेयित्ल्याक चिंतुंक लाग्लों, कांय हेरांक कळंव्क न्हजो म्हळ्ळ्या इराद्या ती हांगा आस्ची खबर म्हाका पाद्र्याबान लिपय्ल्या कोण्णा म्हणुन तिका विचार्लें ''तर तिणें हांगा आस्ची खबर कोणाय्की सांग्ची न्हय म्हण पाद्र्याबाक तुमी पुणिं सांग्लांस्तलें ?''

तिणें ''व्हय'' म्हळें.

हांव परत पाटिं वचोन पाद्र्याबाक मेळ्ळों ''फादर.. हांव बोंबोय थाव्न आय्लां, फकत तिका दन बूक दिव्यां म्हण आय्लां, हेर कस्लोय इरादो ना..''

तित्ल्यार पाद्र्याबान म्हाका मधेंच रावव्न विचारी ''तुं वल्ली क्राड्रस ने ?''

''व्हय फादर''

''म्हजी ओळोक जांव्क ना ?''

''माप करा फादर, ना'' हांवें जाप दिव्न म्हळें.

''हांव फा। मुक्ती प्रकाश, तुजिं सभार बर्पां जांवें आम्ची मांय पत्राचेर पर्गट्ल्यांत.''

हांवें परत म्हजें रुदान ताचेसमोर दवर्लें ''फादर ग्लडिस बायेविशिं, तिणें हांगा आस्चेविशिं हांव कोणाय्की सांगोंक व्हचाना, पुण दयाकरुन म्हाका तिका मेळोंक दिश्यात ?''

पाद्र्याबान जाप दिव्न म्हळें ''सत सांग्तां, ती आतां हांगा ना, तिका कोणें हांगा हाड्न आयिल्लेगी ताणिंच वेला, खंय म्हळ्ळी माहेत म्हाका ना, मेळ्तच तुका कळय्तां.''

आय्कुन म्हाका कितें कर्चें म्हणुन सुस्तालें नां. हांव थंय थाव्न शीदा 'मंगळ ज्यति' पाव्लों, थंय म्हाका रावोंक क भाड्याचें रूम बुक केल्लें. म्हजें बग दवर्न नितळ जाव्न म्हज्या 'पय्णारी वाट्साप पंग्डांत 'आज घड्ल्ली सग्ळी विशय' पस्ट केलि.

कोंकणीची महान स्त्री, धीर स्त्री, उंच्ले पुरस्कार जोड्लली पुण तिची खबर जांव फिकिर जांव आस्ले कोण्यी म्हाका मेळ्ळेनांत.

फांत्याच्या साडेतिनाक सुट्ललों हांव ड्रार्व कर्न थक्ल्लों पुण मतिंत तेंच अधुरें प्रश्न जागें आस्लें 'ग्लडिस बाय खंय गेली ?, क खबर तिका दींव्क जांव्क ना ?'

कांय साडे इक्राशें पय्णारी वाट्साप पंग्डाचेर म्हजी मेसज वाचुन म्हज्या माव्शेच्या धुवेन क्लारान मेसज धाड्लेली ''वल्लि, तुं ग्लडिस रगोक सोधुन आसाय म्हण कळ्ळें, तुवें भियेंव्ची गर्ज ना, ती बरी

आसा, तिका उल्लाळ-सोमेश्वरांत्ल्या पश्चिम रिह्याबिलशन सेंटरांत म्हजेसवेंच काम कर्न आस्ललो सशियल वर्कर तिची जतन घेव्न आसा.''

मेसज वाचुन म्हज्या सग्ळ्या दिसाची थकाय मायाग जालि.

दुस्र्या मेसजिंत क्लारान म्हाका रहित सांक्तुसाचें नंबर आनी पश्छिम रिह्याबिलशनाचो विळास धाड्लो.

हांवें घळाय करिनास्तां रहिताक क संधश धाड्लो ''हांव वल्ली क्राड्रस, बोंबोय थाव्न आय्लां, म्हाका बाय ग्लडिस रगोक मेळुंक जाय देकुन फाल्यां सकाळिं सातांक येतां.''

ही मेसज धाड्न हांव निद्लों.

सकाळिं हर्शेंचेपरिं म्हजो दीस वेगिंच सुरु जांव्चो देकुन वोरां सात जांव्च्याधिंच हांव तो एड्रेस सोधुन पाव्ल्लों आनी गटिचेर भितर्ल्यान भीग आस्लें देकुन काल्बेल मार्लें. थोडो वळ राव्लों पुण कोणेंय गट उग्ती केलिना. रहिताक फन केल्यारी ताणें म्हजें कल रिसीव केलेंना, देकुन रहिताक अण्णान आश्रमाक आयिल्ली आनी कोणेंय गट उग्ती करिनात्ली विशय मेसजिर धाड्न' चडुणें साडे सातांक हांव पाटिं 'मंगळ ज्यति' आय्लों.

कांय साडे नोवांक म्हाका रहिताचें फन आय्लें. ताणें म्हजी काल्ची तशेंच आय्ची मेसज वाचुल्ली आनी हांव बोंबोय थाव्न आयिल्लों पुण मेळानास्तां पाटिं गेलों म्हळ्ळी बेजाराय ताच्या उत्रांनी आस्लि. ''हांवे परत यव्न तिका मेळ्येत?'' हांवें विचार्लें. ताणें ''जरूर येया ब्रदर'' म्हणतच हांव परत थंय गेलों.

ग्लडिस बाय जिर्ल्लि. अस्कत जाल्ली पुण म्हजो ओळोक धर्न उलय्लि. कांय पन्नास-साठ पिडेस्तां, प्रायेस्तां, भुर्गिं आस्लिं.

रहितान म्हाका सकाळिं कित्याक गट उघडुंक ना म्हण सम्जाय्लें. थोडिं मानसिक पिडेचिं भुर्गिं थंय आश्रमांत आसात. तिं सकाळिं म्हेळें कर्तात आनी तें मेळें थंय हांगा उडय्तात देकुन सकाळिं सग्ळ्यान घाण आस्ता, ती नितळ करुंक दन-तीन वोरां लाग्तात देकुन सकाळिं नव पर्यांत कोणाय्की आमीं भितर घेनांव म्हण. तें परिसर आनी परिगत पळेव्न म्हाका अज्याप जालें. अण्णाचेंच घर हें ब्रदर, पुण पय्लें एकलो उप्रांत अन्यक्लो अशें आतां पन्नासां वय्र प्रायेस्तां, पिडेस्तां आसात देकुन हांव क भाड्याच्या घरा वस्ती कर्तां आनी हें घर ह्या प्राय़ेस्तांच्या सेवेक म्हण दवर्लां म्हणुन रहित सांग्तालो.

रहित सांक्तुस तसले आय्च्या काळार सय्त जियेतात आनी निस्वार्थी सेवा दीव्न आसात म्हळ्ळी दाधोस्काय म्हाका आस्लि.

उप्रांत हांव ग्लडिस बायेच्या खट्ल्यालागिं वचोन तिच्ये बग्लेर बस्लों. ती हर्शेचेपरिं म्हजेलागिं खुशालायेन उलय्तालि. तिणें केदिंच अप्लें दूक म्हजेलागिं वांटुन घेत्ल्लें ना. पुण पय्ले पाव्टिं म्हाका विचार्लें ''म्हाका मेळोंक आय्लाय, म्हाका कितेंय खांव्क हाड्न यव्नांय?'' आय्कुन म्हाका म्हज्या अस्कताकेचेर शिण आय्लो. हांव तुरंत भाग्र यव्न गाडी चालु कर्न लाग्शिल्या एका आंग्डेक वचोन थोड्यो पेकेट्यो बिस्किट्यो आनी चोक्लेटां हाड्न आय्लों आनी तिका दिल्यो.

हें पळेल्ल्या तिची सेवा कर्न आस्च्या सिस्टरिक अज्याप ''ती अशें कोणाय्लागिं मागिना''

हांवें तिका जाप दीव्न सम्जाय्लें ''हांव तिचो कोण़्य़ी न्हय, तिचो खास भावा सार्को''

ग्लडिस बायेक मेळ्ळली गजाल आनी तस्वीर हांवें सशियल मीडियांत घालि, सिज्येस ताकोडेन म्हजेथाव्न तिची माहेत घेत्ली आनी उप्रांत सिज्येस आनी थोडे कोंकणी लखक तिच्या भेटेक गेले. अशें तिची खबर कोंकणी लोकाक मेळोंक लाग्लि. तिच्या सभार अभिमानी वाचप्यांनी पर्गांवाथाव्न सय्त म्हाका संपर्क केलो पुण भव धारुणायेन सांग्चें तर, कोंकणी बरव्पि, संपादक, तिचे समकाळीन, ती जोडिर आस्ताना तिचेथाव्न फाय्दो जोड्लले तिचेविशिं खोडी कुल्पां काड्न तिका हल्क कर्न, तिका सक्ला घाल्न उलय्ताले. विचित्र म्हळ्यार असल्या जाय्त्यांनी सभार पाव्टिं मंग्ळुर थाव्न म्हाका बोंबोय फन कर्न 'ग्लडिस बाय कशी आसा?' म्हण विचार्चें आस्लें.

दीस गेल्लेपरिं तिका वाचुंक जाय्ना, दीश्ट गग्री जाल्या. ओळोक मेळाना म्हण्तालि. हांव चडुणें दन-तीन मय्न्याक क पाव्टिं मंग्ळुराक येतालों आनी हर्येक पाव्टिं हांव तिका मेळोंक वेतालों, पय्लें थोडेपाव्टिं समेश्वरांत तर उप्रांत थोडेपाव्टिं उच्चिला (बीचालागिं) आस्च्या अन्यका आश्रमांत तिका मेळ्तालों. म्हजेसवें सभार लखक मित्र म्हजेसवें आय्ल्यात; डो.आस्टिन प्रभु, माव्रिस शांतिपुर, रिच्ची पिरर, आंड्र्यू डिकुन्हा, रन रोच कास्सिया, एच्चेम... आनी हेर थोडे.

एकका भेटेवेळार म्हाका पार्कुंक मेळ्तालें; ग्लडिस बाय चड आनी चड अस्कत जाल्लि, तिका ओळोक मेळानात्लि. पुण म्हाका ओळ्कताली पुण म्हजें नांव तिका उडासाक यनात्लें. पुण म्हजेलागिं 'म्हाका कितें खांव्क हाड्न आय्लाय आज' म्हण मोगान विचार्तालि. हें आय्कुन आश्रमांत्ली सिस्टरां म्हाका सांग्तालीं; ''ती कोणाय्लागिं अशें विचारिना, पुण म्हजेलागिं विचार्ता.''

उप्रांत तिका पश्चिम रिह्याबिलशन सेंटरा थाव्न कटेकार कोवेंताक व्हरुन थंय तिची जतन घेंव्ची विलवारी केल्लि. ब्रदर रहित म्हाका तवळ तवळ फोनाचेर तिची खबर, तिच्या भलाय्केची माहेत दितालो.

अजीक एका हाफ्त्यादिं (16 जुलाय) रहितान म्हाका फन कर्न सांग्ल्लें ''ब्रदर, ग्लडिस बायेचें आंग सुज्लां, आंगांत्लें उदक देंव्ता देकुन क दन पाव्टिं डोक्टरांक हांगा हाड्लें आनी ताणिं सांग्ललेपरिं

आमी तिका दरळकट्टेच्या येनपयांत्ल्या ऐसियुंत भर्ती केलां.'' म्हणालो. कितेंय गर्ज पड्ली तर म्हाका कळय ब्रदर म्हण हांवें ताका सांग्लें.

ही खबर हांवें म्हज्या वाट्सापं पंग्डांनी आस्च्या ओळ्किच्यांक धाडुन तिच्या भलाय्केपासत मागोंक उलो दिलो. पुण हांतु सय्त स्व-फाय्दो जोड्चांत आम्चा समाजेंत उणें नांत. एकल्या दोगांनी तिचेविशिं शृद्दांजली लखन बरंव्क सुरु कर्न सय्त जाल्लें म्हळ्यार कोण्य़ी पात्येतित? तेंय 'शिक्पि' वर्गांत आस्चांनि. तिच्या उतर प्रायेर तिणें कर्न आस्ल्या निस्वार्थी कोंकणी वाव्राक सय्त अप्ल्या फाय्द्याक गळ्सुंक हे पार्टिं-मुकार चिंतुंक गेल्ले न्हय. बरेंच जालें चडित शिक्पी न्हय आसोन्य़ी बाय ग्लडिस रगोन पय्लेंच जिण्येचें अड्हूक लिसांव शिकोन जाल्लें.

सन्वारा (19 जुलाय) तिका आस्पत्रेंत्लो डिस्चार्ज करुन आश्रमाक हाड्लो. पुन सोमारा (21 जुलाय) सकाळिं तिणें ह्या क्रूर संसाराक सास्णाचो आधव्स माग्लो. ही खबर ब्रदर रहितान फांत्यार दितास्तां हांव अन्यका फोनार आस्लों. तिणें कांय तेंपादिंच म्हाका सांग्ल्लें आसा 'हांव मेल्यार म्हजी कूड के.एम.सि.क दान दिल्या, ती पळेव्न घेतलिं. अण्णाक कस्लिच मोर्नाची विधी नाका, नाका सुंर्गार, नाका बनावटी उत्रांची तारिफ, नाका म्हजो उडास, म्हजेसवें म्हजें नांव सय्त अखर जांव' तिच्या उत्रांनी आस्चा दुकिची गुंडाय पार्कुंची सम्जणी जांव शिकप जांव म्हजेलागिं ना.

आज ग्लडिस बाय आम्चेमधें ना पुण तिणें उटयिल्लें प्रश्न अधुरेंच आसा आनी आम्कां उभेंच चिरुन आसा;

ती अण्णाची खास, व ओळ्किची म्हण्तेल्यांनी अण्णाक अण्णान विचार कर्चो 'अखरिचें केद्रां हांव तिका मेळ्ळों?'

पुण क नख्खें सांग्येता; शेक्ड्यांत असलें वेक्तित्व कांय क दन मेळत. अप्ली जिणिंच कोंकणी आनी हेरां पासत खर्चिल्लि, अण्णापासत कितेंच करिनास्तां, अप्ल्या थाव्न पर्की जाव्न जिविताचिं अखरिचिं वरसां तिणें खर्चिलिं आनी ह्या जिविता हंताची उत्रोण करुन ती गेलि. तिच्या जिविताथाव्न तिच्या चिंत्पाथाव्न तिच्या वेक्तित्वाथाव्न आम्कां शिकुंक जाय्तें आसा.

❑

घाण्याचो सोद

व्हिक्टर ह्यूगो गोम्स

संग्रहालय सुरू करप हें केन्नाच म्हजें सपन नाशिल्लें.

1994 वर्सा राचोल हांगाच्या म्युझियम ऑफ ख्रिस्चन आर्टाचो संस्थापक क्युरेटर आनी प्रशासक म्हूण राजिनामो दिल्या उपरांत हांवें शांतपणान एक वैयक्तीक निर्णय घेतलो: नेटान काबार जावपी गोंयचे पारंपारीक संस्कृतायेंचें जिवीत सांबाळपाक उरिल्लें जिवीत ओंपप. ती एक औपचारीक संस्था जावपाची नाशिल्ली. म्हजें ध्येय आशिल्लें, फकत भुरगेपणांत सुरू केल्लो एक प्रवास चालू दवरप आमचे भुंयेंतल्यो काणयो, तिची बुद्द आनी तिच्या आत्म्याचीं कथनां सांगपी वस्तूंचें दस्तावेजीकरण करप, तांकां सांबाळप आनी मान दिवप.

पूण एकेच वस्तून सगळें बदललें: घाणो.

गोंयचे लोकजिणेंतलो घाणो

गोंयांत फकत रांदपाखातीर आनी दिवे पेटवपाखातीर न्हय, तर डझनभर दुयेंसांचेर घरगुती उपाय म्हण नाल्लाच्या तेलाचो म्हळ्यार खोबरेलाचो व्हड प्रमाणांत उपेग जातालो, अशें इतिहासीक विवरणावयल्यान दिसून येता. तातूंतल्यान स्नायूंची दुखणीं शांत जातालीं, विखारी पदार्थ आनी खोरजे सारक्या कातीच्या संसर्गाचेर उपचार जाताले आनी कान दुखप सोंपतालें. नवजात भुरग्यांखातीर खोबरेलान मालिश करप हो एक गरजेचो विधी आशिल्लो. बाळंतपणाल्यान बरी जावपी आवयक शांत करप आनी सकाळीं वतांत बसचे पयलीं दादल्यांच्या माथ्याक पोशण दिवप हे लेगीत गरजेचे विधी.

खोबरेलाच्या वखदी गुणधर्मांविशीं सांगपी एक गवाय इजिप्तांतलो ब्रिटीश कॉन्सुल जनरल जॉर्ज

बाल्डविन हाचे कडल्यान मेळटा, ताणें 1797 वर्सा बरयिल्लें: ''अजापाची गजाल म्हळ्यार त्या देशांतल्या महामारीच्या चार वर्सांच्या काळांत खोबरेलाचो एक तर वेपार करपी वा तो काडपी एकूय मनीस प्लेगाक बळी पडूंक नाशिल्लो.'' (ब्रागांझा परेरा, 1940).

ताची उपेगशीलताय आनी गोंयांत माडांचें भरपूर प्रमाण पळयल्यार राज्यांत केन्नातरी खोबरेलाचो वेपार फुलतालो हातूंत अजाप दिसना. हालींच्या काळामेरेन तेल उत्पादनाची तयारी करपाखातीर नाल्ल वतांत सुकयतात तें सर्रास दिसतालें. परंपरेन हें तेल बैलांनी ओडून काडिल्ल्या लांकडी घाण्याचो उपेग करून तयार करताले.

घाणो हें फकत एका साधना परस खूब चड आशिल्लें. कुशळ कारागिरी आनी देशी तंत्रगिन्यानाची ही प्रतिमूर्ती एका तेंपार गोंयच्या दर एका गांवाच्या काळजांत आशिल्ली. आयजमेरेन चड करून घाणेकार हें आडनांव धारण करपी समाज हे घाणे चलयतालो. घाणो हो अर्थवेवस्थेचो आनी परंपरेचो कोनशाचो फातर आशिल्लो आनी तातूंतल्यान तयार जाल्लें मोलादीक तेल पवित्र मानताले.

घाण्याचें शरीररचणूक शास्त्र

घाणो ही तेलाची व्हडली लांकडी गिरण, जी बैल ओडटात. ताचें मुखेल आंग सादारणपणान पणसाच्या झाडापसून मेळपी लांकडाचो दाट स्तंभ आसून तो जमनीचेर घट्ट उबो आसता. वयल्या तोंकाक वाटयेच्या आकाराची खांच आसून ताचेर कोसंब लांकडाचे एकमेकांक जोडिल्ले कुडके आसतात आनी ताचे मदल्यान तेल भायर सरपाखातीर ल्हान बुराक आसता.

वयल्या तोंकाभोंवतणीं खांदो नांवाची लांकडी चौकट बसयल्ली आसता, मुसळी म्हूण काम करपी मध्यभुजाक कानो अशें म्हण्टात आनी तो कोसंब लांकडापसूनय तयार करतात. कान्याचें चो एक तोंक घाण्याचे तकलेर बसता, जाल्यार आकुंचन जाल्लें वयलें तोंक दवलो नांवाच्या ल्हान सागवानी भुजाच्या एका तोंकाक कोरांतिल्ल्या कपाच्या आकाराच्या अवसादांत बसता. कातर नांवाचे घुंवपी चौकटीकडेन दवलो जोडटा, ती सादारणपणान सागवानी वा माट्टी लांकडापसून तयार केल्ली आसता आनी ती मुखेल आंगाच्या मदल्या भागाभोंवतणी बसता. भरत्तर ह्या नांवान वळखतात तें फातराचे वजन कातरीक प्रतिसंतुलन करता.

घाणो चलोवपाखातीर बैलाक कातरीक जोडून ताचे भोंवतणी व्हरतात. बैल वांटकुळो चलता तेन्ना कानो घुंवता आनी खोबरें दाबून तेल भायर सरता. उपरांत तेल (खोब्रेल) घाण्याचे तकलेंतल्या बुराकांतल्यान व्हांवता आनी मुळाक आशिल्ले तोटयेंतल्यान भायर सरता.

हे एकमेकांक जोडिल्ले भाग कोरांतून काडपाक जाय आशिल्ली नेमकी कारागिरी ही एक आगळीच कुशळटाय आशिल्ली. खास करून गांवांगांवांत भोंवून घाण्याचें बांदकाम आनी दुरुस्ती करपी काणकोणच्या गुलाब चारी कुटुंबान ताचेर प्रभुत्व मेळयिल्लें.

घाण्याचो सोद सुरू

गोंयच्या वंशशास्त्रीय वस्तूंच्या विसरून गेल्ल्या कोंकणी उतरांचें संकलन करतना 1990 च्या सुमाराक घाण्याविशींचीं म्हजो सोद सुरू जालो. ह्या संशोधनाच्या काळांत हांवें 1882 वर्सा सावन आमचे कोंकणीं भाशेंतल्यान उजवाडाक आयिल्ल्या दर एका कोशांतल्यान विसरून गेल्लो शब्दसंग्रह

आनी परिभाशा परत सोदून काडली. शब्दकोशा उपरांत शब्दकोशांत सोदल्या उपरांत घाणो हें उतर म्हाका गावलें म्हत्वाचें, प्रतिकात्मक आनी तरी लेगीत म्हज्या संग्रहांत तें स्पश्टपणान नाशिल्लें.

पिलार- आगशी वाठारांतल्या एका पाद्री वांगडा भोंवतना, पोरन्या कदंबाच्या वेपारी मार्गांचो सोद घेतना म्हका पयले फावट वास्तव जिणेंतलो घाणो घन्नो सांपडलो. कदंबाच्या काळांत एक मुखेल बंदर आशिल्लें आगशी हें खोबरेलाच्या वेपारांत केंद्रस्थानी आशिल्लें. थंय म्हाका जमनींत अर्दवट पुरून दवरिल्ले दोन व्हडले खांब्याभशेन फातर दिसले. ते सगळे एका काळांत पुरायपणान कार्यक्षम आशिल्ल्या दोन घाण्यांचे उरिल्ले अवशेश, अशें थळाव्या लोकांनी म्हाका सांगलें.

ते घडणुकेन म्हज्या मनांत एक बीं रोयलें. फुडलीं 14 वर्सां पुराय गोंयांतल्या घाणेकार कुटुंबांक भेट दिवन घाण्याविशींचे दरेक खबरीचो आनी गजालींचो हांवें फाटलाव केलो. पूण दर खेपे म्हाका मौन आनी लुकसाण सोडून हेर कितेंच मेळ्ळें ना. पारंपारीक तेल घाण्याचे सुवातेर आतां यंत्रीक तेल गिरणी आयल्यात आनी मूळ लांकडी घाणे ना जाल्यात एक तर तांका मोडून उडयल्यात, भायर उडयल्यात वा लांकूड म्हूण लासून उडयल्यात.

आगोंदा : दायजाचो गोबोर

एक दीस काणकोणा रस्त्या कुशीच्या दुकानांत च्याचो घोंट घेतना गांवांतल्या एका जाण्ट्या मनशान एका तेंपार माडाची सूर आनी खोबरेल काडपा खातीर वळखतात त्या दर्यादेगेवेल्या वाठारांतल्या आगोंदा हांगाच्या घाण्याचो उल्लेख केलो. म्हजो इश्ट केतन नायक आनी हांव रोखडेच आगोंदा वचपाक भायर सरले.

घाणेकाराच्या घरांत पावले तेन्ना दर्यादेगेर आशिल्लें सादें हिंदू घर बांदकामाचें काम चालू आशिल्ल्याचें आमकां दिसलें. मानांय जमीन निवळ करताले आनी एका कोनशाक व्हडलें अग्नीकुंड पेटिल्लें. चवकशी करतकच जाण्ट्या घाणेकारान उज्या कडेन बोट दाखयलें. ''अनेक वर्सां थावन तो पडून आशिल्लो'' ताणें शांतपणान सांगलें. ''आतां जमीन विकल्या, देखून नव्या मालका खातीर सुवात निवळ करपाक जाळून उडयलो.''

म्हजें काळीज थांबता अशें म्हाका दिसलें. आमी उज्या कडेन धांवले, पूण घाण्याचो फकत गोबोर उरिल्लो.

हांवें ती जमीन कित्याक विकली अशें विचारलें तेन्ना ताणें पयस पळयलें आनी तो मोव आवाजांत उलयलो, ''म्हजो पूत आतां मुख्यमंत्र्याचो बॉडीगार्ड जाला. आमी तीस लाखांक ही जमीन विकली जाल्यार ताका बडटी मेळटली अशें उतर आमकां मेळिल्लें. अमेरिकेंत शिकपी मंत्र्याच्या पुताक परत गोंयांत येवन माडा मुळांत बसून आडसराचें उदक पिवपाची इत्सा आशिल्ली.''

गोंयच्या आत्म्याच्या कुडक्याच्या निमाण्या संस्काराच्या इल्याचेर दाटिल्लीं धुंवराचीं कुपां फाटीं सोडून केतन आनी हांव मोन्यांनी भायर सरले.

आशेचो एक किरण

फुडें दोन किलोमीटर पयस एका जाण्ट्या खाडया मनशान आमकां हात दाखोवन लिफ्ट मागली. गाडयेंत ताणें आमचे भेटी विशीं विचारलें. आमी लाशिल्ल्या घाण्याची गजाल सांगली तेन्ना ताणें कांय

वेळ थांबून म्हणलें, ''काणकोणांत एक पोरनो घाणेकार आसा, ताचो पूत टेलरिंग दुकान चलयता. घडये तांचेकडेन अजूनय घाणो आसा.''

म्हजी आशा परत चाळवली. आमी दर्ज्याच्या दुकानांत थांबले. म्हजी काणी आयकल्या उपरांत दर्ज्यान सांगलें, तांच्या फाटल्या आंगणांत तांच्या पोरन्या घाण्याचे कांय भाग पडिल्ले आसूं येतात. पूण ताचो बापूय हालींच काळजाची शस्त्रक्रिया करून परत आयिल्लो आनी देखून तेन्ना तो आमकां मेळूंक शकलो ना. आमी फोन नंबरांची अदलाबदल केली आनी हांव आशा दवरून पूण सावध जावन घरा परतलों.

मजगतीं, म्हजे भोंवडेंन म्हाका गोंयच्या दक्षिणेकडल्या गांवांनी खोल मेरेन व्हेलो. फातराचेर आदारिल्ले दोन घाणे अजूनय चलोवपी दोन कॅथलीक भावांकडेन म्हजो परिचय जालो म्हज्या जिवितांत हांवें पळयल्ले ते एकमेव सक्रिय तेलाचे घाणे. ह्या भावांच्या माध्यमांतल्यान म्हाका च्यारी कुटुंबांतलो कारागीर, गुलाब मेळ्ळो आनी ताणें घाण्याची सविस्तर शरीररचणूक आनी ताचे एकमेकांक जोडिल्ले लांकडी भाग कोरांतून काडपाक वापरिल्लीं खाशेलीं तंत्रां म्हाका उदार मनान सांगलीं.

घाण्याचो पुनर्जल्म

मागीर हांव जाची वाट पळयत राविल्लों तो फोन आयलो. दर्ज्याचो बापूय म्हाका मेळपाक तयार आशिल्लो.

व्हड आशेन धडधडटें काळीज घेवन हांव परत काणकोणां धांवलों. पोरनो घाणेकार, चावडेचो बालाजी आनंद नायक, दुबळो पूण तीक्ष्ण दोळे. ताणें म्हाका एका शेडांत व्हेलो, थंय घाण्याचे अवशेश पडिल्ले. थंय म्हाका घाण्याची मुखेल लांकडी कूड, एका तेंपार बैलांनी ओडिल्ल्या जोताचो हात आनी फ्रेमीचे कुडके मेळ्ळे सगळे अर्दकुटे वायटींनी खाल्ले आनी अनेक दसकां जमनीपोंदा कोस्मेल्ले. मुसळी (मदलो शाफ्ट) आनी तेलाची तोटी नाशिल्ली. मुळसाचें खूब लुकसाण जाल्लें.

ताचे खातीर ताका कितले दुडू जाय अशें हांवें हळूच विचारलें. दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवयत ताणें म्हणलें, ''हांव हाका फकत लांकूड समजतालों, तो आतां इतिहासाचोच एक भाग जातलो, ताचे खातीर म्हाका कांयच दुडू नाकात.''

उपरांत अजूनय आपलो घाणो चलवपी त्या कॅथलिक भावांनी सद्या वापरिनाशिल्ली एक मुसळी उदार मनान दान केली– घाणो पुराय करपाक म्हाका जाय आशिल्लो, पूण शेणिल्लो कुडको.

पावस लागीं पावतकच म्हाका म्हाका बेगीन कृती करची पडटली हें कळळें. हांवें म्हज्या सेंद्रीय शेतांतलो एक भाग निवळ केलो. म्हज्या घराच्या मुखारच, जंय हांवें वखदी वनस्पतीं खातीर एक प्लॉट सांबाळील्लो, थंय हांवें घाण्याचो आदार तयार केलो आनी तो आदीं उबो आशिल्लो तसो धर्तीर उबो केलो. एका तेंपार म्हजें वस्तू संग्रहालय निर्माण करचेपासत हांव चलयतलों त्या ह्यूगोज हंगरी हिल ह्या रेस्टॉरंटाच्या मोडून उडयल्ल्या अवशेशांतल्यान सगळें सामान घेवन, त्या घाण्याची राखण करुंक हांवें जीआय नळयो, मातयेचे नळे वापरून एक ५५ मीटर आलाशिरो बांदलो.

घाणो एक प्रतीक म्हूण परत उबो रावलो. आतां ताच्या नशीबांत लासून वचपाचें नाशिल्लें.

गोवा चित्राचो जल्म

एकाच वस्तूची राखण करपाखातीर बांदिल्लो हो इल्लोसो आलाशिरो रोखडोच वाडलो. हेर साधनां ताका जोडलीं नांगर, जमीन नितळ करपाचीं साधनां, भात कांडपाचीं आनी शिंपणावळ साधनां, धान्य सांठोवपाचीं आयदनां हीं सगळीं गोंयच्या शेतकी जिणेची कथा सांगपा खातीर विशयीक रितीन मांडली: तिची जमीन, तिचे लोक, तांचे संस्कार आनी तांची बुद्द .

हांवें मेळयिल्लो दरेक रुपया हो संग्रह वाडोवपाक गेलो. ल्हव ल्हव ताचें रुपांतर गोवा चित्र संग्रहालयांत जालें, ब्लूप्रिंटाचेर भव्य संस्थात्मक येवजणेंतल्यान न्हय, तर सोडवणूक आनी पुनर्स्थापनेचे कृतींतल्यान– आमच्या पूर्वजांचें गिन्यान आनी भावना विस्मृतींत वचच्यो नात अशें एक आश्वासन.

घाणो ही फकत संग्रहालयाची पयली वस्तू न्हय तर ताच्या काळजाची धडधड आनी जीव जालो. म्हज्या यत्नांक उदार मनान आदार दिवपी लिंटासाचो आदलो सृजनशील मुखेली बिस्मार्क डायस हाणें गोवा चित्राचो लोगो डिझायन करपाक केंद्रीय वस्तू म्हूण घाण्याक वेंचून काडलो.

आयज मेरेन गोवा चित्रांतलो घाणो म्हज्या गिन्यानाप्रमाणें अस्तित्वांत आशिल्लो एकूच पुराय स्वरूपांत उरला एक भव्य अवशेश आनी एका तेंपार आमचे भुंयेर फुलपी कारागिरी आनी देशी गिन्यानाची एक मौन तरी बळिश्ट याद.

लांकडा पलतडीन वचपी एक दायज

म्हजेखातीर घाणो फकत खोबरेल काडपी न्हय. भुंयेवांगडा एका तालांत जगपी जिणेचें हें प्रतीक. तातूंत पूर्वजांची बुद्द, टिकावूपण आनी असामान्य परंपरेक आकार दिवपी सादारण लोकांची हुशारी हांचो आस्पाव जाता.

गोवा चित्राची सुरवात हे एकेच वस्तून जाली तरी ती कथा आमच्या सगळ्यांची. आदरान मान दिवपा सारकी सगळ्यांत नम्र वस्तू लेगीत चळवळीक स्फुरण दिवंक शकता, संस्थेक प्रेरणा दिवंक शकता आनी समाजाक यादी आनी अभिमानाच्या आदारान एकठांय हाडूंक शकता हाची एक गवाय म्हूण घाणो उबो आसा.

आमी ताची राखण करुया फकत दायज म्हूण न्हय, पूण आमकां एकठांय बांदपाक जाय आशिल्ल्या फुडारा खातीर मार्गदर्शक उजवाड म्हूण. कारण घाण्याच्या रूपांत, आमी गोंयचो आत्मो वाचयतात.

❑

एक मुक्त चिंतन जनेलां–तल्यान...
विशाल सिनाय खांडेपारकार

एच्चेम पेरनाळ, 1968, पेरनाळ, कर्नाटका राज्यांतलो मोलादीक कोंकणी कवी, लेखक, समिक्षक, आनी कोंकणीचो गुणेस्त कार्यकर्तो. अजून मेरेन पेरनाळ हांणी सुमार 750, कविता, 100 वयर कथा, आनी दोन हजारां वयर समिक्षणात्मक लेख कोंकणीं, कन्नड, इंग्लीश , हिंदी, मराठी अश्या भासांनी उजवाडाक हाडल्यात. हालींच कवी पेरनाळाचो किटाळ प्रकाशनाचे वतीन जनेल हो कवितांचो संग्रह उजवाडायलो. जेश्ट कवी माधव बोरकार हांणी ' कोंकणी कवितेक नवें आयाम दिवचे प्रेतन' अशी सुंदर प्रस्तावना बरयल्या.

तशे इतिहास नियाळ्यारी मंगळुरांच्या दरेका कोंकणी मनशांच्या उलोवपांत कोंकणी काव्य रसरसून भरलां. ही व्हड गिरेस्त परंपरा सांबाळपाक आयचे तरणाटे खांदो मारतात, तें पळोवन खोस भोगता. मंगळुरांच्या कवींनी कोंकणी साहित्य संपदा गिरेस्त केल्या. ह्या समाजांतले कवी बी. वी. बाळिगा, कवी गोविंद पै, रत्नाकर शणै, गौरीश कायकिणी, स्मिता शणै, गुरु बाळिगा, सुरेश बाळिगा, लुवीस मास्कारेन्हस, जे.बी. मोरायश, फेलिक्स पॉल, फा. आंतोन जुआंव सौज, फा. लुवीस बोतेल्लो, स्वामी सुप्रिय, चा.फ्रा. दि. कॉस्ता आदीं. तशेंच मेल्विन रोड्रिगीस, विल्सन काटील, फा. जॉसी सिद्धकाटे, रोशु बाजपे, फॅल्सी डॅरेबायल, जॉयस पिंटो, प्रमिला फ्लाविया आफोंसो, पांगला एन्ड्रू डि कुन्हा,ग्लेनिश मार्तीस, सान्नू मॉनीस, अँथनी बार्कूस, वेंकटेश नायक, स्टॅनी बॅला, किरण निर्कान आनी आदीं. अश्या ह्या आधुनीक कविंनी उत्तम कोंकणी साहित्यकृती रचून कवितेचें मळ गिरेस्त केलां. तातुंतलोच हेच पिळगेंतलो म्हजो मंगळुरचो इश्ट आनी प्रतिभावंत कवी एच्चेम पेरनाळ. ताच्या 'जनेल' पुस्तकां विशीं बार्कूर बरयतात, –

''आमच्या विखंडीत अणभवांक समांतरता दाखयता. कल्पना साहित्य तयार करपाची पेर्नाळाचीं तांक उजवाडाक हाडटा. गर्भपात, चत्राय सारकिल्ल्यो कविता खर सत्यांक अविचल प्रामाणीकपणान तोंड दितात. जाल्यार कविता कलेच्या परिवर्तनकारी शक्तीचेर चेतन करतात. कवी पेर्नाळाचो आवाज अंतरंग आनी बंडखोर असोय आसता. नेमांक प्रस्नचिन उबें लवचीकपणान मोनेपणान मनयतात.'' अशें लेखक किशू बार्कूर आपलो अभिप्राय दितात.''

दार सोयऱ्यांचें जनेल चोरांचें,
तरुय दारार चाबकर सुणें
जनेलार सोबीत माजर,
दार घोवाचें, जनेल प्रेमिचें...
देखून मिसता,–
एका घराक दार एक
जनेलां मात साबार... (जनेल, पान 2)

सांकेतीक भास, अर्थाची खोलाय, आनी आधुनीक परंपरेचें नेम मोडून कवी एच्चेम पेरनाळ मनशाच्या अस्तित्वाचो सोद घेतना दिसता. माजर, सुणे, घोव सारकीं प्रतिमा मोगाची भास केळयतना दिसतात. आय. एस. रिचर्ड हो जाणकार, – '' ' .' ह्या उतरांनी प्रतिमाची व्याख्या करता.कवितेंत काव्य प्रतिमेक खूब म्हत्व प्राप्त जालां. देखून ती संवेदनशील रचना जावन आसा. प्रतिमा हिका गती आसता. प्रतिमा ही आमच्या दोळ्या सामकार चित्रां उबी करता. देखून प्रतिमा कवितेंची मुळावी गरज जाता. तेन्ना प्रतिमा आनी संवेदनां हांकां एकामेकां पासून वेगळीं करूंक नज. अशे तरेच्यो प्रतिमां आनी संवेदनां कवी पेरनाळ हांच्या कवितांनी येतात. तशेंच 'जनेल' हे कवितेंक कवी बरयता...

एका घराक दार एक..
जनेलां मात साबार...

जनेलांतल्यो ह्यो दोनूच ओळी म्हाका चड भावतात. आयज आमचो कोंकणी समाज लिपी आनी जात, कात आनी पात हाका लागून शिंपडून गेला. जशें परीं घराचें एक 'दार' म्हणल्यार कोंकणी आमचीं भास. त्या घराचीं '' जनेलां'' (लिपी) मात साबार !... असो सुचक अर्थ कवी पेरनाळ दिना मूं? दुसरे वटेन जनेल, 'दार ' आनी 'जनेल ' ह्यो दोनूय मोगाची प्रतिमा म्हणून आमचे मुखार उबी करतात. दादलो आनी अस्तुरी हांची मोगाची अकल्पनीक सांकेतीत भास कवितेंत दिसतात. म्हाका ही ताची कविता खूब आवडली. सादीं सोंपी भास, उतरां मनाक भुरळ घालतात. पूण तितलेंच मन अस्वस्थ करतात. 'जनेल' ह्या उतरांत खूब तांक आसा. तशे पळयल्यार. 'जनेलां' भायर. धर्तरेचेय जायते प्रकाराचे रंग आसात पूण जनेलां हवादार (airy) जावन न्हय. तर तांच्या रंगांक लागून वळखतात. 'जनेलां' इतलीय व्हडलीं न्हय, तीं दार जातली !, आनीक इतलींच धाकटुलींय न्हय 'झरोखा' वा 'स्कायलायट; म्हणटात. जनेलांच्या आकारान रंग नासता, बस्स !, आकार आसता. एक हवादार आकार !.. केन्ना–केन्नाय चिंततां हांव, आमचें जिवीत हवामान आशिल्ल्या जनेलां सारकें आसूंक जाय आशिल्लें. जाका लागून मळबांतले बदलपी रंग आमकां पळोवंक मेळटले!... पृथ्वीचे चौकोन मेजूंक शकतले!.. वाऱ्याचीं झुळूंक समजूं शकतले !. तेन्ना अशेय दिसलें,–. ' ह्या देशाक दाराची न्हयच तर, जनेलांची खरी गरज आसा. जेन्ना–केन्नाय तुमी जनेला भायर पळयतात,– 'मागीर, संवसार कितलो सोबीत दिसता!... आनी भायल्यान भितर, जनेला कडेन पळयतना मागीर जनेलां लेगीत कांय प्रमाणांत चड

मंत्रुमग्ध करपी दिसतात. जीं आमच्या जिविता सारकीं आसतात. जायते फावटीं म्हाका प्रस्न पडटा, 'जनेलां नाशिल्ली जाल्यार कितें जातलें, आशिल्लें काय?. जनेलां नाशिल्लींच दारां? आमच्या सौंदर्यशास्त्राचें कितें दशा जातली काय?.. जनेलां नाशिल्लीं दारां सोबतलीं व्हय. ?..जनेलां नासतना कुडीक विचारपाचो यत्न करात. जनेलां नासतना दार अपूर्ण दिसता. देखून जनेलां हीं मनशाचे रचनात्मक ताने सारकीं आसतात. आपल्या निमण्या दिसांनी खंय, शाहजहान मुमताजाक जनेलांतल्यान बारीकसाणेन तेळटालो. तुमी आनी आमी मुमताजाक ताजमहल म्हणटात. ताजाक जसो जनेलांतल्या आदारान जितलो चड समजूंक शकता, तितलो भितरल्यान न्हय. हेंय तितलेंच सत्य. त्या जनेलांतल्यान विलासी राजवाड्यांचीं बसकेंतलीं गुपितां, राणयो आनी राजकन्या सभाघरांतल्यान पळयतालीं. हें विसरूं कशेंच नज. अशी हीं एच्चेम पेरनाळाचीं जनेलां आदल्यो यादीं उस्तितात. रघुविर प्रसादाची पुराय जीण जनेला कडेन जोडिल्ली आसा. घडये जनेल नाशिल्लें जाल्यार आयज रघुविर प्रसादाचो उगडास येवचो नाशिल्लो. तांणी जनेलांचेर कविता, कथा, कादंबरी बरयल्यात. फाययदोर दोसस्तोयेवस्कीची 'अपराध और दंड', च्या चड करून सगळ्यांत बरे दृश्य, विचार आनी मार्मिक एपिसोड नायका कुडीच्या जनेलाचो आदार घेवन व्यक्त जाल्यात. जंय खरें म्हणल्यार, समिक्षक सदांच मेंदवाच्या उक्त्या जनेलां कडेन रचना समजून घेवपाक सांगतात. जायते फावटीं जनेलांच्या आदारान महात्मा गांधीजी, ह्या प्रस्नांचेर जनेलां उक्तीं दवरपा विशीं उलयतात. घरांतल्या जनेलांचो उमळशीक एकूच जिवीत म्हळ्यार उदरताय आनी आपलेच आग्रह दोनूय सारकेच.. निमाणें जनेल म्हळ्यार आत्मभान आशिल्ली ही कविता मनशाच्या अंतमनाचो सोद घेता. तेन्ना कवी पेरनाळ म्हणटा,–

घराचें जनेल दारा तेदें,
व्हड कांय न्हय..
पूण...

अशींच कवी पेरनाळाती 'गर्भपात' ही कविता अस्तुरी आनी समाजाच्या विघात करण्यांचेर बडी मारता. एक खोल विचार कविता वाचतना मनाक दुख्खेस्त केल्या बगर रावना. आयच्या समाजाचें वास्तव ही कविता चित्रायता.

जीवघाताच्यो खबरो करच्यांत,
हांव कविता बरोवंक विसरातां
जेन्ना हांव कांय तुर्त खबर येतां
सदां मरच्या मनश्यां मधें
कवितेचो म्हज्या गर्भ बसचे आदींच स्त्राव जाता... (गर्भापात, 58)

ही कवितेंत डीप विचार आसा. खोलायेन ह्या कवितेंतल्यो सदां मरच्या मनश्यां मधें, कवितेचो म्हज्या गर्भ बसचे आदींच स्त्राव जाता?...सुचक उतरांनी कवी सुचयता, केन्ना-केन्ना अस्तुरी न्हय तर समाजाचें दुख्ख सोंसून कवींच्या उतरांचो गर्भापात जावं येता. कवी एच्चेम पेरनाळ ह्या कवितेच्यो कवितां वाचतना म्हाका मूळ फ्रेंच लेखक गी द मोपासॉ हो एकुणीसाव्या शेंकड्यांतलो बरोच नामनेचो फ्रेच लेखकाचो उगडास येता. ताका लघुकथेचो 'बादशाह' म्हणटात. 1850 ते 1893 ताका अल्प जीण फावो जाली. 'नॅचरआलिस्ट' साहित्याच्या युगाचो एक म्हत्वाचो प्रतिनिधी म्हूण ताचें नांव मानान घेतात. मनशाच्या जिविताचेर टिप्पणी करतना ताणें खुबदां नशीब, मनशाचेर सतत समाजीक दबावाक लागून जावपी निराशा, ताचे वांगडा येवपी दुख्ख अशे विशय हाताळटाले. अश्या फ्रेंच लेखक गी द

मोपासॉ हांचे समाजाचें दुख्ख आयज एच्चेन पेरनाळ घेवन वतना ठळकपणान होल्मता. अशें म्हणल्यार हांव चुकत काय?..

'' क्रिकेट आनी झुज, झुज नातल्ल्या देशात, झुज, '', ही कवी पेरनाळाची कविता आधुनीक वास्तव मांडटा. कवी पेरनाळ म्हणटा,–

क्रिकेटाक आनी झुजाक
चड कांयच फरक ना.
दोन देश, दोन टिमां.
टिमाक एक मुखेली, सांगांता खेळगडी
आसल्यार पुरो एक मयदान
सुरु करयेत मॅच वा झुज...
क्रिकेटाक आनी झुजाक
चड कांयच फरक ना...
क्रिकेटांत पडटात विकेटी
आनी झुजांत मडीं... (पान 87, क्रिकेट आनी झुज)

झुज ही एक सुवात, जंय तरणाटे जे एकामेकांक वळखनात. आनी केन्नाच दरेकाचो दुस्वासुय करून नकळं. तरीय देशाच्या मोगान दुसऱ्यांनी दिल्ल्या, निर्णयांचेर आदारून एकामेकांक जिवेशी मारतात. पूण एकामेकांक वळखुपींच जाणट्यांनी तयार केल्लें हें झुज. मनीस जातीचो दुस्वास करून एकामेकांक आड तरणाट्यांक झुजयतात. अजापाची गजाल मात, हे तरणाट्यांक आदेश दिवपी फुडारी मात झुजा मळार मडीं काडपाक येनांत. असोच वास्तवीक गूड संदेस कवी एच्चेम पेरनाळ दिता. तशें आमी वाचन केल्यार आर्विल्ल्या ब्रिटीश साहित्यांत 'वॉर' पोएट्सांनी आकांताच्यो रचना रचल्यांत. तांचो उल्लेख करचो जाल्यार विल्फ्रेड ओवेन, रॉबर्ट ग्रेव्हस, सिगफ्रिड सॅसून, व्हिड जॉन्स, आयव्हर गुर्नी, रुपर्ट ब्रुक, एकवर्ड थॉमस, आयझॅक रोझनबर्ग आदी. पूण सदांकाळ म्हाका प्रेरणा दिता 'द सोल्जर', ही रुपर्ट ब्रूक हांणी बरयिल्ली कविता. ताच्या मरणा उपरांत म्हणल्यार 1914 त ती उजवाडाक आयली.ती अशी

'द सोल्जर'

हांव मरूंक जाय जाल्यार
फकत म्हजेर विचार करात,
परक्या मळाचो एक कोनसो आसा,
जो फकत इंग्लडा खातीर
त्या समृद्ध धर्तरिचेर धुल्ल लिपोवन दवरिल्लो
एक धुळ जाका इंग्लडान बोर केलो,
आकार दिवन जागृत केलो.
एकदां तिचीं मोगाचीं फुलां
इंग्लडाचें श्वास घेवपी इंग्लीश हवेंचें एक शरीर.
न्हंयांना व्हांवपी, घरांतल्यान सुर्यान धुंवपी,

विचार करात, हें काळीज, सगळें सृश्ट व्हांवन गेलें…

आपलें बलिदान म्हळ्यार ताची कूड पुरिल्ल्या जमनीच्या ल्हानश्या भागाची इंग्लडाचीं शाश्वत धनीपण आसतली. अशें जाहिर करून आपल्या मायभूंयेक आपली देशभक्ती जाहिर करपी एका मेल्ल्या सैनिकाचो यादस्तिकांचो, ह्या सॉनेटांत आस्पाव जाता. हें काव्य पेत्रार्चन सॉनेटाच्या सामान्य उद्देशाक पाळो दिना अशें दिसता. ह्या स्वरुपांत प्रथा आसा. तशी नाशाडी वा संकल्प हांचे विशी खऱ्या अर्थान खोलायेन म्हायती मेळना. पूण इंग्लीश सैनिकाच्या आनंदी अवस्थेंत वातावरण सतत उरता.

कवी पेरनाळच्यो कांय 'मोर्चुरवींतली मडीं, 'पोस्ट मॉर्टम,' सुयीसैड नोट, कवीचें मरण, सुटका, मेल्ल्यांच्यो तस्वीऱ्यो.. गूढ आनी उत्कंठावर्धक आसात. कवी खूब दुख्खेस्त आनी निराशीपणाचो सूर व्यक्त करता. कवी पेरनाळाची मरण कडेन पळोवपाची नदर तोखणाय करपा सारकीं आसा. कवी पेरनाळाची 'सिल्विया' ही कविता चड भावता. सिल्वियाचे मन वाडून कविचो आवाज स्तब्द जाता. तेन्नाच जिणेंतली ताची कविताय एक प्रस्न जाता. आनी मुखार वचून कवी पेरनाळ म्हणटा–

'' आतां अनवळखी गांवांत
मरणांत तुज्या मिस्तेर सोधतां
कवितेंत प्रस्नाक जाप
आनी जिणयेंत मोगाची शीर
तुका मेळ नातल्ली…(पान, 76 सिल्विया)

'सिल्विया प्लाथ' ही अमेरिकेची तरणाटी कवियत्री. वयाचे 30 व्या वर्साचे पिरायेर तिणें आत्महत्या केली. भाशेचो जळपी वापर आनी तिच्या कृतिंनी धक्को दिवपी प्रमाणीकपणाक लागून प्लाथा ककफेशनल कविता चळवळींत आनी 1960 च्या दसकांत सुरू जाल्ल्या, बायलां चळवळीच्या साहित्यांत एक मुखेल व्यक्ती करपाक मजत जाली. सिल्विया प्लाथ 21 व्या शेंकड्यांतल्या जायत्या लेखकांचेर प्रभाव चालूच आसा.

म्हाका पेरनाळ हांचा चड भाविल्ली कविता म्हणल्यार 'सवीस इकरा', ही कविता 26 नोव्हेंबर 2026, उगडास काडटा. पाकिस्तानांतले धा आतांकवादी मुंबय न्हंयचे मार्गान येवन निश्पाप लोकांचे बळी घेतले. तातूंत 175 लोकांचे बळी गेले. सुमार 300 लोक सासणाचे दुख्खेस्त जाले. कवी पेरवाळ ह्या लोकांच्या दुख्खांत आपूण वांटेकार जावन म्हणटा,–

सवीस इकरा,–
ल्हारांचेर फार.
मोगार पडल्लो दीस…

कविता म्हळ्यार 'रसाळ वाक्य' असो आदल्या तेंपार समज आशिल्लो. मागीर कांय जाणकारांचीं मतां आयलीं. 'कविता म्हळ्यार जिणेच्या खोल अणभावातल्यान जी भावना निर्माण जाता, ती उग्ती जावप हेंच खरें काव्य'. पूण आयज एच्चेम पेरनाळ सारको आधुनीक कवी ''कविता कशी आसूंक जाय?''..हाची जाप आपले भाशेंत अशी दिता.

कविता आसूंक जाय?…
कसायगाराच्या पाजलेल्या कोयत्या परीं,
मार एक कुके दोन , हाडाय तासून वेचेपरीं… (पान,36 कविता आसूंक जाय?..)

म्हज्या मतान, कवी एच्चेम पेरनाळाचे पुस्तकाचें दार उगडून जनेलांतल्या नियाळटना कवी राश्ट्रीय आनी आंतरराश्ट्रीय मळावेले प्रस्नांची जाप सोदता. तेन्ना कवी पेरनाळ केन्ना निराशी जाता,तर केन्ना खोशीय. झुज, जल्म – मरण, मनीसपण, अस्तुरी, सैम आनीक हेर समाजीक विशय हाताळटना कवी पेरनाळ संवेदनशील जातना दिसता. समाजांतल्यो बऱ्यो-वायट घडणुको, प्रसंग, बरे-वायट अणभव, सूख-दुख्ख ह्या गजालींचो कवी अदमास घेता. फिलीप व्हिलरायट हो नामेनेचो कवी म्हणटा,- भाशेच्यो दोन तरा आमी येवजूंक जाय एक स्थीर भास आनी दुसरी व्हांवती भास. तेन्नाच कवीचे लेखन सार्थाक पावलें अशें समजुवंचें. असो कवी एच्चेम पेरनाळ आपल्या जिणेतलो आंतरीक संघर्श आनी समाजीक अस्वस्थताय, अश्या प्रस्नांची जाप सोदतां...'जनेलां- तल्यान'

❑



मुखेल खबरो

मुकेश थळी

आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर 1993 सावन हांव नेमान न्यूज रीडर सेवेंत रूजू जालों. ताचे आदीं हांव स वर्सां गोवा विद्यापिठाच्या कोंकणी विश्वकोश विभागांत संशोधन सहाय्यक म्हूण सेवेंत आशिल्लों. आकाशवाणीन म्हज्या नांवाक आनी आवाजाक एक वळख म्हळ्यार आयडेंटीटी दिली. वृत्तनिवेदक सदांच आपलें नांव पयलीं सांगता आनी मागीर बातम्यो वाचूंक सुरू करता. भारतभर ही प्रथा कायम पाळटात. एकेक बातमी तयार करपाक कितल्याशाच जाणांचे हात लागिल्ले आसतात. तातूंत रिपोर्टर आसतात. संपादकाचो हात आसता. सहनिवेदक अणकार करता. तरी लेगीत वृत्तनिवेदकाक आपलें नांव सांगून बातम्यो सुरू करपाची मेकळीक दिल्ली आसा. लोकांक आवाजाची संवय जाता. वृत्तनिवेदकाचें नांव घरगुती नांव कशें जाता. आकाशवाणी पणजी म्हणना फुडें घरांत रेडीयो लायलो थंय आयकुपीच उच्चार करता 'मुकेश थळी तुमकां प्रादेशीक खबरो दिता.'

वृत्तवाचन लायव्ह आसता. तो एक थऱारक अणभव आसता. ते विशींचे अणभव कितलेशेच. बातम्यो वाचपाचे तेंगशेर वा नेटार आसतना अकस्मात लायट वतकच मूड वचप हो एक अणभव. बातमेचो कांय भाग ट्रिपींग जाल्ल्यान वाऱ्यार वचूंक ना हें तुका वाचलां थंय कळनासप अशे जायते अणभव हे.

म्हज्यांतल्या लेखकाक आकाशवाणीन खूब खूब गजालींची स्पष्टता दिली. तातूंतली मुखेल म्हळ्यार, भौतीक प्रगती ही पुरायेन राजकारणाचेर पातयेवन आसता ही. कारण साहित्यांत जीण येता, जिणेंत ओढाताण, संघर्ष, सुख दुख्ख येता, गरिबी, आर्थिक स्थिती, चड उतार येतात. तळागाळांतले

उदरगतीची जिणेच्या उदरगतीची दोरी ही राजकीय फुडारपणाच्या हातांत आसता ही समज आकाशवाणीच्या बातम्यांतल्यान कळ्ळी. तातूंतल्यान म्हजे साहित्य साधनेक नवे आंकूर कोंब फुटले.

कारण रेडीयोच्यो बातम्यो सरकारी आशिल्ल्यान सरकारी येवजण्यो, विकास, उपक्रम वा राजकीय घडामोडींच्या कथनांतल्यान बातम्यो सुरू जातात.

आकाशवाणीन माहिती, ज्ञान, मनोरंजनाच्यो अकल्पनीय घोली दाखयल्यो. आकाशवाणीचेर अदींमदीं कलाकार येताले. रिकॉर्डींगा खातीर. कांय जाण टॉक दिवपाक येताले. कांय जाणांच्यो मुलाखती आसताल्यो. हातूंतल्यान दिसपट्टो ज्ञानविस्तार जायत गेलो. आकाशवाणीन voice culture म्हणजे आवाजाची धाटणी या विशयावर जायत्यो गजाली आमकां शिकयल्यो. मुंबयचे दिल्लीचे वरीष्ठ येताले तेन्ना ते आमकां आवाजाचे हे दुनियेविशीं विकसित कशें जायत रावप हें शिकयताले. उपरांत हांगाच्या पणजे केंद्रांतल्या नैमित्तिक न्यूज रीडरांक हें प्रशिक्षण दी अशें सांगताले. शिकप शिकोवप हे प्रक्रियेंतल्यान आवाजाच्या विश्वाचे जायते नवे कंगोरे, आयाम कळ्ळे. निवडणूक, मतमेजणी, चवथ, न्यू इयर, सरकार अस्थिर जावप वा पडप अशा वेळार नवी दिल्ली न्यूज मुख्यालयांतल्यान फोन येताले. बायट वा व्हॉईस ओव्हर धाडपा खातीर. ते हिंदी, इंग्लीश आनी मराठी भाशेंतल्यान आसताले. ह्या मोलादीक संदींतल्यान बरो सराव घडलो. आमचो आवाज देशभर वतालो. बिहार, कोलकाता, दिल्ली बी केंद्रांवेले समपदस्थ मुकेशजी, आपकी आवाज सुनी, अशें सांगून फोन करताले. समाधान जातालें.

रेडीयो समाचाराच्या या विश्वांत वळखी खूब जाल्यो. देशभर पातळिल्ल्या खंयच्याय केंद्रांतले न्यूज रीडर आनी हेर अधिकारी एकामेकांक वळखताले. रेडीयोच्या वेबसायटीर देभभरांतल्या आकाशवाणीच्या न्यूज विभागांतल्या अधिकाऱ्यांचे फोन क्रमांक, ऩांवां आसतालीं.

वळखी खातीर हो एक बरो संपर्क साकव जमून आयिल्लो. गोंय हें आवडीचें पर्यटन थळ आशिल्ल्यान जायते अधिकारी आल्तीन आकाशवाणीच्या गेस्ट हावजांत येवन रावताले. बुकींग करचें हे खातीर आदीं म्हाका विनंती करपी फोन करताले. तांचे फोना वयले आवाज इतले गोड, रेशमी, मधुर आसताले की तो नाद आयकत रावचो कसो दिसतालें.

आकाशवाणी खातीर राष्ट्रीय बुलेटीनाच्यो बातम्यो येतात, त्यो इंग्लीश वा हिंदींतल्यान येतात. त्या वेळा भितर आनी अचूकपणान अणकारीत करप हें एक आव्हान आसता. तातूंत कठीण तंत्रीक उतरांय आसतात. वेळ कमी आनी गती नेटाची. ही कसोटी आनी ही कसरत करपाचें उत्तरदायित्व न्यूज रीडराक सिद्ध करून दाखोवचें पडटा. कांय खेपे हांव ऐन वगतार आयिल्ल्यो इंग्लीश बातम्यो त्याच कागदार म्हज्या लघुलिपींत खड्डून व्हरून मायकाचेर लायव्ह वाचतालों. प्रोफेशनल फिशालकाय आनी निवेदन ह्या दोन कौशल्यांची घट्ट पकड आकाशवाणीन अशे तरेन मेळोवन दिली.

आकाशवाणीन पराकोटीची शिस्त शिकयली. सकाळचे शिफ्टीक स वरांआदीं पावंक जाय. कारण साडेस वरांचेर एफएम हेडलायन्स तयार करून वाचपाच्यो आसतात. फुडलीं बुलेटीनां असतात. घोग्यांनी पावस आसल्यार लेगीत हुंवारांतल्यान व्हडें करून ताणून एकदांचे पावात अशें एक संपादक विनोदान म्हणटालो. हांव चडसो पणजे रावतालों. टेन्शन टाळपाक.

शेंकड्यांनी मानेस्तांच्यो मुलाखती घेवपाची संद आकाशवाणीन दिली. हे मानेस्त वेगवेगळ्या माध्यमांतले आनी मळां वयले. तातूंत फोन इन कार्यावळी आसताल्यो. वेंचणूक काळांत वेंचणूक अधिकाऱ्यांच्यो मुलाखती आसताल्यो. मंत्र्यांच्यो मुलाखती आसताल्यो. ते खातीर संबंदीत मळा वयली माहिती अद्ययावत जाणून घेवप आनी तेंवूय कमी वेळांत हें सुद्धां सरावान हातार बसलें. अणकार

करपाची गती जितली विजेसारकी चपळ अचूक तितली बरी आसता. मंत्री, राष्ट्रपती, उपराष्ट्रपती हांचीं भाशणां आसतात. तीं अणकारचीं पडटात. तातूंतली चडशी उतरावळ संविधानीक उतरावळ आनी राज्यशास्त्रा कडेन संबंदीत आसता. अब्दुल कलाम जेन्ना राष्ट्रपती आशिल्ले तेन्ना तांच्या भाशणांत वैज्ञानिक संकल्पना आसताल्यो. कारण ते शास्त्रज्ञ. असल्यो संहिता अणकारीत करप आनीक जोखमीचें काम आसता. हीं आव्हानां पेलून, झेलून कौशल्य चकचकीत करपाची तालीम आकाशवाणीन दिली.

विधानसभा कामकाजाचे पत्रकारांनी बरयल्ले वृत्तांत वाचले. वृत्तांत संपादीत करचो पडटालो. कारण रेडीयो शैलीची, भाशेची आपली अशी एक शासकीय संहिता आसता. प्रादेशिक खबरो 7.30 क वाचून सोंपल्यो काय चाळीस मिनिटां भितर विधानसभा कामकाज संहिता ध्वनीमुद्रीत करची पडटा. कारण ती सवाय आठांक वाऱ्यार वता. घड्याळीक अनुसरून लयबद्ध स्पीड सांबाळप हें आकाशवाणीन आमच्या रगतांत घाल्लें सारतत्व जिणेंत कितल्याशाच पेण्यांचेर आनी मोडणांचेर उपेगी थारता.

ताळगांवां एकदां लग्नाक गेल्लों. थंय आमच्या चोडणेच्या गांवांतले शेजारी आनी हेर कांय कॅथलीक इश्ट आयिल्ले. आमच्या शेजारच्या दितॉज मानागेर रेडीयो चालूच आसता. आनीक पांच जाणांचो पंगड थंय पावलो. ते खोशयेन सांगूंक लागले – मुकेशबाब, आमी तुजो आवाज (न्यूज) डेली आयकोता. आमकां अभिमान दिसता, तूं आमचो गांवभांव म्हूण, अशी तोखणाय तांणी खोशयेन केली. अशे कितलेशेच खोशयेचे खीण आकाशवाणीन पोशांत घाले. ताचो परमळ जायां भशेन तस्सो आसा.

केंद्र सरकाराच्यो कांय बसका गोंयांत जाताल्यो. विदेशी फुडाऱ्यांच्यो कांय शिखर बसकाय गोंयांत जाताल्यो. तातूंतल्या कांय सत्रांनी फक्त दूरदर्शन आनी आकाशवाणीच्या अधिकाऱ्यांक वचपाची मेकळीक आसताली. ती संद आमकां मेळ्ळी. ध्वनीमुद्रणाच्या अति आर्विल्ल्या डिजिटल प्रणालीचें तशेंच डबिंग एडीटींग करपाचें प्रशिक्षण मेळ्ळें.

सरकाराचीं धोरणां, उपक्रम हांकां वेळोवेळ प्रसिद्धी दिवपाचें काम करपाची संद मेळ्ळी. आकाशवाणीचे जबाबदार न्यूजकास्टर म्हणून आमकां कायम ज्यो संदी, आदर, मान, शिकप मेळ्ळें ताचें मोल करूं नजो. ऱाष्ट्रपती, उपराष्ट्रपती आनी हेर मानेस्तांच्यो कार्यावळी मुखार बसून तांचें वार्तांकन करप ही जबाबदारीचीं कामां करपाची संद मेळ्ळी.

ह्या सगळ्या धांवपळीच्या चक्रांत, केंद्रार चलतल्यो श्रुतिका, हिंदी मराठी गितां, शास्त्रीय संगीत, साहित्य कला संस्कृती विशींच्यो वेगवेगळ्यो कार्यावळी हांची तयारी आनी प्रसारण कानार पडटालें. तातूंतल्यान फुलांच्यो पाकळ्यो फुलच्यो तशें अळंग विकसन जायत गेलें. आकाशवाणीन वेगवेगळ्या थरांचेर ओडलायणें दर्शन घडयलें. खरी श्रीमंती ती ही.

: आनी इतल्यान ह्यो खबरो सोंपल्यो!

❑

ये मेरा प्रेमपत्र पढकर....

दासू भगत

हसरत म्हणल्यार काळजाची इत्सा, कामना, लालसा, अरमान .....इकबाल हुसेन 1940 वर्सा ह्या सगळ्या सपानांची पोटली घेवन मुंबय आयलो, पूण ही पोटली दवरची खंय? ती कशी सांबाळपाची? हें वजें उणें करचें कशें? प्रस्नाफाटल्यान प्रस्न...कवी आसलो म्हूण कितें जालें? नोटबुकाच्या पानांची भाकरी करपाक मेळना...आनी शाय शिजोवन खावंक मेळना .....तेन्ना!!!! नोकरी मेळ्ळी. बस कंडक्टर. म्हयन्याचो पगार 11 रुपया. हें काम सुमार आठ वर्सां केलें. उपरांत इकबाल दर एका मुलाखतींत सदांच हे नोकरेचो उल्लेख करतालो. तो दीसभर बसीची घांट वाजयतालो आनी रातच्या वेळार रसाळ कविता रचतालो. दीसभर तो बस प्रवाशां मदीं आपले राधेचें तोंड सोदतालो. मागीर रातच्या वेळार ताची राधा ताका केन्ना गजल रुपान जाल्यार केन्ना कवितेच्या रुपान जाप दिताली.

.....हसरत आपले मोगिकेक जयपूरांत सोडून मुंबय आयलो, पूण ती ताच्या काळजांत आशिल्ली आनी ताच्या पेनांतल्यान ती व्हांवत रावली.....

उर्दू भाशेंत एहसानमंद आनी गैरतमंद अशीं दोन उतरां आसात. म्हणल्यार उपकारी आनी खूब नम्र. ह्या दोन गुणांचो मेळ म्हळ्यार हसरत जयपुरी. भुरगेपणांतल्या इश्टांनी हसरताक मुंबय वचपाक सगळ्या तरांनी आदार केल्लो. पांयतणां घेवपा सावन कपडे घेवपा मेरेन. हसरतान ही कृतज्ञताय ह्या उतरांनी योग्य वेळार उक्तायल्या–

''यारों ने मेरे वास्ते क्या कुछ नहीं किया
सौ बार शुक्रिया अरे सौ बार शुक्रिया
बचपन तुम्हारे साथ गुज़ारा है दोस्तो
ये दिल तुम्हारे प्यार का मारा है दोस्तों ''

राग येवचे पयलीं शिटकावणी दित एका गीतांत हसरत बरयता :

देखो रूठा ना करो, बात नज़रों की सुनो
हम न बोलेंगे कभी, तुम सताया ना करो
देखो रूठा ना करो.....

नूतन आनी देव आनंद हांचे जोडयेचेर चित्रीत केल्लें हें गीत रस्मी लेंसाचेर नाजूक हातान केल्ल्या भरतकामा वरी. एका वेळार नायिका म्हणटा–

जान पर मेरी बनी, आपकी ठहरी हंसी
हाय मैं जान गई, प्यार की फितनागरी

निमाणें उतर ''फितनागरी'' मजेशीर. ''फितना'' हो मूळ अरबी शब्द. ताचो अर्थ अचकीत अडचणी वा दंगल....मोगांत कितें जातलें हाची खात्री ना हें कितले सोबीतपणान समजायलां.....मनशाचें काळीज एक भोंवर...फुलां भोंवतणी सतत गायत भोंवपी ...तेन्ना तो सहजपणान बरयता–

''दिल का भंवर करे पुकार, प्यार का राग सुनो रे ''

मजा म्हणल्यार चड करून गीतांनी केन्नाच आयकूंक मेळनात अशीं कांय उतरां, ताणें आमच्या ओंठार सहज रितीन हाडलीं. ताच्या जायत्या गितां मदीं रफीच्या मधुर आवाजांतलें एक गीत म्हाका आवडटा तें म्हणल्यार

''ओ मेरे शाह–ए–खुबा, ओ मेरी जान–ए–जनाना
तुम मेरे पास होती हो, कोई दुसरा नही होता''

बहोत खुब आनी जनाना हीं उतरां वळखीचीं, पूण ''शाह–ए–खुबा'' आनी ''जान–ए–जनाना'' हीं उतरां म्हजेखातीर अनवळखी आशिल्लीं. पूण हीं उतरां ताच्या ओंठाक अशेतरेन दसलीं, जीं आयज लेगीत थंयच्यान हालपाक तयार नात. गालिबाचो समकालीन मोमीन खान मोमीन नांवाच्या उर्दू कवीची एक ओळ आसा ''तुम मेरे साथ होते हो, गोया कोई दूसरा नहीं होता,'' जीं मिर्जा गालिबान आयकलीं आनी ताच्या बदलाक तो आपलो दीवान दिवपाक तयार आशिल्लो, अशें म्हण्टात. हसरतान ''शाह–ए–खुबा'' आनी ''जान–ए–जनाना'' ह्या उतरांक अशे तरेन घुंवडायलीं, हाका लागून तें गीत अमर जालें.

संगीतकार जयकिशनान चाल रचली. तांचें गीत ''जाने कहाँ गये वो दिन....'' अजूनय अंगार काटो हाडटा आनी राज कपूराचें भावनांनी भरिल्लें तोंड दोळ्यां मुखार उबें रावता. ह्या गीताखातीर हसरताक डॉ आंबेडकर पुरस्कार फावो जाला. वर्ल्ड युनिव्हरसिटी रावंडान ताका डॉक्टरेट पदवी दिली. हसरत शैलेंद्रा परस ५ वर्सां व्हड आशिल्लो, पूण पिराय केन्नाच प्रतिभेचे आड आयली ना.

७० च्या दशका मेरेन जयकिशन आनी शैलेंद्र सदांखातीर गेले. जयकिशन अचकीत गेल्ल्यान हसरत मौन जालो. चार–पांच वर्सां उपरांत मुकेशय गेलो. कथानक फुडल्या पांवड्यार व्हरपी आदले गीतकार लेगीत अंतरले. हसरत हो एक असो कवी आसलो, जो रातचें रुपांतर सोबीत बायलेंत करतालो

आनी तिचे भोंवतणीं नखेत्रांची शाल गुठलायतालो. मागीर चंद्राच्या उजवाडान फुलपी ती भरजरी रात ताका नखेत्रांचें दान दिताली…

ताणें आपलें मूळ जल्म नांव सोडून अभिमानान ते सुवातेर आपल्या जल्मस्थानाचें नांव जयपुर जोडलें. ताची हवेली 'फिरदौस मांझील' जयपुरांतल्या रामगंज हांगा आशिल्ली. फिरदोस म्हळ्यार स्वर्ग. फिरदोसी हें ताचे आवयचें नांव आनी ताका आवयचो अथांग मोग आशिल्लो. आपले आवयची कुयदाद घेवपा खातीर ताणें खास दाई दवरिल्ली आनी लोक तिका बेगम आपा म्हणटाले. हे हवेली मुखारच ताची राधा रावताली. हे हवेलीच्या टेरेसाचेर बसून ताणें जायतीं गितां बरयलीं. ह्या अवलिया मनशान मुंबयच्या फुटपाथांचेर बसून मातयेचीं खेळणींय विकलीं. बस कंडक्टर आसतना सोबीत चलयो आनी बायलां कडल्यान तो तिकेटीचे पयशे घेनाशिल्लो. कारण ही सोबीतकाय गीतां रचपाची प्रेरणा दिता अशें ताका दिसतालें.

जयपूराक गुलाबी शार अशेंय म्हण्टात. ह्या शाराची गुलाबी रंगाची सावळी ताणें आपल्या पेनान धरली. 17 सप्टेंबर 1999 दिसा निमाणो प्रवास करचे पयलीं जायतीं वर्सां तोअज्ञातवासांत आशिल्लो.

❑



काणीकणी : रीळकरी वारकरी

दादा हेगडे

''वारी'' म्हळ्या उपरांत दोळ्या सामकार येता ती आषाढ म्हयन्यात पंढरपुराक वचपी भक्तांची भरीव मिरवणूक. हातूंत वांटेकार जातल्या भक्तांक वारकरी अशें म्हणटात. शेंकड्यांनी वर्सां आदीं सावन ही वारी अखंडपणान चालू आसा. सगळ्या समाजाक एकठांय हाडपाची तांक, ह्या पंढरपुरच्या वारींत आसा. 1800 सालांत संत तुकारामाचे वारस आनी संत ज्ञानेश्वरांचे भक्त भौ. हैबत्रवबुवा आरफळकर हांणी संत ज्ञानेश्वर आनी संत तुकाराम महाराजाच्या भक्तांचो एक पंगड केल्लो. हो पंगड वर्सान वर्स आषाढांतली एकादस मनोवंक मिरवणुकेन चलत पंढरपुराक वचूंक लागलो. आनी पंगडा पंगडांनी मिरवणुकेन वचपाची वारीची प्रथा सुरु जाली. सन 1820 सालांत आरफळकर हे सिंधिया राजाचे एक दरबारी आशिल्ले. वारी खंय सावन सुरु करप ते तांचे जेवण खाण, रातीं रावपाची वेवस्था ह्या सगळ्यां गजालींचे नियोजन सर्गेस्त हैबत्रवबुवा आरफळकर हांच्या फुडारपणा खाला जालां. तांणी केल्ल्या यत्ना पासत पंढरपुराच्या वारिक एक शिस्त, स्वताची अशी वळख तयार जाल्या. 1965 वर्सा फक्त आळंदी सावन वचपी पालखे वांगडा पांच हजार लोकांनी वांटो घेतील्लो अशी नोंद मेळटा. एक ते देड लाख शिस्तीन चलपी लोकांचो हो गतीशील गांवूच कसो म्हणूं येता. आयज हैबत्रवबुवा आरफळकर ट्रस्ट आनी आळंदी देवस्थान ट्रस्ट हांच्या जोडपालवान हें सगळे सुरळीत चलता.

आषाढीच्या निमतान देहू-आळंदी वा हेर सुवाती सावन पंढरपुरा कडेन चलत वचपी हे भक्त भोवरंगी संस्कृतीतायेचें प्रतीक जालां. वारी जरी महाराष्ट्राचो लोक उत्सव आसलो तरी गुजरात, मध्य

प्रदेश, कर्नाटक आनी आंध्र प्रदेशांतले लोक हातूंत वांटो घेतात. हालींसरांक हातूंत गोंय राज्यांतले पंगड वांटेकार जाल्ले दिसतात. वारी करतल्या मदीं थारावीक नित्यनेम आसतात. वर्सान वर्सा न चुकता ह्या दिंडेंत चलपी लोकां मदीं इश्टागतीचे संबंद तयार जातात. तांचे एक कुटुंब कशें तयार जाता. भक्तीचो हो एक मार्ग जरी म्हळो तरी वारकरी पंथांची आवड आशिल्ल्या लोकांक धा ते पंदरा दीस अभंग गावपाची आनी भजन आयकुपाची खोस मेळटा. भजन मंडळांक मुळावे भजनांचें धडे मेळटात. नव्या शिकप्यांक ही आयती मेळिल्ली संद कशी आसता. ह्या भायर हांगा संतांच्या विचारांचेर, सुवाळ्यांतल्या बदलत्या घडणुकां विशीं चर्चा जाता. दर दिसा कीर्तन, प्रवचनां आयकुंक मेळटात. आतां प्रवासांची साधनां सोंपी तशींच परवडपा योग्य जाल्यात. मार्गा वेल्यो सुविधा, संपर्क आनी जोडणी साधनां वाडल्यात. ह्या पासत हातूंत वांटो घेवपी लोकांचो आंकडो वाडत गेला. वेग-वेगळ्यां माध्यमांतल्यान जगभर लोकांनी ही वारी पळयल्या आनी त्या विशीं आयकलां. थंय सावन संसार भरच्या बिगर वारकारी लोकांचे वांटो घेवप वाडले. ''एक वारीचो तरी अणभव घेवचो'' ह्या विचारान लेगीत हांगा येवपी लोकांचोय आंकडो वाडत आसा.

तशें पळोवक गेल्यार वारींत कोणाकूय येवंक मेळटा. कांय जाण खास ती खऱ्यांनीच कशी आसा अणभवचे खातीर वांटो घेतात. मिरवणुकेंत वांटेकार जाल्ले, कसली प्रतिकूल परिस्थिती भोगतात हें जाणा जावन घेतात. आपणें घेतिल्ल्या अणभवा उपरांत कांय जाणां मदीं वारकाऱ्यांची सेवा करपाचो हेतू निर्माण जाता. हे लोक उपरांत विंगड विंगड तरेनी आपली सेवा दितात. मात कांय जाण बरो वेवसाय करुन पयशे जोडपाची हीच संद अशें मानतात. फाटीं सावन तें चलत आयलां. आदीं हे लोक च्यावेच्यो गाडयो, नाश्ता-खाणांचीं दुकानां, केस कात्रप, दाडी करप, चप्पलां शिंवप, बॅगो दुरुस्त करप, अशे वेवसाय करून पयशे जोडटाले. आतां तेच लोक मोबायल चार्जिंग, नवी सीमकार्डां, मोबायल चार्जर, दुख्खेर वखदां तशेंच हेर गरजेच्यो वस्तू विकून पयसो जोडटात. हे भोंवते-फिरते पसरकार आपलो मांड घेवन वारी वांगडा चलतात. ''पानवेली निमतान मशिंगाक उदक'' ह्या म्हणी प्रमाणें पसरकारांची वारी ह्या तरेन पुराय जाता. हालींसरां नास्तिक आनी नकली वारकरी हांगा वांटेकार जाल्ले नदरेंत आयल्यात. हांच्या मदीं नाटकी, डावपेच वादी पत्रकार, बंडखोर लेखक, बेगडी समाज सेवक, असल्यांची घुसखोरी जायत आसा.

वारी ही सगळ्यांची. तिचेर आनी श्री. विठ्ठलाचेर कोणाचीच मक्तेदारी ना. ही गजाल जरी खरी तरी जण एकल्याचो हांतूत सामील जावपा फाटलो हेत मात शुद्ध आसूंक जाय. संत तुकोबा म्हणटात ''शुद्ध बिजापोटी, फळे रसाळ गोमटी''. जायते जाण हाचो फायदो घेतना दिसतात. कांय जाण तर आपूण पत्रकार, समाजसेवक म्हणत भितर घुसतात. राजकी मुखेली, स्वघोशीत समाजसेवक, स्वघोशीत बुदवंत हांच्या वांगडा तांचो ''होयबा'' चो गट सामील जाता. ह्या लोकांचो हेत शुद्ध ना हें स्पश्ट दिसता. संत तुकारामाच्या ''विष्णुमाय जग वैष्णवांचा धर्म'' ह्या विचाराचो हांगा उरफाटें तरेन वापर जायत आसा. धर्म कोल्ली लोकांचीं पुस्तकां वांटपी, धर्माची टवाळी करपी, उत्सवांची फकाणां करपी असले बेगडी, दुट्टपी, नास्तिक लोक हाचो फायदो घेतना दिसतात. कांय वर्सां आदीं सगळे जाण दिसाळीं, म्हयन्याळीं, रेडीयो हाणी केल्ल्या वारीचे वर्णन वाचून वा आयकुन ती समजून घेताले. आता तो तेंप बरोच फाटीं पडला. आयच्या युगाक' प्रसिद्धी आनी जायरातीचें युग' जरी म्हळें, तरी ते कोणाक गरजेचे? एक प्रसार माध्यमां, जी पावशी अळम्यावरी तयार जातात तांका. दुसरे राजकारणी लोकांक. वेंचणुके वेळार आपली वेंचून येवपाची अनिश्चततेची सुलूस लागल्या बराबर 'प्रसिद्धी आनी जायरातींचो

सपाटो लायतात तांका. कितेंय जालें तरी तांका नामना जाय आसता. सतत कोणें तरी आपल्याक आपणावन घेवंक जाय अशें दिसता. प्रसार माध्यमां तर कितेय जावं ''घडटा'' थंय आमी हाजीर अशे तरेन तयार आसतात. रस्त्यावेल्या रस्ताद सुण्याचें मरण लेगीत 'इव्हेंट' करून हेरां पयलीं आपल्या चॅनलांचेर प्रसारीत केल्ली गजाल तांका मोठो पराक्रम कसो दिसता. हालींच्या काळांत हाची व्याप्ती व्हड प्रमाणांत वाडत चल्लल्या. खंयच्या घडणुकेच्या' खबरांचें मोल' ना जायत आसा. जायत्या फावट हांणी दिल्लल्या चुकीच्या म्हायतीचेर विस्वासून लोकां मदीं गोंदळ निर्माण लेगीत जाता. हें सगळे कमी म्हण पावला कणकणी, अवती भवती ''स्मार्ट लोक'' तयार जाल्यात. भला उसकी कमीज मेरे कमीज से सफेद कैसी'' एका साबणाच्या कंपनीची जायरात करतल्यांनी बऱ्याच आदीं असल्या मानसिकतायेचो अभ्यास केल्लो आसूंक जाय. आपूण कितें तरी असामान्य करता अशी हांची भावना आसता. हांच्या मदीं ''ससा पळाला म्हणून मी पळालो'' असल्यांचो अदीक आस्पाव जाता. असल्यांक स्मार्ट जावंक कसलीच शिक्षणीक पात्रताय लागना. अक्कल जायच अशेंय ना. विचार करपाची तांक आसची लागना. तरेकवार कपडे, खास रंगलेलीं खुमणी, बेसूर न्हय कसलोच सूर नाशिल्ले गायन आपली विद्वता? जगभर घालपी अशी ही वेगळीच जमात निर्माण जाल्या. ह्या जमातीन इंग्लिश स्मार्ट ह्या शब्दाचो अर्थ पालटायला. ''घंट भिन्ध्यात् पटं छीन्ध्यात् कुर्याद्रासभरोहणम् येन केन प्रकारेण प्रसिद्धः पुरुषोभवेत'' संस्कृत भाशेंतलें सुंदर सुभाषित हांका जुस्त लागू जाता. आपणाचेर लोकांचें लक्ष वचचें म्हण तांची कितेय करपाची तयारी आसता. मेळटा तें फोड, कपडे काड, नागडो जा, गाडवार बस वा दुकराचो वाडदिस मनय. आनी नवीं लुगटां, नवीं कापडां, नवे बूट, नवी तोपी, घालून नाचपाची, हांसपाची, रडपाची, गावपाची, खावपाची रीळ कर. हें हांचें धोरण. मागीर ते कितलेय हास्सास्पद जायना. हांचेर कसलोच परिणाम जायना. उरफाटें, रीळ केली ना आनी सोशल मिडियाचेर घालेना तर आपलो जल्म व्यर्थ वचत अशी तांका भिरांत दिसता.

हातांत टाळां जाग्यार ''स्मार्ट फोन'', गळ्यांत तुळशी माळे जाग्यार मायक घालून वारींत घुसपी ह्या रीळकऱ्यांक खऱ्या वारकऱ्यांनी बेगो-बेग धांवडान दिवंक जाय. ना तर पंढरपुरच्या श्री विठ्ठलाचेर वीटे वेल्यान देवून कमरेवेले हात सोडून घुसखोरांच्या मानगुटाक धरून तांच्या पेंगाटांचेर खोंट घालपाची पाळी येवं येता.

❑

वर्णमुद्राचा नवा कवितासंग्रह

झेन्नाच्या कविता

दिनकर मनवर

किंमत ₹ ३५०/-
सवलतीत ₹ २७५/- ला पोस्टेजसह घरपोच मिळेल.
संपर्क : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स, शेगाव, जिल्हा बुलढाणा
९९२३७२४५५०
नमूद केलेला मोबाईल नंबर ९९२३७२४५५० हाच व्हॉटसॲप नंबर आहे, पत्ता त्यावरच कळवता येईल.
अकाउंट डिटेल्स :

VARNAMUDRA PUBLISHERS
HDFC CURRENT A/C No.
50200047627114
IFSC : HDFC0002817
BRANCH : SHEGAON
OR
GPAY
9923724550 MANOJ PATHAK

किंवा

वर्णमुद्राची अलीकडे प्रकाशित पुस्तके



जीवीचे जिवलग
हेमंत गोविंद जोगळेकर
३७५/– चरित्रपर लेख–टिपणे



मृत्युपत्र
पंकज कुरुलकर,
६५०/–, कथासंग्रहे

पल्याडी भाषा अल्याडी जीवने
पुरुषोत्तम देशमुख
२७५/– लेख–टिपणे

संपर्क : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स,
शेगाव, जिल्हा बुलढाणा
९९२३७२४५५०
नमूद केलेला मोबाईल नंबर ९९२३७२४५५०
हाच व्हॉटसॲप नंबर आहे, पत्ता त्यावरच
कळवता येईल.
अकाउंट डिटेल्स :

VARNAMUDRA PUBLISHERS
HDFC CURRENT A/C No.
50200047627114
IFSC : HDFC0002817
BRANCH : SHEGAON
OR
GPAY
9923724550 MANOJ PATHAK

किंवा

। वर्णमुद्रा पब्लिशर्स ।

(वर्णमुद्राची अलीकडची प्रकाशित २५ पुस्तके)

८१) आधार, पंकज कुरुलकर, ६५०/-, कथा
८२) समाधानांचे निराकरण, प्रकाश हरी कार्लेकर, ६५०/-, कविता
८३) तृषार्त, गणेश चौधरी, ५००/-, कविता
८४) वसंत आबाजी डहाके : समग्र आकलन, संपादन - मंगेश नारायणराव काळे, १०००/-, लेख टिपणे
८५) संकीर्तन, संतोष मायामोहन, अनुवाद श्याम माधव धोंड, २५०/-, अनुवादित कविता
८६) काचेचं मन, गणेश चौधरी, ५००/-, पत्रे
८७) मोझार्टचे रेक्विअम, गणेश वामन कनाटे, २७५/-, कविता
८८) पोपटपंची चतुर्की जान, सुनो पार्वती शिरी भगवान, संजीव खांडेकर, ३२५/-, दीर्घ कविता
८९) अक्षरांचा संग, महेश्वर लव्हेकर, ५००/-, लेख-टिपणे-अनुवाद
९०) अंतरंग, सना पंडित, २२५/-, ललित लेख
९१) अभिसारिका, सना पंडित, ७५/-, दीर्घ कविता
९२) समर ऑफ सेव्हन्टीनाईन, सुरेंद्र विठ्ठल दरेकर, ६५४/-, कादंबरी
९३) वीर जन्मला त्याची गोष्ट, शलाका घैसास, १००/-, बालवाङ्मय
९४) घरी जाता जाता, शलाका घैसास, १००/-, बालवाङ्मय
९५) यशवंत मनोहर ह्यांचे ललित वाङ्मय, डॉ. अनिल नितनवरे, ९२५/-
९६) झाडाची कविता, जितेंद्र कुंवर, ३५०/-, कविता
९७) झेन्नाच्या कविता, दिनकर मनवर, ३५०/-, कविता
९८) सायंवळ, जयश्री दाणी, ४२४/-, कविता
९९) जीवीचे जिवलग, हेमंत गोविंद जोगळेकर, ३७५/-, चरित्रपर लेख-टिपणे
१००) मृत्युपत्र, पंकज कुरुलकर, ६५०/-, कथासंग्रह
१०१) पल्याडी भाषा अल्याडी जीवने, पुरुषोत्तम देशमुख, २७५/-, लेख-टिपणे
१०२) समज-उमज, कल्पना मलये, १७५/-, कविता

मुख्य वितरक : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स शेगाव, जिल्हा बुलढाणा मो. : ९९२३७२४५५०

उपवितरक : १) पुस्तकवाला ॲण्ड कंपनी, पुणे मो. : ८६२४९७७०२९
२) मैत्री पब्लिकेशन, पुणे मो. : ९६५७२४०८२४
३) वाल्डन बुक स्टोअर, पुणे मो. : ९७६६९७५१६५
४) बुककट्टा अमरावती, मो. : ८३७८८९५९१६

मुख्य कार्यालय : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स, पृथक, रामकृष्णनगर, शेगाव, जिल्हा बुलडाणा ४४४ २०३
E mail : varnamudra.editors@gmail.com Wecsite : www.varnamudra.com Mo. : 9923724550

संजना पब्लिकेशन्सचीं नवीं प्रकाशनां



मोल : 350/-



मोल : 350/-

मोल : 250/-



मोल : 200/-

आमचीं पुस्तकां

• **संजना पब्लिकेशन्स,** 39, दत्तवाडी, सांगें, गोंय. 403 704
sanjanapublications2@gmail.com मोबायल : 9552551425

• गोवा कोंकणी अकादेमी • कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव
• वर्षा बुक स्टॉल, पणजी
आनी • **Amazon.in** चेर मेळटात

वर्णमुद्रा इ नेमाळ्याचो हो एप्रिल–मे– जून 2025 चो अंक मालक, मुद्रक आनी प्रकाशक मनोज सुरेंद्र पाठक हाणीं वर्णमुद्राचे वेबसायटीचेर उजवाडायला आनी अंकाची मुद्रित प्रत रामकृष्ण सोसायटी, एस बी आय कॉलनी, दत्त मंदिरालागीं, शेगाव, जिल्लो बुलढाणा (महाराष्ट्र) हांगासावन खासगी वितरणाखातीर उजवाडाक हाडल्या.

ईमेल : varnamudra.editors@gmail.com **वेबसायट :** http://www.varnamudra.com/

मुख्य वितरक
वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स, शेगाव, मोबायल नंबर : 9923724550
वर्णमुद्रा इ नेमाळ्याच्या मुद्रित प्रतींचें आनी पुस्तकांचें गोयांत वितरण जाता.
संपर्क : दिनेश मणेरकार, मोबायल नंबर : 9552551425